मनमोतयां

तुकाराम रामा शेट

मनमोतयां

(ललीत लेख)

तुकाराम रामा शेट

कोंकण टायम्स पब्लीकेशन

• Manmotayam
(A collection of literary essays in konkani
by Tukaram Rama Shet)

• © तुकाराम रामा शेट

• पयली उजवाडावणी: २००९

• उजवाडावपी
हिरा तुकाराम शेट
कोंकण टायम्स पब्लीकेशन
व्हाळकेश्वरवाडो, बेती, बार्देश, गोंय ४०३ १०१
फोन: २४११४१४

• अक्षर संयोजन
कलाकृती
मधुबन कॉम्प्लेक्स, तांबडी माती
सांतइनेज, पणजी, गोंय,
फोन : २४२६५२६

• छापपी
सह्याद्री ऑफसेट सिस्टम
खोर्ली, तिसवाडी, गोंय

• मुखचित्र
गौरीश वेर्णेकार

• मोल: रु. १६०/-

पुस्तक अर्पण

गोंयचो सुटके झुजारी
म्हजो मोगाळ मावसो
मधुकर पिसो शेट
हांकां नमळायेन...

भुरगेपणांत जंय
हांव घडलों
त्या मायेच्या
वळवय गांवाक...

आख्खें गोंय म्हजी कर्मभूंय
जंय रावन जाली
त्या पणजे शाराक आनी
मोगाळ बेती गांवाक ...

ह्या सोबीत गांवांतल्यान
व्हांवत रावपी नी
म्हाका सांगात दिवपी
जिवनदायिनी मांडवीमायेक ...

– तुकाराम

मांडावळ

१.	न्हंयतलो शिपो	५
२.	खांदयांचो माड	९
३.	आत्माराम पडला गोळाक	१३
४.	अशीच एक याद	१७
५.	आयब	२३
६.	खूब वर्सांनी गांवांत पावता तेन्ना ...	३०
७.	आमची हुनुल्ली आळवा वयता	३४
८.	जिती जिवी नक्शी	३८
९.	देवचाराची चूड	४३
१०.	चल सोऽदी	५०
११.	साय सुऽऽटली	५५
१२.	पडबिम्ब	६२
१३.	जिवितांतली आपालिपा	६६
१४.	उलो मारून घरांत यो ...	७१
१५.	भावालें घर	७७
१६.	पिसोळ्याच्या पाखा	८१
१७.	पॅकांतली बेनूळ्ळ	८७
१८.	मान आनी धन ...	९२
१९.	फरासीक दुर्गाकुशीक ...	९७
२०.	प्युवर म्हॉव आनी गुरुजी	१०२
२१.	दुखिचें बोट	१०७
२२.	जिवितांतली सोबितकाय	११२

न्हंयतलो शिपो

खूब दीस जाले तरी हांव गांवांत आनी गांवाकडसून व्हांवतले न्हंयकडे पावूंना. हांव सामकोच अस्वस्थ आसा. ही म्हजी अस्वस्थताय हांव म्हज्या गांवचे न्हंयेकडे पावूना म्हूण तिगोवन उरल्या. केन्ना केन्ना हे अस्वस्थतायेन म्हजी तकली फोडटा. दोळ्यांतल्यान उजो येता आनी दोळे चुरचुरता. म्हजे तकलेंत शारांतल्या वेवारांतले ताण पिकपीक करून पेट्टल्या बल्बावरी आपली जाणीव दाखयत आसतात. जेन्ना जेन्ना तकलेंत हे ताण आसतात, मन अस्वस्थ आसता वा मन उबगता तेन्ना तेन्ना म्हाका म्हजे गांवचे न्हंयची याद येताच येता.

गांवच्या कुशिकच्यान मांडवी न्हय थिरावल्ल्यावरी संथ व्हांवता. तिच्या कांठार पावतकूच म्हजे मन खिणभर थिरावता आनी मागीर तिचे व्हांवते संथ लयीत एकरूप जातां. पावस झडून गेल्ल्यावरी सगळी अस्वस्थताय खंयचेकडे नाच जाता. तकलेतले पेंच देवतात. जिवाक सामकी थाकाय मेळटा. न्हंयच्या शितळ आनी संथ प्रवाहांत मेळून गेल्ल्यावरी ही थाकाय आसता.

न्हंयची देग म्हजें विश्रांती थळ. थंय म्हाका सामको एकान्त मेळटा. कांठार आपलेच तनरेत धोलतल्या माडाक तेकून हांव बसतां. भाटीर येवन लोळटल्या ल्हारांच्या सुरांच्या सांगाताक, माडाच्या चुडतांच्या पाख्यापोदां म्हाका तनरी लागता. हे तनरेत सामकी भूल पडटा. सगलें सगलें विसरतां. खऱ्या अर्थान एकान्त जातां.

न्हंयच्या सांगाताकूच म्हजें बालपण गेलें. हे न्हंयेत न्हावप-पेवप, खुबे काडपाक बुडी मारप, नुस्तें गरोवप, पोनेळ ताणीत ताणीत न्हंयभर हेडप आनी हेच न्हंयच्या देगेर बसून कविता करी मेरेन हिचो सांगात लाबला. न्हंयत न्हातना कोबों-कोंबी करप, एकामेकांचेर 'घूस' घालून पेवप, एकामेकांची फाट धरप, खोल खरायेक हात लावप, मदल्या प्रवाहाच्या झोतांत व्हांवून वचपी चुडताक वा नाल्लाक हाडपाची सर्त करप, न्हंयच्या पलतडी पेवन वचप, न्हंयच्या खोल उदकांत नांगरून दवरलेल्या पोनेळाच्या वा व्हड्याच्या पोटा खालसून वचून वयर सरप, उदकांत बुडी मारून दम धरप. अशे तरेचे खेळ खेळून आमचे दीस गेल्यात. खाऱ्या उदकांत न्हातना आंबट तोरां खावपाची रूच वेगळीच आसताली. न्हंयच्या उदकाच्या प्रवाहांत जितली मस्तेपणा ना तितली आमी न्हंयच्या कुशीत मस्तेपणा केल्यांत. तिचे व्हंटयेत पेवपाक आमकां उमेद येताली. आतां केन्नाय भरतेक पुराय उदक भल्लेलें आसता. तेन्ना म्हज्या रगताकूय अशीच भरती येता.

रगत सळसळटा. हें सळसळपी रगत न्हंयच्या उदकांत उडी घेवपाक उसळटा. मागीर फाटी फुडें न पळयतां, वांगडा न्हावपाक कोण नासले तरी, कोणूय किदें म्हणत हाची पर्वा न करतां, एकटोच न्हंयच्या उदकांत उडी घेतां.

खूब वर्सां पयली गांवांतल्यान राजपाटणाक वचपी वाफोर आसलो. तेन्ना ह्या वाफोरांतल्यान राजपाटणाक वचपाक म्हाका संद मेळ्ळ्या. वाफोर न्हंयदेगेच्या गांवांच्या धक्यांक लागत लागत थंयचे प्रवासी घेवन राजपाटणाक पावतालो. वाफोरांतल्यान वयतना पुराय न्हंयचे दर्शन घडटालें. न्हंयचेर ओणव घेतलेले माड, आपल्या असंख्य मुळांचेर उब्यो रावल्ल्यो हिपळी, भोवरे कशे लोमपी आंबट गोड चीप. कांदळांचीं गच्च रानां. त्या कादळांच्या झाडांचेर नाकांतले पिलये भाशेन आसलेलीं कांदळां. तांचो घमघमीत परमळ. न्हंयच्या कुशिकच्यो वाकड्यो तिकड्यो नुस्त्याच्यो पोंयो. पोंयाच्या शेवटाक न्हंयच्या देगेकडच्यो मानसो आनी तांचें दार उक्तें करून जाळें लायल्लें आसलें तर मानसांतसून येवपी धवोफुल्ल उदकाचो झोत. नुस्तें आडावन धरपाखातीर वंय कशी लायल्ली खुटावणी, तर न्हंयच्या मदल्या प्रवाहाच्या आड माडयो पुरून केल्ली हार. न्हंयतले मदले हुडे, मदी मदी आसलेले ल्हान जुंवे ह्या प्रवासांत भेट्टाले. आमच्या गांवाकडे आसलेलो न्हंयचो प्रवाह फुडें फुडें रूंद जायत गेला. आनी राजपाटण जावन मागीर हो न्हंयचो प्रवाह अरबी दर्याच्या व्हडल्या रुपाक मेळ्ळा. वाफोरांतल्यान वयतना न्हंयची वेगवेगळी सोबीत रूपां पळोवंक मेळटाली. पूण आतां तर हो वाफोर बंद जालो आनी न्हंयच्या प्रवासांतले सूख पयस गेलें.

म्हजो गांव हेच न्हंयच्या उदकार वाडला. खुबे काडप, गरोवन, पागोवन, येणयेत, काटाळ्यानी नुस्ते मारून आनी व्हडीं चलोवन ह्या गांवचे चडशे लोक पोट भरताले. पूण आतां तर रस्त्यावयल्यान येरादारी वाडलेल्यान न्हंयतले 'व्हडेंपण' बंद जालें. हे न्हंयेत रांगेत व्हडीं, सांगडी नांगरून दवरलेल्यो आसताल्यो. कांय व्हडीं शिडां आकारून भायर वचपाक सुट्टालीं वा कांय व्हडीं शिडां पालोवन बंदराक येवन लागतालीं. तें चित्रूच आता दिसना. न्हंयूच उगडी दिसता. हे उगडे न्हंयेक पळोवन दूख भोगता. किदेंतरी शेणल्याचें दूख जाता. आनी ह्या दुखान दोळे मेटल्याबराबर फाटल्यो यादी अचळय येत. दोळ्यांसामखार न्हंयेत कितलीशीच व्हडीं, सांगडी, आनी ल्हानमोटे पोनेळ हालतना धोलतना दिसतात.

म्हजे वाडवडील धरून गांवचे आदले सगले लोक हे न्हंयच्या देगेर जल्मले. तांची हाडां हेच न्हंयच्या देगेर उबी रावलीं आनी हेच न्हंयेत विसर्जित जालीं. आदल्या कितल्याश्याच लोकांची सारी आपल्या हुंटयेन घेवन ही न्हंय

गांवांतल्यान व्हांवत आसा.

हे न्हंयच्या कांठार येताच किदेंतरी शेणल्याची आनी किदेंतरी गावल्ल्याची जाणविकाय जाता. न्हंयकडे पावल्याबराबर म्हजो फाटलो काळ न्हंयच्या कांठार शेणल्याची याद जाता आनी म्हजे जिणेक सुकती आयल्ल्याभाशेन जाता. मागीर फाटली सगळी याद जाता. चित्रां कशी दोळ्यासामखार फाटल्यो यादी नियाळटात. ह्या यादीनी किदें शेणलें तें गावल्ल्याची खोस जाता. यादिनी हे खोश्शेक सामकी भरती येता. म्हज्या ल्हानपणांत एक दीस म्हज्या बापायन न्हंयच्या खरायेतले खुबे जाळयेन काडले. आनी ते खुबे वेचपाक म्हाका सांगलें. पाशाणी शेकऱ्यांतले आनी रेंवेंतले ते खुबे वेचतां वेचतां त्यावेळा म्हाका आठ आणे गावल्ले. ते आठ आणे गावल्ल्याची जितली खोस जाल्ली तितलीच किदेंतरी गावल्ल्याची खोस हे न्हंयच्या कांठार येतकूच म्हाका जाता.

न्हंयचे देगेर एकान्तांत बसतकूच एक वेगळीच तनरी लागता. न्हंयच्या खरायेत हात घातल्याबराबर पोसोभर काळे खुबे मेळचे तशेच यादीच्यो खणी हे तनरेंत लागता. हे यादींत फाटलें अणभव जागे जातात. ह्या अणभावाचो खडबडीतपणा वचून न्हंयच्या प्रवाहांतल्या शेकऱ्यांवरी सुळसुळीत जाता. त्या अणभवांक तांची खाशेली तासां पडटात. आनी ते म्हज्यामुखार आपले रूप घेवन उबे रावतात.

केन्ना केन्ना हांव न्हंयच्या कांठावयल्या चित्रांत तद्रूप जातां. सकाळचो आनी सांजवेळचो देखाव तर मनभुलायणो आसता. आनी तेपरस आमोरे वयली आनी रातीची चित्रां पिशें लायता. आमोरेर न्हंयच्या कांठाक काळखाची झालर लागता. मागीर ही काळखाची झालर अदीक दाट जायत वयता. वाठार काळो जाता. न्हंयूय आपले दिसांतले पांचवें निळशें रूप सोडून पिशें लावपी काळशे सयेचें रूप घेवन येता. ह्या रूपानूच म्हाका चड पिशें लायलां. ह्या संथ, थंड, सांवळ्या न्हंयच्या रुपांतल्या उदकांत मळबांतली नखेत्रां देवतात. न्हंयचो प्रवाहूच नखेत्रांनी लिकलिकून वयता. त्या वेळार ते काळेसांवळे न्हंयेत जीव शेवटून उडोवंचो इतलें पिशेंपण येता; हांव पिसो जातां.

हिच्या परिसरांत म्हाका खूब किदें सापडटा. हिच्या परिसराकडे हांव नातें जोडटां. तादात्म्य जोडटां. ह्या नात्यातल्यान आनी तादात्म्यातल्यान कविता जल्माक येता. म्हज्यो कविता न्हंयच्या देगेरूच जल्माक आयल्यात. हे खातीर हांव म्हणीन म्हज्या मनाच्या पिंडाक हेच न्हंयच्या उदकाची धार लाभल्या.

न्हंयच्या कांठार बसलेकडे कलात्मक अणभव म्हजेसामखार उबे

रावल्यात. हांगाच्या सैमाची कलात्मक चित्रां पळयतना, जिणेतल्या अणभवांच्यो यादी घोळयतना त्या अणभवाक कलाकृतीची तासां येतात आनी मागीर तो कलात्मक अणभव म्हज्या मनांत गर्ब धरता. मनाच्या उदकाचें पाजण मेळून तो अदीक चकचकीत जाता. आपल्या पुराय रुपाक येता. असो तो पुराय रुपाक आयल्लो मोती कसो अणभव म्हज्या मनाच्या शिप्यांत धरून किदें गावलेल्याच्या समाधानांत घरा परततां.

❑❑❑

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No :002919

खांदयांचो माड

तांबड्या मातयेर हांव पावना फुडेच काळ्या डांबरी रस्त्याक तांबडी आडवाट फुटलेली तेवशीन म्हजे पांय वळ्ळे. ही तांबडी आडवाट वाकडी तिकडी जावन फुडें पांच फाट्यांच्या माडाकडे वयताली. हो सामान्य माड न्हय. वयर मदीच एकीचकडे पांच फाटे फुटलेलो हो माड.....पांच खांदयांचो माड. ल्हानूच भाटांतलो आगळो वेगळो माड. सगळ्यांच्यो नदरो आपल्या विशेश विचित्रपणान आपलेकडे ओडून घेतालो. तांबड्या रस्त्याकुशीकचो हो माड तीन चार वांव वयर हेर माडासारकोच. पूण फुडें मदीच एकीचकडे हाताची पांच बोटां कशीं पांच फाटे. आनी हे पांच फाटे तशेच नीट तीन वांव तिरपे वाडत गेल्ले. वयर दर एका खांदयांच्या तेंगशेर ल्हान चुडटां वाऱ्या वांगडा सळसळटालीं. ल्हानूच कोंवाळो, आनी खांदयां कणकणी पेणीक एक दोन नाल्लाचे बोंडे हुमकळ्यो मारताले.

हो माड पळोवंक हांव खास मिरामारसावन हांगा येतालों. कॉलेज सांजचें सोपलें म्हण्टगीर केन्ना केन्नाय हांगां कोणेतरी ओडून हाडल्यावरी हांव येतालों. मिरामारचे वेळेर भौनभौन वचपाचे वा कॉलेजच्या कॉरीडॉरांत रावन वेळ घालोवपाचें सोडून हांव ह्या खांदयांच्या माडाक भेटपाक ताका तोखेवपाक येतालों.

आयज तेच ओडीन हांव तांबडी आडवाट चलपाक लागलों. माडाच्या विचित्रपणाक लागून हांव झपाटून गेल्लों. पूण म्हाकाच कित्याक ह्या खांदयांच्या माडाची इतली ओड? सगळ्यांकूच विचित्रपणाचें नवल आसता पूण म्हाका हें नवल सदचें नवें कशें कित्याक दिसतालें? हांव या प्रश्नांच्या खोलायेतूच उरलों.

मागीर सट्‌करून याद आयली. विचित्रपणाच्या आवडीक तशी पोसवण मेळ्ळ्या जांवये; हें म्हज्या यादीतल्यान अचळय होलमत गेलें. म्हजी आजी एकवीस बोटांची. तिच्या उजव्या हाताच्या आखाण्याक आनीक एक ल्हान बोट वालीक फागूर फुटल्यावरी आसलें. आखाण्याच्या त्या ल्हान बोटाक वडाच्या कोमरेच्या पात्यासारकें तांबशें धवेंच नाखूट आसलें. ते केळीच्या बोणयेच्या पातयेसारकें सहज ओडून येतलें अशें म्हाका म्हज्या ल्हानपणांत दिसतालें. आज्जेच्या मांडयेर आसताना हांव तिच्या हातांच्या बोटाकडे खेळटालों. ती 'येथें येथें येथें येथें.... बस रेऽ मोरा' ही आल्लय गायत आपलो उजवो हात नाचयताली आनी बोटां वाकडी तिकडी वळयताली. तेन्ना म्हजेय हात हांव नाचयतालों. तशेच तिच्या हातांची बोटां म्हज्या धाकटुले मुठीत धरतालों आनी तिचो दोन

बोटांचो आखाणो म्हज्या तोंडान धरून चोखतालों. हांव चारपांच वर्सांचो जालों तशें म्हाका तिच्या आखाण्याचें अदीक नवल दिसतालें. आनी तिचो आखाणो म्हज्या हातानी धरून लक्तुबायेन तोखेतालों. तिच्याच हांतांची बोटां मेजून आंकडे शिकलों. एका हातांत स आंकडे मेजूंक शिकलों. म्हजे आज्जेच्या आवयकूय आंगठ्याक आनीक एक बोट आसलें. एकवीस बोटांचो वारसो म्हजे आज्जेक लाबलेलो. आनी तिच्या आखाण्याक धरून ल्हानपणांत म्हज्या विचित्रपणाच्या विशेश आवडीक वाड मेळ्ळी जावंये.

आमचो पयशिल्लो मामा आमगेर येतालो. ताचे लांब लांब केस आनी खाडमिश्यो पळोवन सगले भुरगे भियेताले आनी पयस वयताले. पूण हांव एकलोच न भियेतां ताच्या फुड्यांत वयतालो आनी ताच्या लांब लांब केसांमदल्या लांब विणयो कश्यो आसलेल्यो जटा हांव म्हज्या धाकटुल्या हातांनी ओडटालों. ताच्यो विणयो कश्यो घट्ट लांब पिंगश्यो जटा म्हाका विशेश आवडटाल्यो. तो आमकां खावपाक कांय हाडीनासलो पूण देवाचो काळो तांबडो बुको आनी गांठीगांठीच्यो काळ्यो दोरयो गळ्यांत घालपाक हाडटालो. जल्मासाकून ताच्या तकलेक ल्हान ल्हान जटा आसल्यो खंय. तो व्हडलो देवभक्त जातलो अशे ताच्या ल्हानपणासाकून म्हण्टाले. ताणे ल्हानपणात 'गुरूपदेश' घेतलेलो. पूण म्हाका ताच्या देवसपणाचे पडूं नासलें. हांव ताचेकडे व्हडा खोश्शेन वयतालों आनी लांब लांब सुरंगांचे वळेसर तकले वयल्यान सोडल्या भाशेन आसलेल्या ताच्या लांब जटांकडे बागडयो करतालों.

ल्हान भुरग्यांक रंगरंगयाळ्यो, विंगडविंगड चित्रविचित्र वस्तू जमोवपाची आनी सांबाळून दवरपाची चड संवंय आसता. वण्टीच्या कोनश्याक मातयेची मडकी तोंड भायर उक्ते दवरून पुरून केल्ल्या कुर्कूटांत हांवें जमयल्यो विंगड विंगड वस्ती आसताल्यो. एक दीस हांव त्यो सगळ्यो वस्तू भायर काडटालों आनी पसरून मांडून दवरतालों. शेवण्याची रंगीत बारीक मोठी पाखां, शिंपयो, घुलो, प्लास्टीकचीं फुलां, पाशाणी फातर, बेगडी, पेन्सिलींचे ल्हान कुडके. ते कंवचेच्या भिंगांतल्यान पळयल्यावरी रंगरंगयाळ्यो आनी विंगड विंगड आकाराच्यो दिसताल्यो आनी त्यो पळोवन म्हाका वेगळीच धादोसकाय भोगताली.

शाळेत वचपाक लागल्या उपरान्त हेराप्रमाण म्हज्याय पुस्तकांत वेगवेगळ्यो वस्ती जमपाक लागल्यो. मोरांचें पांख, कागदाची रंगीत चित्रां अश्या तरेच्या वस्तूनी घायमारीचे पान वा पानफुटीचें पान वाडलें. म्हज्या इश्टान एक दीस म्हाका दिल्ले तें हांवें तशेंच पुस्तकांत दवरलें. तें नाजूक मोव आनी भोंवतणी

कातरे आसलेले पांचवें पान; गमतीची मालमत्ता जाली. ह्या पानाक हांव मदी मदी पळयतालों. एकदीस त्या पानांक कुशीकच्या कातऱ्यांतल्यान धवीच ल्हान ल्हान मुळां आयलीं. कांय दिसांनी ती मात्शी अदीक वाडलीं. ती वाडत वयता तितलीं म्हजी उत्सुकताय वाडटाली. मागीर हांवें तें पान शाळेंत सगल्या भुरग्यांक दाखयलें. तशे ते अजापले. आमी कांय भुरगें तसलीच पानां हाडपाक रानांत गेले. ती पानां हाडून सगळ्यांक वांटली. मागीर दर एका भुरग्याच्या पुस्तकांत घायमारीच्या पानाच्या कात्र्या कणकणी मुळां फुटूं लागलीं.

देवचाराची थापटां कोणे पळयल्यां? खूब जाणानी पळयल्यां आसतलीं. निवालकाणे, कांटेकुंवर हांचेच जातीची. देवचाराची थापटां ही दाट पानां मोराच्या पांखांच्या आकाराची. पूण मनशाच्या हाताच्या तायटा येदी वा व्हडली आसतात. तांका सगळ्या आंगाक लांब सुयो कशे कांटे आसतात. हांचे विशेश अशे, ह्या एका थापटाक आनीक थापटां जाल्लीं आसतात. अशें हें झाड पिसारो फुलोवन उबो रावलेलो कलात्मक मोर कसो दिसता. पानाक पानां फुटलेलीं पळोवन म्हज्या ल्हानपणांत म्हाका अजाप दिसतालें तें आजुनूय तितलेंच आसा.

सादारण सगळ्या मनशांक विचित्रपणाची, विविधतायेची आवड. हे विचित्रपण पळयतकूच तो अजापता. सामान्य घडणुके परस वेगळी वा सामान्य गजाल न्हय ती विचित्र वा अजाप गजाल जाता. बोकडाक दोन शिंगा आसता पूण तीच जर चार शिंगा बोकडाक आयलीं वा दोन पायांचें पाडूक जल्मलें तशेच गायेक स पांय आनी दोनूय लिंगा आसलीं तर ती अजापाची गजाल जाता. आनी हें किदेंतरी अजापाचे पळयलें देखून मनशाक सर्वसादारण खोशे परसूय वेगळी खोस जाता. चार शिंगांचो बोकड, स पायांचें पाडूक आनी दोन लिंगांची गाय पैशे दिवन पळोवपाक लोक घिट्टी करतात. मनीस चित्रविचित्र वस्तू आपलेकडे बाळगिता तसोच विचित्र झाडांय तो आपल्या पोरसांत रोयता. ह्या विचित्र झाडांवरवी ताका आनंद जाल्लो आसता; तो वेगळी कलाकृती पळयल्याचो आनंद आसता. तशेच 'कॅक्टस्' ह्या जातीच्या वेगवेगळ्या तरेची झाडां वा हेर विचित्र झाडां आपल्या पोरसांत लावन विंगड विंगड कलाकृती सांबाळल्याचो आनी वाडयल्ल्याचो आनंद मनशाक भोगता.

मनशाक जितले चमत्कार घडोवन हाडपाक जालेना तितले चमत्कार सैमान घडोवन हाडल्यात. सैम होच एक चमत्कार. पूण केन्ना एका एका विशेश आकारातलो वा विशेश फॉर्मांतलो सैम मुळचें फार्म सोडून आनीक वेगळ्याच रूपांत वा फॉर्मांत दिसता तेन्ना त्या विचित्रपणाक पळोवन मनशाक अदीक अजाप

जावन कुवाडें पडटा. त्या चमत्कारान मनीस भारावन वयता. आनी त्या विचित्र रूपाच्या सैमाक दैवी शक्त मानून ताचे फुडें नतमस्तक जाता.

हांव भाटांत पावलों. पयसुनूच खांदयांच्या माडावशीन म्हजी नदर गेली आनी अचकीत म्हाका तो जागो रितो रितो कसो दिसलो. तसोच हांव बेगीन फुड्यांत गेलों, पळयत तर खांदयांचो माड मदेच मोडला. ताच्यो खांदयो थंय दिसल्यो नात. माड अर्द्यारूच मोडलेलो. आनी व्हडली मेड कशी माड उबो दिसलो. पांच खांदयो फुटलेल्यो थंयसून मोडून गेल्लो माड पळोवन म्हज्या आंगार मळबांतलो विजेचो लोळ गडगड जावन पडल्यावरी म्हाका जालें. आनी हांवूच मोडून हुमटून पडटां असो म्हाका भास जालो.

गेलें देड वर्स पयलीं माडाक पेड कशें चोंयवशीन आर्कांआर्कांचे शेर्क बांदलेले. शेर्काक रंग काडलेलो आनी फुडल्या व्हडल्या आर्काक देवाचे फोटो लायल्लो. लोकांनी आपल्या मनांतलें देवपण माडाक दसयल्लें. माडाच्या विचित्रपणाक, वेगळेपणाक देवपणांत बांदून उडयल्लें.

मळबाक धडो कसो लायल्यावरी मोडक्या माडाचो सुको करवो उबो आसलो. तो मात्सो ऐकेवशीन लकलेलो आनी सामकोच सुकून गेल्लो. दोन तीन म्हयन्याभितर तोय मुळासकट हुमटून पडून वयतलो आसलो. आनी ताचे निमाणेय अस्तित्व ना जावन वयतलें आसलें.

ह्या एकाच माडान त्या संबंद भाटाक वेगळोच अर्थ दिल्लो. तशेंच सदच्या जिणेक वेगळो नवलायेचो अर्थ दिवपी ह्या पांच खांदयांच्या विचित्रपणाच्या वोडीन हांव हांगा येतालों. ताका तोखेतालों तेन्ना म्हज्या मनांत तो किल्लतालो आनी पांच खांदयांच्या माडाचे विचित्रपण, वेगळेपण आनी विविधपण म्हज्या आंगापांगांत वाडत आसा अशी वेगळीच जाण म्हाका जाताली.

आपल्या जिणेक कोंब फुटोवन, हावेसाची वेगळी जीण जगप्यांचे प्रतीक जाल्लो हो माड आपल्या खांदयांसकट मोडून गेल्लो. तो आपल्या विचित्रपणासकट, विशेशताये सकट, विविधताये सकट ना जालो असो विचार म्हज्या मनांत येताच म्हजी तकली भेर्याली. मन निरशेलें तेच स्थितीत हांव परतलों. तेन्ना म्हजे जिणतेली विचित्र, विविध आनी वेगळी वस्त शेणल्याची... नाजाल्ल्याची जाणीव म्हज्या मनाचे खोल खरायेक अदीक तोपपाक लागली.

❑❑❑

आत्माराम पडला गोळाक

खूब फाटली गजाल. दिसभराचे तकालशीन पडवेवयल्या आराम खुर्चेर हांव बसलों. रातचे जेवणूय जाल्ल्यान पोट भरलेलें. कांय वेळा उपरान्त आरामखुर्चेर बसलां थंयच थंड वावान न्हिदेचे लकणेन दोळ्यांच्यो मलप्यो मेट्टल्ल्योच आसल्यो. तकलेंत कसलेंच विचार नासले. मनूय ल्हव जावन मेकळें मेकळें जाल्लें. ह्याच खिणाक आमच्या घराकडचे पांयवाटेवयल्यान येवपी मनशाची आकृताय नदरेक पडली. रातच्या काळखांत हयन्हयश्या उजवाडान त्या मनशाक वळखपाक सोपें जालें ना. तो मनीस दांडो हातांत घेवन जमनीक तेकयत तेकयत आनी एक पांय जमनिवयल्यान वोडीत वोडीत लागी येनाफुडें ताची वळख पटली. दारांत पेटत आसलेलो चिमणेचो दिवो पळोवनूच तो ऐदे रातीर हांगा पावल्लो. चिमणे दिव्याच्या उजवाडानूय ताचो तोंडावळो सारको दिसनासलो. तरी ताच्या कपलावयल्यो मिरयो आनी खोल खोल गेल्ले दोळे दिश्टी पडलेच.

दारांतल्या सोपणाक दाणो तेकोवन ताणे हडकिलो, ''बाब बरो आसा मरे तूं?'' हांवें हय म्हणिनाफुडें तो घरांत भितर सरून दाराक तेकून उबो रावलो. हरशी तो किदें नाजाल्यार किदें उलयतालो. पूण आयज मुंजो लागल्यावरी वोगीच रावन ताणे आपल्या खोमसाच्या बोल्सांत हात घालून विडयेचे उरलेलें पोंतेर काडलें. शिनालावयल्या दिव्यान पेटोवन तो तें विडये पोंतेर फुसकावपाक लागलो.

फाटल्या खूब वर्सासाकून तो असोच गांवांत भोंवतालो. केन्ना केन्ना आमगेल्या घराकडे येतालो. दनपारच्या वेळार पावल्यार केन्नाय जेवतालो. नाजाल्यार चार आणे घेवन वयतालो. हांव ताका पळयतसाकून ताच्या आंगार म्हातारपणाची कळा आसली. आतां तर आपल्या म्हातारपणाच्या ओज्यान ताका अदीक पोंग पडलेलें. पैशे जमोवन ते तो जेवणाक आनी सोऱ्याक मोडटालो. सोरो पियेतकूच ताच्या तोंडात जायतीं गितां घोळटालीं. तो पियेल्लो आसू वा नासू ताच्या तोंडार एक घोशगीत कशें आसतालेंच. गांवांत वा गांवाभायर भोवतां भोवतां थंय मदी मदी तो म्हणटालो, 'जागे ऽऽ मथुरे ऽ आत्माराम पडला गोळाक.' गांवांतली भुरगीं तो वाटेवयल्यान वयताना अदीक करून चाळयतालीं आनी म्हणटालीं, 'जागेऽऽ मथुरेऽ आत्माराम पडला गोळाक'. तो केन्नाच खोशयेन आसल्यार तांच्या सुराक सूर दिवन अदीक व्हडल्यान म्हणटालो.

ताचे पडलेले पोले, भितर वोडलेले दोळे, ताच्या हाडांचो सांपळो तशेच ताचे जमनीक पांय घसटत घसटत चलप पळोवन तो खासा गोळाक पडला अशें कोणाकूय दिसूं फाव. पूण तोच 'आत्माराम गोळाक पडला' अशें सगळ्यांक सांगीत भोंवतालो. कोणे आयकूं वा ना आयकूं तो 'मथुरेक' जागोवपाचे काम करीत आसलो.

विडयेचे कडू पोंतेर फुस्कायल्या उपरान्त ताणे चार आणे म्हजेकडे मागले. मोडचे पयशे नासल्यान हांवें आठ आणे ताच्या हातार दवरले. तसो तो देव बरें करूं म्हणून सोंपणा देवलो. मागीर आपलो दाणो जमनीक तेकयत आनी पांय लागलेल्या म्हाताऱ्या बैलावरी तो पांय जमनिवयल्यान घस्टीयत, वोडीत चलपाक लागलो. देवचारान कुकार घालची तशें पयस पावनाफुडें ताणे व्हडल्यान म्हणलें, 'जागे ऽऽ मथुरेऽ आत्माराम पडला गोळाक'. मशिदीतलें बांगेप्रमाण ताचो आवाज सगळ्याक सादयत गेलो.

तो गेलो आनी म्हाका दिसपाक लागलें. फकत तोच गोळाक पडूं ना तर हांवूय गोळाक पडलां. आनी ह्याच विचारान म्हजें काळीज धडधडपाक लागलें. भितल्लें कसले तरी भिरांतीत म्हजें मन सामकें शेळलें. ह्याच विचाराच्या धाग्यान हांव घुस्पून उरलों आनी तांतुतच गळ्याक फांस लावन हुंबकळपाक लागल्यावरी जालें.

मनांतल्या धाग्यांनी हें हुंबकळप सोसू नजो जावन हांव आरामखुर्चेवयल्यान उठलों. मन शांत करपाक सदच्यावरी उपाय म्हूण भायर भोंवडेक वचपाचे हांवें येवजिलें. घरकान्नीचे दिसभरचे काम सोपूं नासलें. ती आजुनय आयदणा धुताली. तिका न सांगताच हांवें घराभायर पावल दवरलें.

रात बरीच जाल्ली. गांवांतले कांय लोक जेवनखावन न्हिदलेले. कांय आजुनय जागेच आसले. कामाधंद्याक सदचे शारांत वचपाच्या फेऱ्यांत घुस्पलेले कांय जाण म्हज्या सारके बेगीनूच हातरुणार पडटा आसतले. ते येन्ना न्हिदल्या आसतले पूण हांव आजुनय जागोच आसलों. जल्माक येवन हांव गोळाक लागलां. सदचे काम केल्याबगर म्हजो निभाव ना. म्हजे बायलभुरग्यांचे पोट भरपाक म्हाका सदचे काम ओडून व्हरकूंच जाय. म्हजो जल्मूच ह्या अनंत विश्वाच्या फेऱ्याच्या एका धाग्यानूच बांदला. तांतूत हांव घुस्पून गेलां. सामको गोळाक लागलां. हातुंतल्यान म्हजी सुटका नाच. ह्या विचाराच्या तीख धारेन म्हज्या दोळ्यांच्या पातकड्यांवयले झेमेचें चेंपण केन्नाच ना जाल्लें.

घरांतसून भायर भोंवडेक सरल्या उपरान्त म्हजी ह्या विचाराविशीची जाण

व्हडली आनी खोल जायत गेली. फकत हांवूच गोळाक पडूं ना तर गांवांतले, गांवाभायले, सगले सगलेच मनीस आनी जीव गोळाक पडल्यात. संवसाराच्या फेऱ्यांत सगळे घुस्पून गेल्यात. हें घुस्पून उरप एक एकट्यापुरते उरूंक ना तर माया, मोग, भूक, वान्सा, भंय अश्या तरेच्या वळाव, घट्ट आनी न तुटपी धाग्यांनी एकामेकांक घुस्पून हुंबकळत उरल्यात.

सकयल्या वाड्यावयल्या शिवा सावंताची म्हालम्हातारी आजी रात जाली तरी कापसाची जोडवीं वळटाली. घरांतल्या मनशांचें, गोठ्यांतल्या गोरवांचें काम तीच करताली. ही म्हालम्हातारी आजी 'आपल्याक व्हर' अशें देवाक गाराणे घालीत आसताली. पूण तिच्या आदीच तिच्या दोनूय पुतांक देवान व्हेल्ले आनी तीच एकटी जाण्टी उरलेली. घरांतलें काम करता करतांच 'देवा म्हाका व्हर' म्हूण पराथताली.

आपा आपलें हॉटेल बरेच रातीर बंद करतालो. दुसरे दिसा फांतोडेर ताका आपलें हॉटेल उगतें करपाचें आसलें. ताचो हो नेम कितलींशीच वर्सां चलतालो. ह्याच धंद्यांत तो दिसरात गुरफटून गेल्लो.

आंगान घटमूट आनी तिकतिकीत काळ्या कोराचो बला सतरकार वयल्या दोंगरावयल्या लाकडाच्या भोऱ्यांचें वोजें माथ्यार व्हांवन हाडटालो. उंच दोंगरावयल्यान गांवांतल्या घरांघरांत भोरे घालपांत ह्या भोरेकाराचो जल्म गेल्लो. ताणे हाडून दिल्ल्या भोऱ्यांतल्या बोडयांचेर गांवच्या घराघरांतल्या चुलींत उजो पेट्टालो आनी त्याच कश्टार भोरेकाराच्या मडकेंत कुयांखातीर गोटे शिजताले.

काजुलो गांवकारान बांदलेवयल्या शेताकडे जिवाचे नातें ह्या जल्मान बांदून घेतलेले. सर्द आनी वांयगण रोयता आनी लुंवणी करता करता ताका म्हातारपण येयल्लें. पावस चड पडून न्हंयक हुंवार येवन रोयल्ले शेत व्हांवून वचत हे भिरांतेन तो बावडो जातालो. वांयगणाक उदक मेळना जावन करपून वचत म्हूण ताचो जीव गोळाक लागतालो. शेत ओंपून कांय दीस पावस पडलो ना जाल्यार ताचो आंवरो उडटालो. मात शेतांत पावसाची मोतयां शिंवरना फुडेंच ताचे मन खोसयेन नाचतालें. शेतांत पीक धोलून कश्टाचे मोल जातकूच ताच्या मनांत संतोशाचे गोणे पिकताले. शेत कसोनूच तांतूत पिकलेल्या गोट्याचेरूच तो आपलो संवसार चलयतालो. शेत, बायलभुरगीं, हांच्याच भोंवतणी ताचो जीव घुटमळटालो.

न्हंयकडे गेलां थंय म्हज्या मनांतले विचार ना जालेना. वयल्यान

काळखांतल्या एकांतांत ते अदीक रोमपाक लागले. रातच्या काळखान सगळ्या वाठारांनी मूळ धरलेलें. न्हंयचें पात्र काळखांत व्यापलेलें. पयस न्हंयच्या पात्रांत पिसो तारी आपल्या ल्हान पोनेळांत नुस्ते धरपाक गेल्लो. तो सबंद दिसभर तार ताणटालो आनी लोकांक पलतडचे आलतडी आनी आलतडचे पलतडी व्हरतालो. रातचो नुस्तें धरपाक तडीक सावांयल्लो आपलो उलावण्याचो ल्हान पोनेळ उदकांत लोट्टालो. मागीर न्हंयत गांठीगांठीनी विणलेल्यो काटाळ्यो सोडून नुस्ते फारायतालो. न्हंयच्या प्रवाहांतलो ताचो पोनेळ रातच्या काळखांत दिसनासलो. पूण लाटनाची वात पेट्टाली आनी पोनेळाची जाण जाताली. काळखे न्हंयतल्या पोनेळांतली लाटनाची पेट्टी तांबडी वात न्हंयच्या प्रवाहावांगडा पयस पयस व्हांवत वयताली आनी पिसो तारीय त्या प्रवाहा वांगडा आसतालो.

घराकडे परतपाक लागलों तेन्ना मध्यान रात जाल्ली. वयल्या वाड्यावयलो संगीतकार आपल्या सारीगम पेटयेतल्यान राग आळयतालो. ताचे गावप केन्ना केन्ना फांतोड मेरेन चलतालें. ताचे गीत चालू आसलें, 'वेरेंचो दत्ता म्हज्या सपनांत येताऽऽ सगली रात जीव म्हजो तळमळटाऽऽ...,

हांव घराकडे पावलों. घराचे दार आड केल्लें. न्हिदलेलो भुरगो जागो जावन रडटालो. भुरग्याचें रडप थांबोवन ताका न्हिदोवपाक ताची आवय आपल्या मायेस्त हातान थोपटियताली.

रात देवपाक लागलेली. व्हदळपासूनची म्हजी अस्वस्थताय कुडीतले शेनरेर आड पडलो तरी कमी जांवक नासली. तळमळे अदीकच वाडटाले. न्हिदूय लागनासली. दांडो तेकयत एक पांय जमनीवयल्यान घस्टीयत, वोडीत चलपी आत्माराम आनी ताच्या फाटल्यान अशेच चलपी कितलेशेंच लाख लाख आत्माराम म्हज्या दोळ्यां सामखार नियाळपाक लागले... ते सगळें सादयत आसले... जागेऽऽ मथुरे ऽ आत्माराम पडला गोळाक.

❑❑❑

अशीच एक याद

सांजवेळा घरा परतताना वाटेर म्हजे कॉलेजांतलें क्लासमेट रश्मी भेटले. ताणे हांसतूच म्हाका सांगलें, 'आरे, फुडल्या म्हयन्यांत आल्बा गोंयांत येतलें. कालूच म्हाका तांचे कॅनडासाकून पत्र पावलां. खूब दिसांनी ताणे म्हाका पत्र धाडलें. काजार जावन खूब दिसांनी ताणे म्हजी याद केली म्हणपाची. आमच्या वर्गांतल्या चलयांची ताणे विचारपूस केल्या.' रश्मी थांबलें आनी हांव किदें उलयता कांय म्हूण वाट पळोवपाक लागलें. दर्याच्या थाव न लागपी खोल उदकांत ल्हान गुणो पडचो आनी अपेक्षेप्रमाण उदकार तरंग येवचे बदला उदक आसा तशेच उरचें तसो हांव वोगीच रावलों. कांय भाव व्यक्त न करता हांव ताका पळोवन हांसलों. मागीर रश्मी आपले वाटेन फुडे चलून गेलें. आनी हांव म्हजे वाटेन चलतां चलतां आल्बाविशींच्या यादीच्या चंवरान बावगोन गेलों. त्या चंवराच्या म्होंव्या परमळान म्हजो प्राण घुसमटून वचपाक लागलो. आनी घरा वचपाची दावे कुशीकची वाट सोडून उजवे हाताकडचे पांचव्या दाट माडांमदल्यान वचपी पांयवाटेवयल्यान चलपाक लागलों. मळबाच्या हांवेसाक वेंगावपाक उंच उंच वाडलेलीं म्हज्या वाटेवयलीं झाडां धरतरेक आपल्यो खांदयो तेकोवन मळब वेंगोवपाच्या नीज हांवेसान परत उठपाचो यत्न करतालीं.

कॅनडांत स्थायीक जाल्ल्या एका गोंयच्या इंजनेरावांगडा आल्बाचें काजार जालें अशी खबर गेल्याच दोन वर्सां पयलीं रश्मीनूच म्हाका सांगलेली. त्यावेळा ही खबर आयकताना म्हज्या दोळ्यांत लिकलिकीत उदेल्ले भाव रश्मीक दिसल्याबगर रावूं नासले. पूण त्यावेळा ताणे म्हाकां कांयच प्रस्न विचारूं नासले आनी हांव तेन्ना म्हाका उप्रासलेल्या प्रश्नांनी घुस्पून गेल्लों. आल्बान म्हाका व्होंवळीक कित्याक धाडलीना कांय? पूण हांवूच तिचेर कसो शीण काडटले? बेगीन, गडबडीन जाल्ल्या म्हज्या लग्नाची व्होंवळीक तिका खंय धाडलेली तर? कॉलेजचे शिक्षण जावन मदी तीन वर्सां जावन गेल्लीं. तीन वर्सांचो काळ मनशाचे ल्हान जिणेत तसो कमी न्हय. ह्या काळांत एक दोन फावटी आल्बा भेटलें. तेच फक्त हडकुपा पुरतें. पूण तिच्या काजाराचे होंवळीकेची हांवें अपेक्षा केली तातूंत कांयच अर्थ नासलो तर?

मागीर आल्बाच्या काजारा उपरान्त दोन वर्सांत परत आयज रश्मीन आल्बाची खबर सांगली. ह्या दोन वर्सांमदी म्हाका आल्बाची कितले फावटूच

याद आयल्या जातली. म्हजे बायलेनूय तर तिची याद म्हाका खूब फावटी करून दिल्याय. पूण आल्बा फुडल्या म्हयन्यांत गोंयांत येतलें हे खबरेन म्हाका चड उमेद जाली. आनी तिच्या संबंदीचे यादींचे धव्या साळकांचे गोणचे गोण म्हज्या दोळ्यां सामखार लोमपाक लागले. दाट झाडांच्या पांयवाटेवयल्यान हांव चलून दर्याच्या एकान्त वेळेर गेलों. थंय बसल्या उपरान्त म्हजी तनरी पयस दर्या आनी मळब मेटत्या रेगेत लागली. थंय सावन मोडपी ल्हारां म्हजेलागी वेळेर येवन फुट्टालीं आनी ल्हारांच्या धव्याफुल्ल फेणेराची खिणयाळी फुलां म्हजे सामखार पसरतालीं. आल्बाविशीच्या पयस पयस गेल्ल्या यादीची ल्हारां म्हज्या फुड्यांत येवन म्हज्या काळजा धडेर फुटपाक लागलीं. सांजवेळ जावन गेल्ली. सांजवेळ जाल्या उपरान्त रात दिसांत मेळपाक लागून तीनसांज जाली आनी दीस, दीस उरलो ना. तश्योच तिच्यो यादी म्हज्या जिणेत येवंक लागल्यो आनी हांव हांव उरलोना.

कॉलेजच्या पयल्या वर्गांत आसताना आपल्या तीनचार हिन्दू इश्टीनी वांगडा आपल्या वर्गांत वचपी आल्बा लोबो म्हज्या दोळ्यांसामकार उबी रावता. ती मध्यम उंचायेची आनी उजळ सांवळी. तिचें प्रसन्न आनी प्रासादीक व्यक्तिमत्व हेर चलयांतल्यान वेगळेंच आनी उभारून दिसता. ती ख्रिस्तांव पूण तिच्या वागण्यान आनी मुस्तायकेन आनी रीतीन ती हिन्दू चलयांमदीं वेगळी म्हूण वळखूं येनासली. पूण तिणे केन्ना आपल्या कपलाक तिकली लायल्ली हांवें पळयली ना. तिच्या लांब केसांच्यो दोन विणयो मात चलतना फाटीर आकुळटाल्यो. केन्ना केन्ना तिच्या विणयेत खोयल्ले बटमोगरेचे कळे तिचे मोनेपण अदीक सुचयताले. कॉलेजच्या पयल्या वर्सांच्या दोन तीन म्हयन्यांभितर ती स्कालर म्हूण रोकडीच सिद्ध जावन गेल्ली. प्राध्यापकाक तिणे विचारिल्ल्या प्रस्नानीच तिची हुशारकाय दिसताली. वर्गांतल्या चडश्या विद्यार्थ्यांच्या तोंडार तर आल्बाचें नांव घोळपाक लागलें. पयल्या टर्माच्या परिक्षेत हिन्दी विशयांत तर सगळ्यांत चड गूण तिणे मेळयल्ले. एके ख्रिस्तांव चलयेन हिन्दी विशयांत सगळ्यांत आनी चडांत चड गूण मेळयल्ले हेखातीर प्राध्यापकान तिची तोंड भरून तोखणाय केली. आनी तेन्नाच्यान आल्बाविशीं म्हाका अदीक व्हडवीक दिसपाक लागली.

कॉलेजच्या आमच्या पयल्या वर्गाची परीक्षा लागी पावलेली त्या दिसांनी परीक्षेची तयारी करपाक आमकां सुटी आसली. त्याच दिसांतल्या एका दिसा हांव कॉलेजच्या वाचन घरांत वाचपाक गेलों थंय तेच दीस उजवाडाक आयल्ले कॉलेजचें मॅगझीन म्हाका दिल्ले. कॉलेजच्या मॅगझीनाखातीर हांवें म्हज्यो कोंकणी

कविता दिल्ल्यो. म्हज्यो कविता मॅगझीनान उजवाडाक आयल्या आसतल्यो म्हूण खोशेन आनी थरथरत्या हातान हांव मॅगझीन उगडूंक लागलों. कोंकणी साहित्याचो विभाग उगडलो आनी म्हज्या काळजांत गोड धडधड जावपाक लागली. कोंकणी विभागांत पयल्याच पानार आल्बा लोबोची कथा आसली. ती पळोवन म्हाका अजापाचो अदीक धक्कोच बसलो. आल्बा कोंकणी भाशेत बरयता म्हण अदीक खोस जाली. मॅगझीनाचे फुडले पान उगडून म्हज्यो कविता मॅगझीनान आयल्या कांय ना हें पळोवपाचें सोडून आल्बाची कोंकणी कथा हांवें वाचपाक सुरव.त केली. सहज सोबीत कोंकणी भाशेत बरयल्ली कथा वाचून हांव संतोशभरीत जालों. आल्बा कोंकणीत कथा बरयता आनी तीय बी खूब सोबीत! तिच्याविशीचो आदर अदीक वाडलो. हांवय कोंकणी भाशेत बरयत आसल्यान पयलेच फावट आल्बा म्हाका खूब लागिची दिसपाक लागली. त्या वेळा साकून तिच्याविशी दिसपाक लागिल्लें लागीपण आजूनय तिगून उरलां.

तिची कथा वाचल्याउपरांत ती म्हाका मेळुकूच नासली. ती बद्द वर्सुंकी परिक्षेचो निमाणो पेपर सोंपलो ते सांजवेळा ती भेटली. पेपर बरोवन जाल्या उपरांत आल्बा, तिची इश्टीण रश्मीवांगडा आपल्या घरा वताली. हांव वाटेत चलता चलतानाच ती म्हाका भेटली. काळजांत धांपून दवरलेलो गूट उगतो करचो तशे पयलेच फावट हावें म्हज्या मनांतलें तिका सांगलें, 'मॅगझीनावयली तुजी कथा हांवें वाचली. कथा खूब खूब सोबीत जाल्या. म्हाका आवडली.' आपले कथेवयलो अभिप्राय तिच्याच क्लासींतल्या विद्यार्थ्यांकडसून कळ्ळो म्हूण तिका खूब खोस जाली. ती कांयच उलयली ना. ती प्रसन्न हांसली. तिच्या मनांतली खोशी हांसपांतल्यान जशी व्यक्त जाली तशीच तिच्या काळ्या अस्कडेच्या सोबीत दोळ्यांतल्यान लिकलिकली. ती परमळशी हांसली आनी आपल्या इश्टीणी वांगडा आपल्या पांयांतलीं रूपेरी, नक्शेची पांयजणां वाजयत गेली. तिच्या हांसपांतल्यान अभिव्यक्त जाल्ल्या गोड प्रसन्नतेन हांव प्रभावीत जावन उरलों.

कॉलेजच्या दुसरे वर्सासाकून आमची वळख वाडत गेली. हांवूय कोंकणीतल्यान कविता बरयता म्हूण ती म्हजेर लोभ दवरताली. त्याच वर्सा पावसाच्या दिसांनी कॉलेजांत साहित्यीक कार्यावळ थारायलेली. ह्या कार्यावळीची आयोजनाची जापसालदारी प्रिन्सिपलान म्हजेर घातलेली. हांवें व्हड खोशयेन ही जापसालदारी आपणायली. खरें म्हटल्यार हांवें ही जापसालदारी घेंवची म्हूण आल्बान म्हजें नांव सुचयल्लें आनी हांवें ही जापसालदारी घेतली म्हण आल्बाक तर खऱ्यानीच खोस जाल्ली. हांव कॉलेजांतलो एक सर्वसादारण विद्यार्थी पूण

आल्बाचें सांगणेक लागुनूच हांवें ती जापसालदारी पत्करली. ह्या साहित्यीक कार्यावळीक खूब विद्यार्थी जमले, आनी ती जैतिवंत जाली. हे कार्यावळीत हांवें वाचलेल्यो कविता आल्बाक कश्यो लागल्यो तें मात म्हाका कळ्ळेंना. तिणे एक नवी कथा सांगली. तिणे कथेत आपल्या नायिकेच्यो भावना अचळय सहज उक्तायल्ल्यो. पांखट्यांच्या परीवरी तिच्यो कल्पना कथेत विहार करताल्यो पूण त्या कल्पनांचें पांय घट्ट भुंयेत रिगलेले. तिची कथा सगळ्यांकूच मानवली. ही पयलीच कार्यावळ जैतिवंत जाल्या उपरान्त अश्यो कार्यावळी करपाची म्हज्यांत एक उमेद निर्माण जाली.

कॉलेजाच्या कॉरिडोरांत केन्ना केन्ना ती म्हाका मेळटाली. पूण ती म्हजेकडे केन्ना चड उलयली ना. ती केन्ना फकत मुमुरखें हांसून फुडें वयताली. तेन्ना तिच्या दोळ्यांत उदेल्ले प्रासादीक भाव म्हजे नदरेक रोकडेच भरताले. ती चड करून आपल्या लांब केसांच्यो विणयोच घालताली. हेर ख्रिस्तांव आनी हिन्दू चलयांभाशेन आपले केस, 'बॉबकट' करपाचे तिच्या मतीत येवंक नासले कांय? व्हिस्तीद, सायब्लावज, केन्ना समारंभाक साडी अशे सादेच मुस्तायकेत ती कॉलेजांत येताली. तिचो लांब धवो व्हिस्तीद आनी ताच्यावयली धवी-जांभळी भुंयचांफी आजुनय दोळ्यामुखार नियाळटात.

एक दीस हांव आनी म्हजो इश्ट कॉलेजाच्या कॉरिडोरात रावन खबरी करीत आसले. खबरी करतां करतां आमी साहित्याचेर उलोवपाक लागले. आमी दोगूय बरोच वेळ उलयताले. उलोवपांतूच आमचे लक्ष केंद्रीत जाल्लें. मागीर आमचेलागी फाटल्यान कोण तरी रावन आमची चर्चा आयकता ही जाणीव जावन हांवें फाटल्यान पळयलें. पळयत जाल्यार आल्बा ! आमचे उलोवप आयकत शेजारी रावल्ल्या आल्बाकडे आमी पळोवंक लागले. तशी ती रोकडेच भानार येवन हांसली आनी 'ॲक्सक्यूज आंऽ' अशे म्हणून थंयच्यान चलत उगत्या वर्गांत गेली आनी हांव तर थोडो अजाप जावन वोगीच रावलों.

आल्बा म्हाका सगळ्यापरस वेगळी, विशेश दिसताली. ह्या विशेश दिसपाक हांव ती म्हाका आवडटाली म्हुणू....? ह्या विशेश दिसपांतूय आवडप आसूं येता. तशे जाल्यार हांव स्पश्ट म्हणीन, ती म्हाका खूब आवडटाली. हें आवडप आनीक कित्याय खातीर आसूं येतालें काय? तरनाट्यांक एक तरनाटी चली आवडूंक लागता, तशें कांय? तशेंच जाल्यार तिचें तरनाटेपणाचें रुपच म्हाका आवडूंक जाय आसलें. वा तरनाटेपणातली गोड आनामीक वोड आसूं येताली. तशें जाल्यार वर्गांत तिचेपरस सोबीत आनी जुवान हिन्दू आनी ख्रिस्तांव चलयो कितल्योश्योच

आसल्यो. पूण ही विशेश ख्रिस्तांव चलीच कित्याक म्हाका आवडटाली? ती हेर ख्रिस्तांव चलयांसारखी नासली म्हूण ! काय ती ख्रिस्तांव आसुनय ती तिच्या वर्गांतल्या हिन्दू चलयांसारखी वागताली म्हणून? खरें सांगतलो जाल्यार ती म्हाका वेगळीच दिसताली. वेगळ्याच विशेश व्यक्तित्वाचो रुपकार म्हाका तिच्या ठांय दिसतालो. ती म्हाका आवडपाचें आनीक सगळ्यांत व्हडलें कारण म्हटल्यार ती कोंकणीत आपलें साहित्य बरयताली. आनी तेय बरें बरयताली. तशेच साहित्याविशीच्या चर्चेंत ती म्हजेवांगडा उलयताली. आपले कोंकणी आवय भाशेचो तिका व्हड अभिमान दिसतालो. पूण म्हाका अशी ती तिच्या वेगळ्याच रुपांतल्यान आवडटा तशेच तिका म्हजेविशी किदें दिसतालें कांय?... हांव कांय स्पश्ट नकळों.

कॉलेजच्या तिसऱ्या वर्साच्या सुरवातीकूच म्हाका नोकरी करची पडली आनी सकाळचें दिसाचें कॉलेज हांवें सोडलें. म्हजी आल्बाची भेट जायना जाली. आनी आमचे वेगळेच अर्थभरीत संबंद पैसावले. काळ वयता तितले अदीक अदीक पयस जावंक लागले. तशी म्हज्या मनांतली उमेद कमी जांवक लागली. आल्बाचो संबंद येवन म्हजे जिणेक उमेद येयल्ली. तळपट्या सड्यावयल्या म्हज्या जिणेरुखाच्या दर दोळ्यांक कोंबरी फुटलेली. आनी हांव पांचव्याचार कुचकुचीत पानांनी भरलेलो, खांदयाखांदयाचो रूख जाल्लों. म्हजे हातसून साहित्य रचना जावपाक तिचीच स्फूर्त आसली. मागीर तिच्या म्हज्या भेटीबगर अशीच दोन वर्सां जावन गेली, तशी म्हज्या आंगांतली उमेद ना जाली. म्हजी स्फूर्ती ह्या काळांत म्हज्या आंगातल्यान निस्तून गेल्या अशें म्हाका दिसपाक लागलें. म्हजे तरतरीत संवेदनशील मन अर्दांगवात जाल्ल्यावरी लुळेपागळें आनी पाशाणाचे जाल्लेवरी जाल्लें. खरें म्हळ्यार स्फूर्त देवीच म्हजेपासून पयस पयस गेल्ली. उपरांत म्हाका दिसपाक लागलें, म्हज्या मनाक नवी आंकरी येवपाक म्हजे जिणभर स्फूर्त मेळपाक आनी ती तिगून उरपाक आल्बाचो सांगात ह्या नाजाल्यार त्या नात्यान मेळपाकूच जाय. निदान इश्टीण म्हणून तरी. नाजाल्यार म्हजे जिणेक सुकती लागतली अशी आकांताची भिरांत दिसपाक लागली.

एक दीस म्हाका तिचें पत्र आयलें. पत्र फोडीत जाल्यार तांतून नव्या वर्साची परबी आनी फुडल्या काळाखातीर परबी दिल्ली. हांव करता त्या कामाक सुयश चिंतलेलें. ह्या पत्रान म्हाका दिल्ल्या शुभेच्छानी हांव भुल्लसून गेलों. म्हजे खोशेक कसलोच बांद उरलो ना. हांव चैतन्यमय जावन गेलों. नव्या वर्साच्या परबेर म्हजें बरें मागपी ती म्हजे जिणेची हितचिंतक जावन गेली. तिच्यो ह्यो

सदिच्छा म्हज्या फाटल्यान सदच्योच आसा अशें म्हाका दिसत आसता.

असो बरोच काळ गेलो. तिची मदी मदी याद येता. मदल्या काळांत जिणेतले संदर्भूय बदलून गेल्ले आसता. पूण म्हजें बरें मागपी आल्बाची याद येतकूच सदचीच जीण जगताना म्हज्या करमेल्ल्या मनाक उमेद येता. नव्या आंकरेची स्फूर्त आगांमनांत शिरशिरता आनी म्हजे जिणेक उभारी आयल्ल्याची जाण सारखी जायत रावता. जिणेत आनी किदें जाय?

❑❑❑

आयब

घरा मुखावयलें झाड मारपाकूच पुटये नासलें. मारचें ना मारचें अशें मनांत द्वैत उप्रासतालें आनी झाड मारपाचें लांबणेर पडटालें. जांव झाडावयली हांवळ गेली म्हूण मनांत सू दिसतालें. घरार लकून येयल्लें झाड बेगीन मारून घेच अशें सांगून नात्यातले चडशे जाण्टेले कंटाळलेले. झाड मुळातसून कापून उडोवप जिवार येतालें आनी वर्सानवर्स बेणले तरी तें घर्र करून वाडतच आसलें.

· ह्या वर्सा मे म्हयन्यात झाड मुळांतसून मारचें अशें गेल्या वर्सा थारायल्लें. घरार लकून येयल्लें झाड घरार पडत ही मात्शी भिरांत आसली. झाड मारल्यार ही भिरांत ना जातली आसली आनी झाडाचो जळोव बरोच मेळटलो आसलो.

झाड मारपाक यो म्हूण आदल्या दिसा सतकाराक सांगून दवरलेलें, पूण सकाळी फुडे उठच्या उठून झाड मारपाक सतरकारान येवचे न्हय अशें दिसपाक लागलें हरशी तो केन्ना कामाक सांगल्यार जुस्त तेच दीस येताच असो नासलो. उबो रावला थंय अशे येवजीत आसताना काळ्या तुकतुकीत रुंद बावळ्यांचो सतरकार आपल्या रूंद खांदार व्हडली कुराड घेवन येतना दिश्टी पडलो. ताच्या कुराडीची धार सुर्याच्या वोतांत चकचकली आनी म्हज्या काळजांत चर्र जालें.

सतरकार येवन दाराच्या हुंबऱ्यार बसलो. तो आपले कुराडीचो दाणो घट करपाक लागलो. सतरकार झाडां मारपाचेंच काम करतालो. खामीण दोंगरावयलें रान मारप, कोणायच्या भाटांतलो वा घरार लकून येयल्लो माड मारप, लाकडां फोडप, कोणाच्या घराक केंकल्याच्यो मेडी, लोळगे वांशे तर कोणाच्या पोरसाक खूट हाडून दिवप, तर कोणाक रानांतलो जळोव हाडून दिवप अशें काम करतालो. झाडां मारुनूच तो पोट भरतालो. कुराडीचो दाणो घट करून तो बसलेलो उठलो आनी घरामुखावयल्या झाडाक पळोवंक लागलो. झाडाच्या मुळासाकून वयले तेंगशेमेरेन नदर मारली. एक व्हडलो पांचवेचार लवलवपी पानांचो जितो रूख ताच्यां नदरेत रोमलो. रूख आडसाटो आसलो. तो आनीक कितलीशीच वर्सां जगतलो आसलो आनी मळबभर पातळटलो आसलो. त्या रुखाक पळोवन घेतल्या उपरान्त ताच्या दोळ्यांत वेगळेच भाव दिसले आनी कपलार मिरयो दाटल्यो. मागीर हातांतली धारेची कुराड थंयच्या आड्याक तेकोवन दवरली आनी बरोच वगत तो वोगीच रावलो. तो आतां हें झाड कापीना कांय असो दुबाव

पडलो. पूण झाडां मारुनूच आपलें आनी आपल्या कुटुंबाचे पोट भरपी अचकीत झाडां न मारपाचो निर्णय कसो घेयत? बरें तें झाड चड व्हड न्हय. वो तें ताच्यान कापूंक जावचे ना अशेय न्हय. हे आदी ताणे एकल्यानूच व्हडली रुखां कापल्यात. कांय तो आतां म्हातारो जाल्ल्यान झाड मारपाकबीन कांचवेता कांय? ह्या प्रश्नांक जापो मेळच्या आदीच सतरकारान मोन्यानी वाघ कशी आपली कुराड घेतली आनी न उलयता तो सहज झाडार चडलो. आपल्या मुंजीक खोयल्लों कोयतो काडून ताणे कांय ताळे बेणले. आनी मागीर आपल्या कुराडीन खांदयांचेर तो घाव घालपाक लागलो. एक एक करून पांचवी पानां आनी रंगीत फुलांसकट झाडाच्यो खांदयो कापून सकयल पडपाक लागल्यो. खांदयो जमनीर आदळतांच आळवापरस मोव, पोपटी आनी तांबश्यो कोंमच्यो मोडून मोडून पडत रावल्यो. घरावयल्यो खांदयो ताणे सांबाळून कापल्यो पूण घरावयली एक निमणी ल्हान खांदी चुकून पडवेवयल्या पांख्यार पडली. व्हडलो आवज जालो आनी घराचे गांवठी नळे फुटले आनी पडवेचे माडाचे दोन वांशे करकरून मोडले. चे ऽ! सकाळ धरयां मनांत पाल चुकचुकल्यावरी जातालें तें हेंच घडपाचे आसलें तर!

बेगीबेगीन सतरकार झाडावयल्यान हुमकळ घेवन देवलो आनी ताणे पडवेच्या पांख्यावयलो खांदो काडलो आनी वांशे सारके करपाचो यत्न केलो. नळे फुटून पडवेर सगर्ली कयलां जाल्ली. घरामुखावयले झाड बेणून सामकें बोडकें जाल्लें. शीर कापून धड उरचें तशें झाडाचें काण उबें आसलें. खांदयो कापल्या थंयच्या झाडाच्या भागातसून रगत व्हांवल्यावरी उदक गळटालें. दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवत रावचीं तशें झाडाच्या काणावयल्यान उदकाचे वंयगिळे जाल्ले. घरावयली सांवळी आनी आडोस ना जाल्लो तशेच नळे फुटलेल्यान घरूय उगतें उगतें जाल्लें.

दनपार जाल्ल्यान बोडक्या झाडाच्या मुळांत वोत लागतालें. आनी त्या वोतांत सतरकार आपल्या कुराडीन झाडाच्या मुळार घाय घालतालो. कुराडीच्या दर धपक्यान कापट्यो उसळटाल्यो. धपक्या कणकणी झाड थरथरून हालतालें. झाडाच्या आंगार सामकी मरणाची थरथर! झाडाच्या वयल्या पोंताक दोरी बांदून हांवें ओडून धरलेली. थंय बी ती थरथर, तो कांप दोरयेतल्यान म्हज्या बोटांक जाणवतालो. झाडाक मुळांत चोंयवटेन बरेच कापलेलें. आनी तें केन्ना भुंयेर घालून घेयत ते सांगू नजो आसलें. इतल्यान सतरकार कुशीक सरलो आनी आपले

वटेनची दोरी ओडीनाफुडे मळबाच्या आदाराचो खांबो कसो बोडकें झाड कोसळून पडलें. झाड मोडून शेकानशेक पातळ्ळें. आनी हांव म्हजे आंग मुंयोवन बधीर जाल्ल्यावरी मोन्यानी पळयत उरलो.

झाड मारपी सतरकारान एक व्हड हुस्कार सोडलो. झाडाच्या काणाचे ल्हान ल्हान करवे करपाचे थंयच सोडून तो झाडाच्या मुळाकडे गेलो. मुळांतसून उदक पाझरतालें. जमनीत कापून उरलेल्या झाडाच्या मुळावयली कापटूलां कुशीक काडलीं. तें मूळ निवळ केलें आनी एक बरोसो मुठींत जाता इतल्या आकाराचो शिताच्या मुठल्यायेदो वांटकुळो गुणो हाडून त्या कापलेल्या झाडाच्या मुळार दवरलो. तें पळोवन हांव अजापलों. कापलेल्या झाडाच्या मुळार गुणो दवरता हें हांव पयलेच फावट पळयतालों. कुवाड्यांत पडून हांवें ताका विचारलें 'हें किदें करता? मुळार गुणो किद्याक दवल्लो?' 'आरे हें आयब'... ताणे अर्देच सांगलें. हांव चड कुवाड्यांत पडलो. 'आयब म्हणजे?' कुवाडें सोडोवपाक हांवें परत प्रश्न केलो. ताणे सांगलें, 'रूख मारप आयब. येदो व्हडलो हो रूख मारप आयब... सामकें वायट!' इतलें सांगून तो वोगी रावलो. ताका आनीक विचारपांत फायदो नासलो. ताणे जे किदें सांगलें ताचो थोडोसो अर्थ कळ्ळ्याभाशेन जालें. आनी त्या अर्थाच्या धाग्यांनी हांव घुस्पत अदीक आवखळांतल्या खोल भोवऱ्यांत पडलों. आयब म्हणजे वायट तर! आनी रूख मारप म्हणजे वायट– सामकें आयब! झाडाचो आंवाठ जितलो जमनीर आसता तितलोच आंवाठ जमनीत आसता खंय. म्हणजे वयलें झाड कापल्यार जी जमनीत मुळां विस्तारल्यांत तांका कितले दूख भोगतलें. रूखाक शांती मेळपाक म्हूण मनशाच्या आत्म्याच्या शांतीक दवरता त्या पिंडाभाशेन हो गुणो रूखाच्या मुळार दवरप कांय? कांय झाडाची हत्या केल्या म्हूण मनशाक आयब लागचें न्हय म्हूण गुणो दवरप.

उपरान्त जाण्टे ताईन सांगलेल्या शिटकावणेची अचकीत याद जाली. घरामुखावयलें झाड मारपाचो विशय घरांत येयल्लो तेन्ना तिणे सांगलें, 'पळय तुजी बायल भरलेल्या आंगाची आसा. जडा जिवाची बायल मनीस घरांत आसताना कोणेच कसलें झाड मारचें न्हय. तुमी तें झाड कापूं नाकात. जाणा मरे, विठ्ठल गावड्यान रागात आपल्या घरा भोवतणच्यो सगळ्यो केळी मारल्यो. मोके येयल्ले केळीक लेगीत माल्ली. तेन्ना तिची बायल पांच म्हयन्याची गुरवार आसली. जेन्ना

ती बाळंत जाली तेन्ना तिका मोने चेडूं जालें. तिच्या ह्या शिटकावणेची याद जावन म्हज्या आंगाक हूम येयली. घरांत म्हजी आठ म्हयन्यांची गुरवार बायल आसली. फाटल्या दिसांनी तिणे सांगून लेगीत हांवेंच कानार मनार घेवक नासलें. दुखता पूण सांगपाक येना अशी दशा जावन म्हाका भिरांत दिसपाक लागली. जल्मतल्या माणकुल्या भुरग्याचेर कांय वायट परिणाम जातले कांय? गर्भाशयांत सात म्हयने मेरेन भुरग्याची वाड जाल्ली आसता, तेन्ना तशे कांयच जांवचे ना अशे मनाक थातारपाचो यत्न करूं लागलो. मागीर विठ्ठल गावड्याक मोने चेडूं कशे जालें तर? घरा भोवतणच्यो केळी कापल्यो म्हण कांय? कांय जांवचेले ते जालें? घरा भोवतणच्यो सगल्यो पांचव्योचार केळी मारून घरा भोवतण रखरखीत जावन ल्हान गाबाचेर वायट परिणाम जालो कांय? या प्रश्नासरशी म्हाका रावू नजो जावन हांवें सतरकाराक विचारलें, झाड मारल्यार गुरवार बायलमनशेच्या व्हंटयेतल्या भुरग्याचेर किदें वायटबीन परिणाम जावचो ना मरे? एका शिक्षितान अशिक्षिताक प्रश्नाची जाप विचारची तशेच जालें. तो हांसलो आनी म्हणू लागलो, ‘म्हाका किदें कळटा तितुतलें? पूण तशें कांयच जायना. आमी रानां मारता ते? रानां मारताना आमी पयली मारलेल्या दोनी तीन रुखांच्या मुनांचेर गुणे दवरतात. सगळ्या झाडांच्या मुनांचेर दवरीनात. तशें कांय ना. आनी रानांचे कॉंट्रक्टर आनी सरकार रानांतली लाखांनी झाडां कापतात, तेन्ना तेंका किदें जाता. वयल्यान गिरेस्त जायत आसात. एक वाखार घातल्या उपरान्त दुसरी वाखार घालतात आनी झाडांपेडांचेर हांवळ हाडटात. तांचे किदें वायट जालां?’ ‘हय तुजें खरें पूण ताणी रानां मारलेल्यान पावस उणो पडटा आनी लोकांक उदक सारकें मेळना?’ हांवें ताका म्हज्या मनांतलें उलोवन दाखयलें.

मे म्हयन्यांतलें दनपारचे वोत बरेच खर आसलें. झाडाची शीतळ सांवळी ना जाल्यान वोत अदीक लागतालें. आनी भायर तापलेल्या वाऱ्याचे उल्हाळ घराचे पडवेर बसलां थंय लागताले. झाडाच्या मारून उडयल्ल्या खांदयांची विलुद–मोव पांचवीपानां वोतांत बावून करपून वयतालीं.

दनपार देवन वोत कमी जालें, तशें सतरकार झाडाच्या काणाचे ल्हान करवे करपाक लागलो. दोन दोन हाताचे लांबायेचे करवे केल्या उपरान्त तो ते फोडूं लागलो. लाकूड बरें जिवे आसल्यान कुराडीच्या धपक्यानी बरें फुट्टालें. तें पळयत आसताना म्हज्या भुरगेपणातली याद जाली. आमी भुरगी मेळून रानांत वयताली.

रानात वचून थंयच्या जांबळीच्या झाडार चडून जांबळां खाताली. जांबळांच्यो घुटयो एकामेकांच्या आंगार मारताली. जांबळ्या रंगान तोंड जीब रंगताली, तशेच घुटयांच्या दागांनी आंग चित्रायल्लें जातालें. चानये भाशेन ओंवळीच्या झाडार चडून ओंवळीचे धडे खातालीं. पेरां खावपाक भुरगी कातरान वयताली. थंयचे व्हड पेरीर वानर कशीं सगली भुरगीं चडटालीं आनी बोवाळ घालताली. कातरांत थोटो दादी खोपींत रावतालो. तो एकटोच आनी जाण्टो जाल्लो. दादी भुरग्यांक पेरां खावपाक मेकळीक दितालो आनी मागीर तांचे कडल्यान बाजारांतसून सामान हाडपाचें काम करून घेतालो. तशेच तो भुरग्यांची अपुरबाय करतालो. काय तेंपान पेरीची पेरां खावपाक चड भुरगीं येवपाक लागली. चड बोवाळ जावपाक लागलो तसेच ल्हान कवाथ्यांचे नाल्ल ना जावक लागले म्हूण थोट्या दादीन ती पेरूच कापून उडयली. पेर कापून उडयल्या बरोबर आमकां सगळ्याक दूख भोगलें. पेरीर चडून माकडाभाशेन पेरां खावपाक, उडयो मारीत बोवाळ करपाक मेळटालो तो ना जालो. पेर ना म्हूण आमी कातरांत वचपाचीच बंद जाली आनी दादीचे काम करपाचेय सोडलें. मागीर थोट्या दादीक सामान व्हरपाक कुटत कुटत बाजारांत येवचे पडपाक लागलें. आनी आफयल्यारूय आमी ताच्या लागी वचना जालीं. तशेच भुरग्यांची आपुरबाय करपाची ताची उमळशीक तशीच जिरोवन गेली.

अशीच वाडयेच्या एका म्हाताऱ्याची खबर. वाडयेलागच्या त्या गांवांत ल्हान न्हंय व्हांवताली. त्या न्हंयचेर मातयेचें धरण बांदून त्या उदकाचो उपेग लागच्या गांवांक करपाचो सरकाराची येवजण आसली. जंय न्हंयचे धरण बांदपाचे आसलें, थंय त्या म्हाताऱ्याची जमीन भाटबेस आसलें. गांवांक उदक मेळटले हे खातीर ताणे पयली आपली जमीन धरणाखातीर दिली पूण जेन्ना ताची पुराय रानजमीन, भाट, शेत धरणाच्या उदकांत बुडटलें अशें ताका कळ्ळें तेन्ना ताणे विरोध केलो. पूण त्यावेळा धरण बांदून जाल्लें आनी धरणांत उदक आडायताले. ताणे विरोध करून फुकट गेलो. ताची जमीन त्या जमनितली न मारतां उरलेली झाडांपेडां उदकाखाला बुडलीं. तसो तो पिसो जालो आनी एकदीस ताणे त्या धरणाच्याच उदकांत जीव दिलो. म्हाताऱ्याचे भूत धरणालागच्या काऱ्याच्या झाडाचेर आसा अशी हवाय कोणेतरी उठयली आनी तेन्नाच्यान रातीर आनी अवेळार त्या धरणालागी वचपाक गांवची भुरगी -बायलां भियेवपाक लागलीं.

एका झाडान बायलेच्या रुपान येवन एका शेतकाऱ्याचो संवसार केल्लो ती

जपानी कांय खंयची तरी लोककाणी मुजरत याद जाली. एका राज्यांत एक ल्हान गांव आसलो. त्या गांवांत एक शेतकार रावतालो. ताच्या शेताच्या बांदार बरीच झाडां आसलीं. एक दीस त्या राज्याच्या राजान पेरगांव घातलें, 'राजधानीतल्या देवीचे व्हडलें देवूळ मोदेराक येयलां. ते मोदेराद करपाक दर गांवांतल्या दर शेतकाऱ्यान आपले बरें आनी व्हड झाड देवळाच्या लाकूडकामाक दिवचें.' एक दीस त्या राजाचे सैनिक आनी झाडा कापपी मानाय त्या गांवांत पावले. गांवांत झाडा कापपी येयल्याबराबर शेतकाऱ्याचेर आकांत आयलो; आनी तो विचार करूं लागलो, जर म्हज्या शेताच्या बांदावयलें बरें आनी व्हडलें झाड राजाचे सैनिक कापून व्हरींत जाल्यार म्हज्या बायलेचें किदें? ताका आपली फाटली याद जाली. तो खूब कश्ट करून शेत पिकयतालो. ताका बायल भुरगीं कोण नासलीं. तो सदाच त्या व्हड झाडाच्या पोदां सावळेंत बसून जेवतालो. आनी सांजवेळचो झाडाक तेकून विसव घेताना आपल्याक बायल आनी भुरगीं ना म्हूण दूख करतालो. एक दीस तो दूख करता ते समजून त्या झाडाच्या आत्म्यापासून एक बायल जाली आनी ताचेकडे येवन उलयली. दोगूय मोगांत पडलीं आनी लग्न जालीं. उपरान्त तांका भुरगीं जालीं आनी संवसार बरो चलपाक लागलो. त्या झाडापासून आपल्याक बायल मेळ्ळी म्हूण तो झाडाक दिनवासतालो.

राजाचे सैनिक आनी झाड कापपी मानाय ताच्या शेतांत पावले आनी शेताच्या बांदावयल्या झाडाचे बरे वांशे आनी फळयो मेळटल्यो म्हूण खोशी जाले. मागीर ताणी तें झाड कापपाक सुरवात केली. झाडार कुराडीचे घाय बसता तशी ताची बायल अस्वस्थ जावपाक लागली. आवय बरीना म्हूण भुरगीं रडपाक लागलीं. आनी झाड कापू नाकात म्हूण सैनिकांक सांगपाक शेतकार धांवलो. तो तांच्या हातीपांयां पडलो. पूण ताणी ताचे आयकलेच ना. झाड कापून जमनीर पडलें तशी शेतकाऱ्याची बायल नाच्च जाली. ती नाशी जाली म्हूण तिचीं भुरगीं रडून तिका सोदपाक जळी मळी धांवपाक लागलीं.

ही लोकाकाणी याद जावन म्हाका दिसलें, आमच्या घरा मुखावयलें झाड मारलां तें त्या शेतकाऱ्याचेच झाड आनी त्या झाडाकडे त्या शेतकाऱ्यांभाशेन म्हजो किदें तरी संबंद आसा. तोय नात्यांतल्या मनशांभशेन. म्हाका हांव गुन्यावकारी कसो दिसपाक लागलों. आमोरेचो वेळ जाल्ल्यान सतरकारान झाडाचे करवे फोडपाचे काम थांबयलें. झाडाच्यो खांदयो, कापट्यो जळी मळी पडलेल्यो.

आंगपांग शिरंतरा कापून फुटून गेल्ल्या भाशेन झाड दिसपाक लागलें.

गेल्या पंदरा वर्सा पयलीं हांवेंच हें झाड म्हज्या हातांनी रोयल्लें. हें झाड वाडटकूच ताचेर दिवाळेच्या दिसांनी आकाशदिवो चडोवंक मेळटलो आसलो म्हूण घरामुखार रोप रोयल्लें. पूण येते दिवाळेक आकाशदिवो चडोवपाक झाड मेळचें नासलें. तशेच म्हज्या भुरग्यांक झोपाळो बांदपाक मेळचो नासलो. ह्याच झाडार दर वर्सा बोचुंड्यो घोटेर बांदताल्यो. आता तें झाड उरूं नासलें. म्हजी सदची झाडाची संवकळ्ळूय ना जाल्ली. हांव खंती जावन अस्वस्थ जावपाक लागलों.

ही अस्वस्थताय खूब तेंपसावन आजुनय तिगून आसा. त्या झाडाच्या जाग्यार दुसरें झाड लायल्याबगर म्हजी अस्वस्थताय कमी जांवची नासली म्हूण मिर्गाच्या पयल्या पावसार झाडाचे रोप हाडून रोयलें. त्या झाडान बरें मूळ धरलें. आनी उपरान्त नोकरे खातीर हांव गांवघर सोडून शारांत रावपाक गेलों आनी ह्या झाडाचे काळजीन हांव अदीक अस्वस्थ जावपाक लागलों. झाड जगपाक आनी बरें वाडपाक ताका बरे तरेन उदक सारे मेळूं जाय. रोयल्ले झाड बरे तरेन वाडपाक आनीक बरीच वर्सां आसा, तो मेरेन शिराप कशी ही अस्वस्थताय म्हज्या काळजांत बाळगूची पडटली.

❑❑❑

खूब वर्सांनी गांवांत पावता तेन्ना

गांवचे शिमेर दीस पडटयार हांव बशितल्यान सकयल देंवलों. आनी मदले वाटेतल्यान चलत चलत गांवच्या मदल्या वाड्याकडे वचपाक लागलों. वयल्या वाड्यावयली घरां बरीच पयस पयस आसलीं. एक दोन घरा मोडपाक तेकलेलीं. एक घर तर मोडून गेल्लें. त्या घरांत खूब तेप मेरेन वस्ती नासली जांवये.

मदल्या वाड्यार पावता म्हण्टासर तिनसांजचो काळोख पडपाक लागलो. वाटेवयरसून एका उल्याच्या पयस आसलेले देवूळ काळखांत अदीकूच जिर्ण दिसतालें. देवळाकडलो पोन्नो पिंपळ सळसळ नासलो. पिंपळाची सगळी पानां झडून गेल्लीं. तो ताडां कशीं बोडको जाल्लो. वाटेवयल्यान चलताना मदल्या वाड्यावयल्या तेकून तेकून आसलेल्या घरांतलीं मनशां कोण अनवळखी मनीस कांय म्हूण म्हाका पळोवपाक लागलीं. हांव खूब वर्सांनी गांवांत पयलेच फावट पावतालों म्हूण ताणी म्हाका वळखलो नासूये. म्हजे भुरगेपण तर ह्याच गांवाच्या आंगाखांदार खेळत पैसावल्लें. तरनाटेपणांतली कांय वर्सां ह्याच गांवांत मिरयल्ल्या उपरान्त पयसच्या शारांत गेल्लों. आतां तर म्हजे तकलेवयले बरेच केस धवे जाल्ले. कपलार मिरयांचे जाळें मांडलेले. वाटेत पोंग पडलेली म्हातारी आपल्या कमरार एक हात धरून आनी दुसरो हात दोळ्यार धरून पळयत रावल्ली. तिच्या लागी पावताच म्हाका तिची हयन्हयशी वळख जावपाक लागली. म्हज्या इश्टाची ही आवय ! हांवें तिच्या भुजाक हात लावन तिका 'बा' म्हूण उलो केलो. म्हज्या आवाजान ती म्हाका वळखली आनी ती शिरशिरली. ती म्हणपाक लागली, 'पुता कितल्या वर्सांनी तूं येयलो रे!' 'हय, जानू कसो आसा?' 'बरो आसा. घरा आजून येवना. हांव जानूचीच वाट पळयतालीं.' 'हांव येयला म्हूण सांग'. अशें सांगून हांव फुडें गेलों. पूण म्हाका पळोवन तिच्या दोळ्यांत आयल्ली दुकां पळोवन म्हाका शीट्ट जालें. म्हज्या ल्हानपणांत ही बरीच सोबीत आनी तरनाटी आसली. आतां सामकी म्हातारी जाल्ली.

तिठ्यार पावनाफुडें बरेच लोक दिश्टी पडले. थंयच्या उजवाडांत तांका वळखू येतालें. हांव भुरगो आसताना जे तरनाटे आसले ते आतां जड्डे म्हातारे जाल्ले. आनी म्हज्या वयावयले जे जे वळखीचे दिसताले ते म्हातारपणाची वाट चलताले. ते वेळचो गांवचो तरनाटो मुकादम आतां म्हातारो जावन दाणो तेकयत चलतालो. एका फाटोफाट सामानाचे पुडे बांदपी साजू पसरकार आतां म्हातरपणांत नाभीर हात तेकोवन बसलेलो. ते वेळार आपल्या आंगांतल्या ताकदीन गांवपण

गाजोवपी दोग तीग जाण म्हाजन आतां म्हातारपणाचें ओजें सांबाळीत सोप्यार बसलेले. म्हज्या वळखीचे लोक म्हातारे जाल्ले पळोवन गांवूच म्हातारो जाला अशें दिसपाक लागलें. वाटेर चलतना वळखीच्या लोकांची म्हातारीं मुखामळां म्हज्या मुखार नियाळपाक लागलीं.

हांव येयलां ते कळ्ळें देखून जानू आमच्या तीन वांगड्याक घेवन घराकडे पावलो. एकांमेकांक पळयनाफुडें आमी अजापले. आमच्यांत बरोच बदल जाल्लो. मागीर आमी मनांतल्या मनांत आमच्या तरनाटेपणातल्या रुपाकडे आयच्या बदललेल्या रुपाकडे तुळा करपाक लागले. म्हज्या तिगूय इश्टांचेर म्हातारपणाची सया मारताली. तरनाटेपणातले तांचे दोट्टी आंग आतां खंयच्याखंयच ना जाल्लें. हाची ताची चवकशी आनी खबरी करतां करतां कळून येयलें; आमचे भुरगेपणांतले तरनाटे, म्हातारे जावन खुबशे मरून गेल्ले. कांयजाण आजुनय म्हातारपणाची जीण सारताले. म्हजो एक जिवाचो इश्ट गेल्याच म्हयन्यांत मरून गेल्लो. ही खबर कळनाफुडें म्हाका अजाप आनी दूख जालें.

म्हजे इश्ट आपापल्या घरा गेल्या उपरान्त म्हाका दिसपाक लागलें. भुरगेपणाची सया ना जावन म्हज्या गांवांचेर म्हातारपणाची कळा येयल्या. गांव म्हातारो जाला. तो ह्या म्हातारपणाच्या सांवटांत सोपून वयतलो अशें दिसपाक लागलें. आनी हांव ते राती चड आनी चड अस्वस्थ जायत गेलों.

फातोडेच्या पारार रातच्या काळखाचें तांती फोडीत कोब्याचो साद भायर सरलो. नव्या दिसाचो जल्म जालो आनी सगलीं शेवणी खोशेन गांवक लागलीं. तशे म्हज्या मनावयलें रातच्या मुडाचें चेंपण खंयच्या खंय नाच्च जालें. आंगावयली म्हातारी जड्डी कात सोडल्यावरी म्हजे मन नवें ताल्ल जालें.

गांवांत आयज जात्रा आसल्यान सकाळी फुडेंच देवळांत नबत वाजपाक लागली. गांवचे लोक सकाळी फुडें न्हावन धुवन देवीच्या दर्शनाक वयताले. हांवूय भायर सरलों. गांवांतल्या घरा घरांनी आयज उमेदीचें वारें व्हांवतालें. देवळांत पावनाफुडें हांवें देवळाच्या दारांतली घण्टा वाजयली. शांत उदकार वांटकुळीच ल्हारां उमाळून येवचीं तशें त्या घंटेच्या आवाजान म्हज्या काळजांत ल्हारां उमाळ्ळी. हांवें दोळे धांपले आनी देवीक पायां पडलों. कसलेंच मागणे न मागताच हांवें दोळे उगडले आनी देवीचें मुखामळ पळयलें. म्हज्या भुरगेपणांतली आदलीच देवी म्हाका तोखेताली. काळ्या पाशाणातल्यान कोरांथून काडलेली देवीची सोबीत म्हुर्त जिती जिवी दिसताली. फाटल्या कितल्याश्याच वर्सां पयली आसली तशीच आतांय आसली. तिच्यांत कुस्कूट लेगीत बदल दिसानासले. ती सामकी चीर

यौवनांत आसलेली. तिच्या हातांतलें भाताचें कणस तर गांवच्या पोसवणेचें आनी रुजवणेचें प्रतिक आसलें. हांवें चैतन्यमयी देवीक दोळ्यांत सांठयली आनी हांव भायर सरलो.

देवळाच्या भोवतणी जात्रेखातीर मांड उभारपाक सुरवात जाल्ली. गांवांत नवे नवे सोयरे आयज येतले. आयज रातचें सगळो गांव लोकांनी फुलूवन वयतलो. धोल ताश्यांच्या तालार देवीचो गुडयांनी सयजल्लो रथ तरनाटे आपल्या भुजार धोलयतले आनी खेळयतले. हो उत्सव अशी कितलीशीच वर्सां चालू आसलो आनी फुडेंय कितलींशीच वर्सां चालू उरतलो. नवी नवी तरनाटी पिळगी आपल्या भुजार रथ उमेदीन धोलयतले. हें येवजून म्हज्या मनांत येन्नाधरूच जात्रा उप्पाट भरपाक लागली.

देवळाकुशीकच्या मळार ल्हान भुरग्यांचो आवाज आयलो. पळयल्यार बरेच भुरगे थंय खेळटाले. कोण मीठ–फळयांनी खेळटाले. कोण कोयण्या–बालांनी खेळटाले. भुरग्यांच्या रुपान खेळामळार उत्फुर्त उमेद घोळटाली. आमी ल्हानपणांत हांगा खेळटाले. तेच जागेर आतां नवे पिळगेतले भुरगे खेळटाले. ह्या भुरग्यांत जाणटे जाल्ल्या म्हज्या वांगड्यांचेय भुरगेय आसले. ह्या मळार गांवांतली नवी पिळगी आकार घेताली. हें पळोवन गांव भुरगेपणांतूच आसा, तो म्हातारो जावना ही जाण जाली. नवी पिळगी येवन गांव परत परत भुरगो जातलो आनी नवो जायत रावतलो हें कळून येवन म्हज्या आंगापांगात नवी आंकरी फुटली.

खेळामळ जावन फुडें मड्ड लागतालें. मड्डांत आजुनय नाचणे, हुडीद, कुळीद पिकताले. ह्या धान्यांतल्यान गांवचे नवे पिळगेक पोसवण मेळटाली. मड्डालागूनच व्हडलो दोंगर आपल्या कणेरांनी, काण्णांनी, चुन्नांनी, आंवळ्यांनी पिकतालो. झाडांझिलीनी रसरसतालो. ह्या दोंगरार धोंपरभर उंचायेचे करड पिकतालें आनी तें खावन गांवची गोरवां गांवच्या भुरग्यांखातीर पानेतालीं. हांगाच्या सैमाच्या चक्राक आजुनय खंड पडूं नासलो. सय रुतूंची सया ह्या दोंगरार त्या त्या रूतूंत येताली.

ओडून हाडल्यावरी हांव चलत चलत सकयल्या शेकानशेक पातळलेल्या शेतोडेकडे पावलों. शेतांत वांयगण पसवता थंय आसलें. सगळोच वाठार पांचवे समृद्धतायेन जड जाल्लो. शेताक तेकून लांबची लांब भाटां वाऱ्या झोतार धोलतालीं. माड आपल्या खांदार गांवच्या लोकांखातीर नाल्लांच्या पेणीची वोजीं घेवन उबे आसले. कांय माडांच्या चुडटांचेर ल्हान ल्हान शेवण्यांनी घोटेर केल्ले आनी तीं त्या घोटेरांत तांतयां उबयताली. त्या तांतयांतल्यान माडावयल्या घोटेरांत धोलतां

धोलतां नवी पिलां जल्म घेतालीं आनी मागीर आपले दोनूय पांखटे पयसावन ह्या वाठारांत गायत उडटाली. भुरग्यान दूद पियेतना आपल्या आवयची चींव ओडची तशीं तीं शेवणी त्या शेतांत पिकलेल्या कणसांतल्यान गोटे वेंचतालीं.

शेतांच्या सकयल्या मदल्या भागांत आश्टे, पोयी आसात. ह्या पोयींनी खोल खोल कोंडी आसात. शेतांत जशें भात पिकता तशे आश्ट्यांनी, पोयींनी पोटींग–सुंगटां, कोंगे, काळुंदरां, खरचाण्यो, पोलये, भुयाऱ्यो, पालू–तामोश्यांचे तोरे पिकतात आनी ह्याच आश्टे आनी पोयींच्या उदकाचेर तांबडी धवी साळकां धोलत आसतात. पोयेंतलें उदक मानशेतल्यान न्हंयेक मेळटा. ह्याच न्हंयच्या कांठार आयचो अख्खो गांव वसला. ही आमची न्हंय सगळ्या गांवाक ओलसाण दिता. ह्या न्हंयच्या उदकारूच अख्ख्यो गांव पोसता.

न्हंयच्या कांठार वसलेलो गांव हांव म्हज्या दोळ्यांनी भरून घेतालों. शेतांभाटां, आश्टे–पोयों, आमरायी, मड्डां, दोंगर हांगा किल्लोवन वयर सरपी सगली सृजनताय.... हांगा पसवत आंकूर कसो पिळग्यान पिळग्यो वयर सरपी मनीस.... सगळ्या वाठारांत भरून आसलेलें सृजनत्व आनी हांवूय ताचोच एक भाग.... हें सगळें जाणा जावन साक्षात्कार जाल्ल्यावरी हांव भारावन गेलों.

❑❑❑

आमची हुनुल्ली आळवा वयता...

चवथीची उमेदी रात हुनुरपेच्या दिसांत बदलपाक लागलेली. कोंब्याचो पयलो साद जाता थंयच आसलो. अश्या वेळार झांजीच्या तालार व्हडल्या ताळ्यान गायतल्या भुरग्यांचो आवाज कानांत पडानाफुडें हांव अचळय जागो जालों. उठून हांव पडवेर पावलों. आमच्या वाड्यावयली भुरगीं एकठांय जमून झांज वाजयत गायत आसलीं आनी तांचो आवाज म्हज्या कानांत सादतालो.

'आमची हुनुल्ली आळवा वयता
पळा पळा रे हुनरानो
आमची हुनुल्ली आळवा वयता
पळा पळा रे हुनरानो'

भायर आजुनूय काळोखूच आसलो. सात आठ भुरग्यांचो पंगड गायत वाटेवयल्यान वचपाक लागलो. एका भुरग्याच्या हातांत चणेकार दिवो आसलो. कांय जाणाच्या हातांत ल्हान झांजी आसल्यो. तर कांय जाण आपल्या हातांनी तालान वाजयताले. ते भुरगे गायत दर एका घरांत वचपाक लागले. घरांघरांत आदले दीस गणपती पुजेक लायल्लो. माटोळेच्या सकयल्या मखरांत गणपतीची म्हूर्त सोबताली. गणपतीचें वाहन हुनुल्ली गणपतीच्या शेजराक फुलांनी लिपून गेल्ली. पुण तिचेकडे सगल्यांचें लक्ष आसलेंच. काल हुनुल्लेचें वाडून दवरलेलें पान गणपतीच्या बसके कुशीक धांपून दवरलेलें. तें पान त्या पंगडांतल्या एका व्हडल्या भुरग्यान उखल्लें. त्या पानार नेवऱ्यो, वडे, गोडशें सगलें सगलें आसलें. त्या भुरग्यान तें पान तशेंच भायर हाडून पोरसांतल्या झाडां आनी आळवाकुशीक जमनीर दवरलें. मागीर सगले भुरगे दुसऱ्या घराकडे हुनुल्लेचें पान भायर हाडून दवरपाक गायत वचपाक लागले. गायताना 'पळा पळा रे हुनरानो' च्या जाग्यार मदी मदी 'उठा उठा रे भुरग्यानो' अशेंय म्हणपाक लागले. वाटेत दर घरांतले एक दोन भुरगेय त्या भुरग्यांमदी येवन मेळपाक लागले. तशें म्हजे मनूय त्या भुरग्यांवांगडा चलपाक लागलें... ही कार्यावळ सोपोवन ते भुरगे पलतडच्या दोंगरार वयतले आसले.... भोंवत भोंवत पत्री सोदतले आसले.... आनी हांवूय मागीर म्हज्यो ल्हानपणातल्यो यादी सोदीत उरलों.

मिर्गाचो पयलो पावस न्हंयदर्यातल्यान शेताभाटांतल्यान, दोंगरार शिंवरत पडलो आनी पयल्या शिंवराच्या थेंब्या कणकणी बियां किल्लत रावलीं. बेलभाटांत

आनी पलतडच्या दोंगरावयल्या बियांक कोंब फुटून पानां येयल्याबराबर बेलभाटांत आनी दोंगरार पांचू, माणकां, मोतयां रुजत घातल्यावरी भास जावपाक लागलो. आशाढांत पावस पडत रावलो तशें किल्ललें बेलभाट, पलतडचो दोंगर पत्रेन आनी बारीक बारीक फुलांनी भरलो.

शिरवाणांतलो आयतार हो सवाशिणी बायलांनी पुजपाचो आयतार. आनी तो भुरग्यांचो खोसयेचो दीस. शिरवाण म्हयन्यांत चार आयताराबगर पांच आयतार येयल्यार चड खोशी. पयल्या आयतारा न्हंवरो व्हंकल हळदीच्या खोल्यांची, दुसऱ्या आयतारा पारजताच्या पानांची, तिसऱ्या खावंची पानांची, चवथ्या पिंपळाच्या पानांची, पांचव्या शेरवडाच्या पानांची.

म्हजे यादीतलो असोच एक आयतार... हे दीस सकाळी तामशीकूच आमी चार पांच भुरगीं बेलभाटांत गेलीं. थंय आनीकूय भुरगीं पत्री खुट्टालीं. बेलभाट आनी लागची दोंगुल्ली पांचवेचार पत्रेन आनी वेगवेगळ्या फुलांनी भल्लेली. लाखरयांच्या फुलांची झोपांच झोपां. लाखरयांचे गुलाबी फुलांचे बोंगे झोंपाचेर फुलता थंयच आसले. पारजताचीं फुलां जमनीर मांडल्यावरी शिवरून पडलेलीं आनी तांचो वास परमळटालो. हळदुळी–तांबडीं वाघचपक्याचीं फुलां वाघाचीं दावखूलां कशी उबारून आसलीं. भूंय–चाफ्याच्या रंगाच्यो दिवल्यो जमनीतल्यान वयर येवन आशिकुशीक पळयताल्यो. जमनीर वाडलेली सगली पत्री सकाळच्या थंडशीतळ वाऱ्यार धोलताली. तातुंतली बोटां वाऱ्यार हाल्ल्यान नाचल्यावरी दिसतालीं. ल्हान पावशी माडांच्यो सत्र्यो बारीक दंव कसो पावस झेलताल्यो. हुनराचे कान, सोश्याचे कान आपल्या नांवाभाशेन सोबून दिसताले. तांबड्या धव्या रंगांच्या तणाच्यो बारीक पाती म्हणजे, धरतरीमायेर आतांच कोणेतरी गंद ओपलां अशें दिसतालें. आनी वाठारांत सगलीं फुललेलीं फुलां म्हणजे धरतरी मायेच्या आमाड्यार माळलेलीं फुलांच फुलां. आमी पत्रेन आनी फुलांनी कंडे भरून घेवन व्हड उमेदीन आपापल्या घरा परतलीं. म्हजी आवय न्हावन धुवन कपलाक तांबडे पिंजरेचो मोट्टो कुकूम लावन आयतार पुजपाक बसली. दोण्याभाशेन केल्ली हळदीच्या खोल्यांची 'न्हवरो व्हंकल' पाटार दवरली. तांका काजळ गंदफूल केलें. गंदाचे पांच तिबे पाटालागच्या वयर वण्टीक लायले. मागीर फुलां आनी पत्री पाटार मांडटां मांडटां ती गांवंक लागली.

आयतारचे दिशी
आयतार कर गे काशी
रोहिणी माशी

सूर्य उगवला

एक आयतार करशी
खंय गा बाप्पा दिशी
दिलेल्या गा बाप्पा
पुण्य उजयशी

शिव शिव म्हणोनी
आंवकरीच्या साड्या
कलवतीच्या विड्या
बडकुराची दानां

सिते सावित्रिच्या देवळा
बिबूतीची काती
सोन्याची बुडकूलीं
रुप्याचें धांकणे
तुळशीमाये शिंपणे
मोतियांचे....

तिणे लाखरयांची फुलां, पारजतांची फुलां, शंकराची फुलां पाटार मांडली. मदी पांचवीचार बोटां, नाखटां, कान, सत्र्यो, घोड्याची पावलां, दिवल्यो, हरयाळीच्यो चुडयो, धवशी सय, तांबडें गंद, सगळे सगळे मांडलें. आनी पळयतां पळयतां म्हज्या मनांत पाल्लेलें, फुल्लेंलें बेलभाट आनी बेलभाटां लागची ल्हान दोंगुल्ली त्या पाटार उबी जाली.

गोंयचो सैम भारार आसता तेन्नाच चवथ येता. शेतां, भाटां. कुळागरां, दोंगर ह्याच दिसांनी चडांतचड चंवरलेलीं आनी फुललेलीं आसतात. आनी हें सगलें फळलेलें सैमूच चवथीक गणपतीच्या माटोळेक हुमकळ घेता. कुळागरांतले तांबड्या बेड्यांचे कातरे, केळीचे घड वा घडावलीं, तोरींग, मावळींग, भाटांतली नाल्लांची पेंड, चिकू, पेरां आनी हेर फळफळावळ. पोरसांत–वोट्टांत पिकलेली चिबडां, तवशीं, घोसाळी, दुदी, भेंडे, पडवळी बीन. शेतांतली भाताची नवी कणसां. दोंगर–रानांतली कांगलां, माट्टां, घागऱ्यो, अणये, नागूलकुडो अशी कितलीशीच फळफळावळ पाळण्याच्या किरामोरांवरी माटोळेक हुमकळ मारतात.

.... वाड्यावयल्या भुरग्यांचे ‘आमची हुनुल्ली आळवा वयता’, चालूच

आसलें. हयन्हयसो उजवाड दिसतालो. म्हज्या भुरगेपणात म्हजीय सुंवारी हेर भुरग्यांवांगडा पलतडच्या दोंगरार हरणें आनी हेर पत्री हाडपाक वयताली... हुनुल्लेचें पान पावोवन सगले भुरगे पत्री हाडपाक वचपाक लागले. तामशेर शेतावयल्या मेरे वयल्यान चलत चलत न्हयकडे पावले. न्हयच्या देगेर अर्दा उदकांत आनी अर्दा जमनीर सावांयल्लो पोनेळ आमी उदकांत लोटलो. हातांनी पोनेळ ताणीत ताणीत पलतडी वचपाक लागले. पलतडचो दोंगर धुंवरेन दिसना आसलो. पलतडी लागी पावता पावता तसो तो इल्लो इल्लो उजळ जावपाक लागलो. दोंगरावटेन आमी मळावयल्यान वचपाक लागले. मळांचेर धोपरभर करड वाडलेलें माड्डयत आमी एका फाटल्यान एक चलपाक लागले. मळावयल्या कड्डार दंव पडलेलो आनी सगळें चकचकतालें. आमी चलता तशे माड्डयल्ल्या कड्डांतल्यान एक वांकडी तिकडी वाट दोंगरार पावली... चवथीच्या आदल्या दिसा माटोळेचे सामान हाडपाक ह्या दोंगरार सगळीकडे भोंवत आसले. सोदतां सोदतां व्हडल्यां झिलींचेर कांगलांची वेल सगळ्याक फांकारलेली नदरेक पडली. खोर्नात भाजलेल्या चण्याभाशेन पिकलेल्या कांगलांच्यो बियो भायर दिसताल्यो. दोंगराच्या तेमेयेर पावले तेन्ना माट्टांचे आनी घागऱ्यांचे घोसच्या घोस झाडाचेर सळसळटाले. दोंगराचे देगणेर आसलेल्या झाडांचेर अणयांचे घोस झेलताले. आनी हेच अणयांचे, कांगलांचें, माट्टांचे, घागऱ्यांचे घोस गणपतीच्या माटोळेक लोंबताले... ... सोदतां सोदतां धाकटुल्याच नक्शेच्या पांचव्या पानांचे आनी धाकटुल्याच हळदुळ्या फुलांचें हरणें दिश्टी पडलें. थंय जमनीर, आनी काळ्या खडपार लेगीत हरणें सगळ्याक वाडलेलें, जशें कांय पांचव्या माणकांमदी हळदुळसार मोतयांच शिंपडलेली... परतून घरा येतना आमच्या धाकटुल्या पाटुल्यांनी पांचू, माणकां, मोतयांवरी हरणें, चिड्डो, बेल, शेरवडाची पानां, हरयाळी आनी तरेतरेचो पत्री भरलेली....

म्हज्या यादींचो पावस शिडशिड्डून गेलो. आनी हांव यादींच्या तनरेतल्यान जागो जालों. बरें झिळमिळलेलें. भुरग्याचो आवाज येनासलो. सगले भुरगे पत्री हाडपाक पलतडी वचपाक गेल्ले. ते पोनेळांत बसल्या थंय आसतले. हांवूय घराभायर सरलों. ह्याच दिसांनी म्हाका फातोडेर जाग येताली आनी तेन्ना दोंगरार भोवपाक पत्री खुटपाक वचचें अशें दिसतालें. हांव चलत चलत न्हंयच्या कांठार पावलों. मळब सादारण उजवाडलेलें. बारीक बारीक दंव शिडशिडतालो. भुरगे पोनेळ ताणीत ताणीत न्हयच्या उदकांत पावले. ते नेटान ताणताले. आनी हयन्हयश्या धुंवरेतल्यान पलतडचो पांचवोचार रानाचो दोंगर तांका उलो मारतालो.

❑❑❑

जिती जिवी नक्शी

ल्हारांल्हारांच्या नक्शेचे, काळशे काफये कोराचे दोनूच खुबे मेजावयल्या पांचव्या तेऱ्याच्या धाकटुल्या खोल्याचेर दवरलेले. सांजवेळच्या उजवाडांत त्या नक्शेच्या खुब्यांक मोराच्या निळसर रंगाची सया मारताली. असले सोबीत आकाराचे खुबें हांव पयलेच फावट पळयतालों. बाजारांतल्यान हाडलेल्या तिसऱ्यांमदीं हे दोनूच वेगळे खुबे दिसले म्हूण वेंचून काडून मेजार कुशीक दवरलेले. ते मेजावयली सोबीत वस्त जाल्ले. म्हाका पयलीसाकून शिपयांच्यो, मातयेच्यो, पांखांच्यो वेगवेगळ्यो वस्ती करपाचो घोस्त. वेळेवयल्यो घुलो वेचून हाडून तांच्यो वेगवेगळ्यो वस्ती, शेवणी करूं येताली, आनी ह्या शेवण्यांक ह्या खुब्यांच्या नक्शेच्यो शिंपयो पांखटे म्हूण लावंक येताले.

बरोच वगत ते खुबे गुण्याभशेन दवरल्या थंय आसले. उपरांत एकल्यान तोंड उगडलें. मागीर दुसऱ्यानय तशेंच तोंड उगडलें आनी कारंजे कशी उदकाची शिळकी तोंडांतल्यान भायर उडयली. मागीर दोगूय आपलीं तोंडां धांपू लागले आनी उगडूं लागले, जशें कांय ते आपली काणी सांगतात. हे खुबे दर्यांतले कांय? मांडवी न्हंयतल्या जुंव्यांच्या वाठारांतले? म्हज्या मतान मांडवी न्हंय जंय दर्याक मेळटा त्या मुखाकडले आसपाक जाय, कारण असले खुबे मांडवीच्या वयल्या भागांत मेळनासले. मांडवी– न्हंयच्या मुखाच्या आनी मुखावयल्या भागांत शिनाण्यो त्यावयर तिसऱ्यो, त्यावयर धवे लाळये खुबे, त्यावयर आमच्या गांवासाकून वयर भरतेचे उदक लागता थंय मेरेन काळे खुबे पसवताले.

बऱ्याच फाटल्या वर्सांपयलीचो देखाव म्हज्या दोळ्यांमुखार नियाळपाक लागलो. तयचो चंद्रीम कशी आकाराची मांडवी न्हंय आमच्या गांवाकडल्यान व्हांवता. तिका जोरगतीची सुकती लागल्या. उदक खळखळून व्हांवून गेलां आनी न्हंयची भाट सामकी उगती पडल्या. भाटीवयल्या पावलभर रेंवेतल्यान चलत वचून गांवच्या सगळ्या वाड्यावयलीं बायलां, भुरगीं, दादले न्हंयच्या उदकांत देंवल्यात. गांवची जात्रा कशी गर्दी न्हंयत जाल्या. कोण धोंपरभर उदकांत बुडटा तर कोण कमरभर उदकांत बुडटा. तरनाटे आनी दादले गळोभर उदकांत पांय वयरशे करून बुडी मारतात. उदकाच्या खरायेक तेकतकूच रेंवेंतलें धन तांचे हात सांसपिता. जेन्ना ताचे हात उदकावयर येतात तेन्ना तांच्या हातांच्या पोशांतले रेंवेंत काळे खुबे पळोवन ते मोतयां गावल्यावरी धादोसतात. न्हंय जात्रा कशी फुल्ल्या.

कांय जाण न्हंयच्या मदल्या प्रवाहांत पोनेळाचेर धोलत धोलत खोम्यांनी खुबे काडटात. न्हंयत बारीक चिचारे कशे तशेच हाताच्या धांपलेल्या मुठीत जायना येदे खुबे मेळटात. त्या मोठ्या काळ्या खुब्यांच्या कुल्यांचेर धवेच तिबे आसात. खुब्यांनी कोणाच्यो पोतयो, कोणाचे पाटले तर कोणाचे पोनेळ भरल्यात...

गांवचे सगळेच लोक ह्या खुब्यांचेर पोसताले. बरेच लोक हे खुबे विकून दिसवडो सोडयताले. जशीं ह्या गांवांतली शेतां पोसवतालीं तशीच ह्या गांवची न्हंय पोसवताली. 'हाडले शंबर भायर उडयले दोनशें' ह्या हुमाण्यातली समृद्धताय गांवची जाल्ली. या खुब्यांखातीर गांव बरोच फामाद जाल्लो. सोयरे धायरे जेन्ना सणापरबांक वा शिगम्याक येताले तेन्ना खुब्यांचे धबधबीत, दांगल बीन खावन संतोशताले.

पूण ही स्थिती आयज ना हें जाणा जातकूच एक धक्को बसल्याबगर रावना. बरीच वर्सां जाली न्हंयेत एकूय खुबो मेळना. जाल्यारूय मरून वयता. सामकें अरिश्ट आयल्यावरी जालां. सादेभोळे गांवकार म्हणू शकताले, गांवच्या देवीचो कोप जाला, गांवचे देवस्पण चुकलां, राखणदाराक कोंबो-नाल्ल दिवपाक जाय. पूण तेय वोगी रावल्यात. कोणाक कसलेंच पडूना अशें सगले वागतात.

गांवच्या बाजारांत पाटले भरून, पोटल्यो भरून खुबे विकपाक गेताले. पडिनी खुबे विकतना खुब्यांचो खळखळ आवाज जातालो आनी गांवचे लोक चार पैशे आपले किरवंटीक खोयताले. पूण आतां भायरसून येतल्या लाळया खुब्यांची नाजाल्यार हळदुळ्या तिसऱ्यांची वाट पळयत लोक तिश्टतात.

न्हंय मात वसाड पडत चल्ल्या. तिच्या सगळ्या पात्रांत पावलभर, धोंपरभर रेबो कसो चिखोल जाला. मिनाचे पावडरीचो असत्व चिखोल विखार कसो न्हंयभर पातळला. आनी हेखातीर न्हंयच्या पात्रांत खुबे किल्लना, वाडना आनी जगयना. न्हंयचें व्हंटयेक कन्सर जाला. पलतडच्या दोंगरावयल्या मिनरल वॉशिंग प्लँटांतलो मिनाचो चिखोल न्हंयच्या उदकांत सोडीत आसल्यान तो चिखोल वाडत रावला. मात् वर्साच्या वर्साक खुब्यांचो गाब न्हंयत धरचना.

म्हजी कूड ह्या खुब्यांचेर पोसल्या म्हूण जायत, हांवें ह्या खुब्यांखातीर गळोभर उदकांत बुडी मारल्या म्हूण जायत, खुबे काडटना नाकातोंडात उदक गेल्ल्यान घुस्पटून वयर सरलां म्हूण जायत. म्हजे ह्या खुब्याकडे बरेंच लागिचें नातें आसा.... एकेवटेन हांवें न्हंयतले काडून पाटलेत दवरलेले जिते जिवे खुबे आनी दुसरे वटेन न्हंयचे वशाड पात्र म्हज्या दोळ्यामुखार नियाळटात...

म्हज्या मेजावयले नक्शेचे खुबे आतां म्हजेखातीर मेजावयल्यो सोबीत

वस्ती उरूं नासल्यो; ते जितेजिवे जाल्ले. तांच्यो सोबीत वस्ती करपाखातीर म्हाका मात्तूय पुटयेनासलें. पाखां जाय म्हूण मोर मारतलो? ते नक्शेचे खुबे म्हणजे हालती धोलती दोन पांखटयांची जिती जिवी नक्शी जाल्ली.

आनीक याद जाली. आमच्या घरामुखावयलो मळबांत अयसपयस पैसावल्लो वडाचो रूख तांबड्या फळांनी ताळयेन ताळी पिकतकूच सगलीं शेवणी ताचेर घोटेर करतालीं. कोगळी, कीर, किरांट्यो, फातरफोड, बोचुंड्यो, सारोळ्यो अशी कितलीशीच शेवणी चोम्यांनी जमतालीं. दाराआडसून लजत पळोवपी व्हंकलेभाशेन कोगळी वडाच्या पाना आडसावन पळयताल्यो आनी मदीच गोड कोकेताल्यो. आनी अश्याच एका वखतार दोन कासादोर आपलीं मुनिसांवाचीं तुबकां घेवन वडामुळांत आयले. तांणी आपलीं मुनिसांवाची तुबकां साणोन साणोन भरलीं आनी ते एकार एक वडावयल्या मोन्या कोगळांचेर फार मारपाक लागले. फार लागून वडावयल्यो कोगळी फडफडत पडपाक लागल्यो. फाराच्या आवाजान शेवण्यांचेर आकांत येयलो. ती सटासट उडून वचपाक लागलीं. कावळ्यांनी तर चड बोबाळ घातलो. काळ्या, शिबऱ्या कोराच्यो धा-बारा कोगळी मरून पडल्यो. मागीर त्यो एकठांय करून ते घेवन गेले. पूण दोन तीन दीस कीर, कोगळी सारके आनी हेर शिट्टूक शेवणी वडार आयलीं नात. हो म्हज्या ल्हानपणातलो प्रसंग. ह्या प्रसंगा उपरान्त हांवें म्हज्या हातांतली केकल्याची बुर्रास शेवण्यांचेर केन्ना जोखली ना.

रुमडाच्या खाकोळांत चानयेन दोन पेटे काडलेले. म्हज्या इश्टाचे लगाडीक पडून हांव रूमडार वयर चडलों आनी व्हडली चानी ना अशें पळोवन खाकोळांत हात घालून चानयेचो एक पेटो काडलो. खाकोळ बरेंच खोल आसल्यान दुसरो पेटो हाताक गावलोना. एक पेटो हाडून पांदऱ्यांत दवरलो. दोन तीन दीस तो पांदऱ्यांत रावलो. बोल्सांत दवरतकूच भायर येवन आंगा खांदार भोवपाक लागलो. पूण चवथे दीस तो कांयच खायना पियेना जालो. पांदऱ्यांत वोगीच पडून रावपाक लागलो. पांचवे दीस सकाळी फुडें पळय जाल्यार तो मेल्लो. ताका पोसल्यापरस म्हाका पश्चाताप जालो. ते पयली पोसलेली सारोळी मांजरान खाल्ल्यान अशीच मरणासुवादीन जाल्ली. उपरांत हांवें शेंवणीबीन पोसपाचें सोडून दिलें.

रूमडावयलो दुसरो चानये पेटो रुमडाचेर सरसरत भोवपाक लागलो. च्यांव च्यांव करून काळ्यापट्ट्यांचो शेपटे गोणो वयर करून धोलयतालो. मदीच एके खांदयेवयल्यान लांबचे दुसरे खांदयेर उडयो मारतालो. उडी मारताना तो सकयल पडत म्हूण भिरांत भोगताली. पणसावयल्यो सारोळ्यो शेताचेर उडत भोंवर

मारताल्यो आनी शेतांतल्यान होंडक्यांनी देवून पांखटे फडफडायत न्हाताल्यो. शेवण्याक सदांच पळयता पळयताना तांची वळख उरताली. खंयचे शेवणे वाडून व्हडलें जालें, खंयच्या शेवण्यानी पिलां काडल्यात, खंयची नवी शेवणी वडाचेर येयल्यांत तेय कळटालें. सांजवेळा सगलीं शेवणी परत वडाचेर बोवाळ घालतालीं. फळांचे घोस ताळयांताळयांचेर हुमकळल्यावरी शेवणी ताळयांताळयांचेर उडत रावतालीं.

फाटल्या दिसांनी हांवें बाजारांतल्यान एक मातयेचो मोर हाडलो. ताचे पांय आनी मान स्प्रिंगाची केल्ली. मदलें धड, तकली, चोंच बीन मातयेची आसली. फाटल्यान खऱ्या मोराची सोबीत तीन पाखां लायल्ली. स्प्रिंगाची मान आसल्यान मोराची तकली वाऱ्यान लेगीत हालताली. मोर सोबीत दिसतालो पूण ताच्यांत जिवसाण नासली. तो आपल्या पांखांचो पिसारो फुलोवन आनी तकलेवयलो तुरो हालोवन नाचपाक शकनासलो. चोंच उगडून केकारव करूं शकनासलो. तेभायर आपल्या आंगार नवी नवी सोबीत पाखां वाडोवंक शकनासलो. ताचे कडसून सृजन जावंक शकनासलें जें खिणाखिणाक वाडटा, बदलता आनी जगता. आनी अशीच जीण सगळ्यापरस सुंदर आसता.

ज्या वेळार सगलेंच सुंदर सोबीत दिसता. असो तिनकातरेचो वेळ जाल्लो. म्हज्या मेजावयले सोबीत खुबे आपली तोंडां उगडून आपल्या मांसाची मोती कशी जीव भायर काडून म्हाका लेडायताले. फाटल्या दिसांनी लाळये खुबे कल्लयतां कल्लयतां एका खुब्यांत अचकीत मोती गावल्लो. ह्या नक्शेच्या खुब्यांचे भितरलें आंग मोतयां भाशेन तेजवंत आसलें. एकान्नचें ह्याय खुब्यांनी मोती गावपाक शकताले. हांवें तांका बोट लायलें तशें ताणी आपल्यो जिबो भितर वोडून घेवन तोंडां धापलीं. आडसाटी भुरगीं आपल्या आवयची याद जातकीच खंती जातात. तशे ते खंती जाल्ल्यावरी वोगीच रावले. तांका आपल्या न्हंयतल्या जाग्याची याद जाल्या जांवये, जंय ते पेयतात, उडयो मारतात, रेंवेंत मुंगरतात. हांवें अचळय ते दोनूय खुबे म्हज्या पोशांत घेतले आनी न्हंयची वाट चलपाक लागलों. न्हंयच्या मुखाकडली वाट, जंय लागीच दर्या आसलो, जंय कसलोच विखाळ नासलो.

बेगिबेगीन चलत न्हंयकडे पावलों. न्हंयच्या उदकाक वोसाडींचो उमाळो येतालो. दीस धारेर केन्नाच गेल्लो. वयर फकत वाटकुळें गर्भाशय कशें निळशें मळब आनी सकयल व्हांवती न्हंय. हांव न्हंयच्या उदकांत देंवलों. पावलभर उदकांतल्यान धोंपरभर उदकामेरेन चलत गेलों आनी म्हज्या पोशांतलें नक्शेचे खुबे हांवें न्हंयत सोडले. मनांत म्हणलें 'हे खुबे हांगा रुजूंदी आनी वाडूंदी,

आपल्या सोबीत नक्शेच्या आंगापांगांनी सगल्यांक पसवूंदी.’ धोपरभर उदकांत हांव बरोच वगत आसलों. तेन्ना म्हज्या काळजाच्या पोरसांत जिती जिवी नक्शी रुजताली. मागीर ह्या गोड अणभवाच्या तनरेंत हांव घरा परतपाक लागलों.

❑❑❑

देवचाराची चूड

विज्ञान, तंत्रज्ञानाचेर उभारलेल्या आनी वाडलेल्या मुंबय शारांत थोडे दीस रावन, हांव परत गोंयांत गांवघरा परततालों. बसीत बसलेकडें परत मुंबयचें फाटखुरें दर्शन घडटालें. व्हडल्यो व्हडल्यो इमारती, कारखाने, सवकास फाटी पडपाक लागले. तरी पनवेल आनी फुडें लेगीत मदी मदी कारखाने दिश्टी पडटाले.

तिनसांज जावन काळोख जालो तसो गाडयेन वेग घेतलो. शार ते गांव असो धांवतो–हुबतो प्रवास सुरू जालो. रातच्या काळखांत गाडयेच्या वेगांत आनी प्रवासाच्या ह्या काळांत आमी मदी हुमकळाक पडल्यावरी दिसपाक लागलें. बसगाडयेक रानां, दोंगर, मळां पार करतां करतां मदीच एक व्हडले अयस पयस मळ लागलें. मळाच्या क्षितिजाचेर तांबडो उजवाड फांकारलेलो आनी फुडें पावतां पावतां त्या मळाचेर एक लांबची लांब चूड पेट्टा ती दिसपाक लागली. माडाच्या चुट्टाची व्हडली पेट्टी चूड कशी ती दिसताली. काळखांत अचकीत ती उज्याची चूड पळोवन कोणाकूय भंय दिसपाक फाव. काळखांतली ही चूड देवचाराची चूड कांय? असो प्रस्न पडटालो. म्हज्या खेडेंगांवच्या खंयच्याय मनशान ही चूड पळयल्ली तर ताच्या आंगार कांटो फुलपाचो. तो म्हणपाचो ''आरे बाबा, ही देवचाराची चूड!''

त्या वाठारांत आदीवासी वा कोणाचीच वस्ती दिसनासली. सगळ्याक काळोख आनी भर मळार ती पेट्टी तांबडी भगभगीत उज्याची चूड. देवचाराचें प्रस्थ ज्या गोंयकारानी आयकलां, तांका ही देवचाराचीच चूड म्हूण दुबाव उरचोना, ती चूड ना थांबता पेटत आसली. 'चूड दाखोवन म्हारू हाडचो' तें प्रमाण ती चूड पळोवन आमच्या गांवांतल्या देवचारांची याद येवपाक लागली.

... वाटेवयल्या वाटसरूंक सुखरूप घरा पावोवपी गांवच्या वाटेवयलो वोंवळीकडचो देवचार बरोच फामाद. वोंवळीच्या झाडाच्या दाट सांवळेत वस्ती करपी म्हूण सगळे ताका वोंवळीकडचो म्हूण पाचारतात. वाटेवयल्यान वयतना जर चड रात जाली तर वाटेवयल्यान वचपी लोक ताका उलो करतात. ''वोंवळीकडच्या पाव!'' म्हातारे लोक ताच्यो काणयो सांगतात. दुसऱ्या गांवांतसून परत गांवांत येतना वाटेक घरां लागनात. रातचो वाटेक सगळो काळोख. तेन्ना लायटी नासल्यो. आनी कसलोच उजवाड आसा नासलो. वाटेर झाडां आनी झिली. वाटेक चोरांचो भंय असो नासलो. पूण जमनिवयल्या जिवाण्यांचो भंय आसतालो. ते परस

लोकांक काळखाचो आनी भुतावळीचो चड भंय. वाटेत चलतना भंयान कडकडूं जातालें. तेन्ना केन्ना केन्ना एक म्हातारो जावंचो. माथ्याक मुंडासो, कमराक धवो वालो, खांदार कांबळ, आनी हातांत दाणो. तो फुडें चलतालो. मागीर गांवांत पावतां पावतां मदी वाटेक आडवाट आसली ते आडवाटेन तो वयतालो आनी काळखांत नाच्च जातलो खंय.

गांवच्या मुखेल वाटेवयल्यान व्हाळाकडल्यान दुसरी आडवाट वयता. वयल्या वाड्यार वचपी हे वाटेक आताच्या सारकी घरा जांव नासली. वाटेर व्हाळ आनी दाट झाडां. तिनसांजचोच वयल्या वाटेवयल्यान वचपाक भंय दिसतालो. पूण आडवाटेच्या सुरवेकूच व्हाळाकुशीक 'थोट्याची' एक ल्हान घुमटी आसली आनी ताचेर लोक कपड्याच्यो तांबड्यो घुडयो लायताले. हो देवचार भुरग्याबाळांक पावता, राखण करता अशी ताची किर्त आसली. तिनसांजचो वा रातच्या वेळार भुरगीं वयल्या वाड्यार वयताना तो भुरग्यांक सांगात करतालो. केन्ना केन्ना भुरग्यांच्या हाताक धरून घरामेरेन पावयतालो अशें जाण्टे सांगतात. ताच्या पायांत लाकडी उबार खडावो, खांदार वालो आसतालो.

कोण म्हण्टा तो वाटेवयल्यान वचपी मनीसूच आसूंक जाय. हो पुण्यात्मो खास भुरग्यांक घरा पावोवपी आपल्या बऱ्या देव आचारान देवात्म्याच्या पदवेक पावलो. लोक ताचेर आजुनय विस्वास दवरतात. सदाच दिवो बी लावन भजतात. पूण केन्ना कोणे ताका कोंबे मारूंक नात.

चडशे देवचार वाटेच्या सुवातानीच आसतात. 'म्हारू' देवचार असोच तीन रस्त्यांच्या मदेकात व्हडलें काजीचें झाड आसा थंय राबितो करता. चडशे देवचार काजरो, पिंपळ, वड असल्या पोन्न्या आनी व्हडल्या झाडांचेर राबितो करतात खंय.

कुड्ड्या आज्याचो भार एका जाण्टेल्या बाप्पाचेर येतालो. कुड्ड्या आज्याचो राखणेचो कौल लोक घेताले. हे गजालीक चाळीस वर्सांवयर जावन गेलीं. घरांत कोण दुयेंत जाले, घरांत किजिलां, झगडीं जालीं तर जाण्टेल्या बाप्पाक आफयताले. जाण्टेलो बाप्पा बरो मायेस्त मनीस. आफयतकूच तो आमोरेचो घरांत येतालो. घरांतलो व्हडलो मनीस ताका येवकार दितालो. बाकार वा सोप्यार बसयतालो. मागीर कुड्याच्या पानाची तंबाखूची विडी ताका भेटयताले. विडी वोडटां वोडटां जाण्टेलो बाप्पा खबरो करतालो. खबरी-गजाली करतां करतां घरांतल्या मनशांच्या मनांतले जाणून घेतालो. कोण बरो ना जाल्यार वखद बीन केलां कांय म्हूण पयली विचारतालो. तांका मार्गदर्शन करतालो. मागीर बऱ्याच

कळावान तिनसांज सोपून रात जातकूच ताचेखातीर मांडून दवरलेल्या पाटार पांय दवरून उकणयां बसतालो. मुखार उदकान भरलेलो तांबयो आसतालो. तांबयाच्या तोंडार दोनूय हात दवरतालो आनी मागीर ताचेर भार येतालो. हूं हूं हूं.... हूं हूं हूं... असो तोंडातल्यान आवज करून तो खुदतालो. खुदताना तो किळांच्यो मारतालो आनी आपली तकली वाटकुळी घुंवडायतालो. हें घाडयाचें खूदप नासले तर कुड्ड्या आज्याचो भार वा देवचाराचो भार ताचेर येतालो. भार येतकूच सुर्वेकूच तो म्हण्टालो, 'बाळक, म्हाका किद्याक आफयला रे? हूं हूं हूं... घरांतलो व्हडलो मनीस ताच्या मुखार गाराणे घातल्यावरी आपलें सगलें सांगतालो. किदें समस्या आसल्यार ताचे फुडे मांडटालो. केन्ना कुड्डो आजो विचारलेल्या प्रस्नाक घडघडीत जापो दितालो. तशेच भाराच्या भरांत उलोवप वा सांगप जातालें. निमाणी कुड्ड्या आज्यान म्हणचें, ''बाळक तूं भियो नाका. ही बिबूत घे आनी आंगार दवर. तुमचें कल्याण जातलें.'' दोनूय मुठी आवळून, हातपांय घट जावन जाण्टेल्या बाप्पाची कूड जमनीर पडटाली. आनी कुड्ड्या आज्याचो भार निवळटालो. मागीर बाप्पाच्यो आंवुळलेल्यो मुठी सोडयताले आनी ताका उदक पिवपाक दिवन सावचीत करताले. उपरान्त बाप्पा विसव घेतालो आनी आपल्या घरा वयतालो. लोक ताचे सांगणे आयकताले. बाप्पा बरोच जाण्टो जालो आनी मेलो. ताच्या उपरान्त आतां कोणाचेरूच भार येयना. कुड्डो आजो मध्यान रातचो हाळयेतल्यान, पायणीतल्यान भोवता तशेच तो वाऱ्यासुत्रापासून गांवाची राखण करता अशे जाण्टे लोक म्हण्टाले. जाण्टेल्यानी मिठ-मिरसांग लावन सांगलेल्यो कुड्ड्या आज्याच्यो काणयो भुरगीं तटास जावन आयकतालीं. तो मध्यान रातीर भोवताना ताच्या मुतारेचो (दाण्याचो) सण सण करून आवाज आयकूंक येतालो खंय. पूण हाली तेपार कोणेच मुतारेचो सण सण असो आवाज आयकूंक नासलो.

भुरग्यांक वयल्या शाळेत वयतना तिस्कानच्या देवचाराचो आवास गावतालो. देवचाराक दवरलेलो नाल बीन भुरगी फोडून खातालीं. गांवकारानी थंय सोपो कशें देवचाराचें पेड बांदलां. थंयसून येतना वतना गांवचे लोक ताका पांया पडतात आनी आपणें किदें हाडलां तांतूतलें ताका दवरतात. विडयो, खुबे अशेय दवरतात. लोक कोंबे, बोकडे मारतात आनी तांची शिरां देवचाराक ओपतात. मागीर कोंबे आनी बोकड्यांची शाकोती करून खातात. दसऱ्या दिसा तर खुबश्या देवचाराकडे कोंबे मारून खेत्र करतात. तिस्कानच्याकडे तर कोब्या वांगडा बोकडांचे खेत्र करतात. तिस्कानचो शेतांची राखण करता अशें मानतात.

शेतकार तर तांच्या शेतांच्या राखणेखातीर उलो मारताले. गांवाचेर वा कोणाचेर कसलेय संकश्ट येवपाचे जाले तर देवचार कुकाऱ्यो घालून लोकांक जागयतालो अशें म्हणतात.

कोंडीनच्या देवचाराक कांय लोक आजुनय सोरो रोट घालतात ते दिश्टी पडटात. 'सोरो रोट घालता तांचे वशीन देवचार वोडटा' अशें म्हणटात. पूण हालीच्या तेपार देवचारांक सोरो रोट घालपाचें खूब कमी जालां. पावसांच्या दिसानी कोंडीतल्या देवचाराक तशेच हेर देवचारांक सोरो रोट घालपाची प्रथा आसली. पावसाच्या पाणयांत वाटेवयली कोंड भरून व्हांवताली. कोंडीचे कुशीक पणसाच्या पानाचो दोणो दवरताले आनी तांतूंत सोरो घालताले. मागीर दोण्याचेर केळीच्या पानाचे कुडके दवरून ताचेर रोट वा रोटयांचे कुडके ना जाल्यार मूग आनी तांदळाचें आटवल दवरताले. निमाणी पायां पडल्या उपरान्त ताटांत उरलेलें रोट वा आटवल थंय जमलेल्या भुरग्यांक वांट्टाले.

वाटेक तिटेक पावपी तशेच पाणयांकडे राखण करपी देवचार आसताले. तांतुतलो खडपा दिव्यावयलो एक अशें मानताले. नुस्ते मारूंक वचपी, पोनेळ, व्हडे चलोवपी खारव्यांक तो पावतालो अशें सांगतात.

बोंडगिणीतलो जागृत देवचार आयज लोकांक जागृत देव जाला. तो तर लोकांक रातचो दनपारचो लेगीत आदार करतालो खंय. आपलें काम सोपोवन घरा वचपी लोकांक, बैलगाडयेकारांक तो पावतालो. वाटेत देव आसा ह्या नाड्यार लोक भंय धरी नासतना येताले वयताले. बोंडगिणीतलो देवचार मुंडासो बांदतालो. वालो न्हेसतालो खांदार कांबळ आनी हातांत दांडो घेवन तो वाटेत उबो रावतालो. तशेच वाटेन वचपी लोकांच्या सांगाताक चलत वयतालो. लोकांच्या उल्याक पावप, आंगवणेक हटकून पावप अशी ताची किर्त जाली. बोंडगिणीचो देवचार फुडे बोडगेश्वर जालो.

गोंयांत गांवांगांवांत वाटेक तिटेक देवचार आसात. दर देवचाराची एक वा चड लोकांकाणयो आसतात. कांय काणयो दर एकल्यान आपले कल्पनेन रंगयल्योय आसतात. देवचारांची वस्ती वडाचेर, पिंपळाचेर, वोंवळीचेर, काजऱ्याचेर अश्या व्हडल्या रुखांचेर आसता. थंय कपड्याच्यो तांबड्यो गुडयो लायतात. देवचाराक कांय लोक आंगवण्योय करतात. कांय जाण आंगवणेक गुडयो लायतात तर कांय जाण मातयेचे घोडे, मातयेची धाकटी आयदणां, खेळणी आंगयतात. आनी मागीर तांच्या पेडार व्हरून दवरतात. कोणूय भावार्थी नाल्ल उखलासून दवरतात. गांवच्या शिमेची राखण करपी, शेताची राखण करपी, वाटे

तिटेक मनशांची राखण करपी, उदकाकडे मनशाची राखण करपी, भुतांच्या चाळ्या पासून सोडोवपी, भुतबादा निवळावपी, आंगवणेक पावपी अशे कितलेशेच देवचार गांवांगांवानी आसतात. तशेच तांचेविशीच्यो लोककाणयोय एके तरेच्यो वा वेगवेगळ्यो आसतात.

भुताच्या चाळ्याक आपल्या फाटी दवरून आपूण फुडे रावता त्यो देवचाराच्यो काणयो, लोकांक, भुरग्यांक देवचारान लिपोवन दवरल्या त्यो काणयो, अश्यो कितल्योशोच कल्पीत काणयो. फाटल्या काळावयले कांय लोक आपणे देवचाराक हयन्हयसो पळयला अशे सांगपी मेळटाले पूण आतां कोण मेळच ना.

आदी युद्धांत 'वीर' जावन मरणाक वेंगावपी वीर लोकांची स्मारकां आसतालीं. तशेच आदल्या मनशांक पावपी, गांवाच्या शिमेची राखण केल्ल्या मनश्यांची, शेताची राखण केल्ल्या मनशांची, देवा भाशेन आचार केल्ल्या मनशांची देवचाराच्या नांवान हीं यादास्तिकां कांय? कांय देवचार ही संकल्पना वा फक्त कल्पना ! देवचार हे संकल्पनेत मात, गोंयचो लोक जियेत आसात. देवाक उलो मारचो तसो आपल्या बऱ्यावायटाक संकट काळाक पावपाक ते देवचाराक उलो मारतात. ते फकत एकटेच अशे उलो मारीनात तर केन्ना केन्ना गांवचो समूहाच्या समूह तांका उलो मारता, होरायता अशे खूब वेळां दिश्टी पडटा. गांवचे वा सार्वजनीक देवस्पण आसता तेन्ना वा शिगम्या पुनवेच्या रातीर गडे पडटकूच गांवच्या देव देवी वांगडा देवचाराकूय उलो मारून गाराणे घालतात–

....
त्या तिस्कानच्यान दया करो.
त्या म्हारवान दया करो
त्या फिर्ग्यावंशान दया करो
त्या कोंडीतल्यान दया करो
त्या खडपादिव्यावयल्यान दया करो
त्या रोवदिऱ्यान दया करो
त्या पाट्यावयल्यान दया करो
त्या राखणदारान दया करो
....
....

लोकमन देवचारांत म्हणचेपरस त्या त्या वाठारांत घुस्पल्लें आसता. दर

वाठाराचो एक एक देवचार आसता. लोकमन देवचार आनी ताच्या वाठारापासून वेगवेगळें काडपाक जायना. तें देवचारांत जितलें घुस्पल्लें आसता तितलेंय तें त्या त्या वाठारांत घुस्पल्लें आसता. देखीक शेताकडे, वाटेकडे, वडाकडे, पाणयाकडे, शिमेकडे संबद दवरून गोंयचे लोक जगतात वा जगताले.

ह्या विज्ञानाच्या काळांत देवचार कितले खरे फट तें कळून आयलां. पूण लोक ह्या संकल्पनेत जगतात आनी जगले तांचे किदें? तांचे जगप फट आसलें?...

साळांतले गड्यांचे जात्रेक खुबशे लोक गर्दी करतात. पुनवेच्या राती गड्यांची जात्रा आसता. गडे खुदतात आनी धांवतात. तशेच दोंगरार देवचाराची चूड पळोवपाक लोक चड गर्दी करतात. लोकांक एके शिमेभितर रावन देवचारची चूड पळोवची पडटा. शीम सोडून फुडें वचपी लोकांक गड्याकडल्यान माराचो 'प्रसाद' मेळटा. देवचाराची चूड पेट्टा पालवता अशी जायना. मळार मेल्ल्या जनावरांच्या हाडांतलो फॉस्फरस आनी हवेतलो ऑक्सीजन हांचे मेळ जावन भग करून उजो पेटचो आनी पालवचो अशेंय जायना. तर दोंगरार मळब मेळटा अशे दिसता अश्या क्षितिजाच्या जाग्यार ती देवचारची चूड पेट्टा. ती सेगीत पेटत रावता आनी मनशान व्हरची तशी फुडें फुडें वयता. जंय झाडां आड येता थंय दिसना. मात मेकळी सुवात आसता थंय ती उज्याची चूड दिसता. हे सगलें पळयतकूच समजता, हो एक पुरातन काळासावन चलत आयल्लो लोकांखेळ. आतां आसा तशी आदल्या काळार मनरिजवणेची सादना वा खेळ नासले. शिशिरान्नी सारकोच होय एक लोकांखेळ वा लोकोत्सव आसता. देवचाराची चूड हो लोकांखेळ हे समजतकूच देवचाराविशीच्यो जापो मेळू येतात....

बसगाडी आपल्या चक्रांचेर धांवत आसली. धा-बारा मिण्टानी ती पेणच्या वाठारांतल्या मळावयल्या भगभगीत पेटपी चुडीकडे पावत आयली. साळांतल्या देवचारची चूड पळयली म्हूण म्हाका पेणच्या वाठारांतली ही चूड देवचाराची चूड कशी दिसली. गाडी लागी पावतां पावतां ती चूड व्हडली व्हडली उंच दिसपाक लागली. ती उज्याची चूड थंयच्या पेट्रोलियम शुद्धीकरणाच्या लांबचे लांब पायपांनी जोडलेली चिमणी आसली. पेट्रोल शुद्ध करताना वेगळायल्ली ज्वालाग्राही गॅस उंच चिमणेतल्यान वयर सोडलेली आनी वयर उजो पेटयल्लो. ती गॅस जळटाली आनी तिचो उजो चूड कशी भगभगून पेट्टालो. तिचो उजवाड सगळो वाठारभर जाल्लो. थंय लागी काळोख म्हूण नासलो. दिसतालो तो प्रखर उजवाड. ही चूड देवचाराची न्हय तर विज्ञानाची मशाल आसा, गवदो आसा अशें दिसपाक लागलें.

फाटली देवचाराची याद येवन आनी ही नवी विज्ञानाची तंत्रज्ञानाची मशाल पळोवन म्हाका दिसपाक लागलें. देवचार संकल्पनेच्या आनी तंत्रविज्ञानाच्या ह्या मदल्या काळांतलो संक्रमण काळांतलो... बदलत्या काळांतलो.... हांव एक गवाय कसो.

विज्ञान तंत्रज्ञान शारांतूच न्हय तर गांवांगांवांत पावलां. लायटीच्या उजवाडांत हालीच्या तेपार भुतांखेतां, देवचार कोणाक दिसना. काळोख ना करपी लायटीचो उजवाड लोकांक वाट दाखयता आनी भंय पयस करता. गांवांतल्या शेतकाऱ्यांनी शेताची राखण करपाचें काम नव्या वखदांचेर आनी तंत्राचेर सोपयलां. मनशांची दुयेसां पयस करपाक नवी नवी वखदां आनी उपचार पद्धती गांवच्या लोकांनी आपणायल्यात. गांवच्या शिमांची राखण करपाचें कारणूच उरूंक ना; तर गांवच्यो शिमामेरो लोक हुपूंक लागल्यात आनी पयस वचपाक लागल्यात. शिक्षणान गांवचो नवो मनीस धीट जावन सज्ञानी जाला आनी तो अंधश्रद्धांक थारो दिना. विज्ञान, तंत्रज्ञान आनी माहिती यूग शारांत तशेच गांवांतूय पावलां आनी तीं मनशाची मानसीक तशेच सभोवतणीची परिस्थिती बदलूंक लागल्यांत.

ती चूड आतां विज्ञानाची ज्योत म्हूण म्हज्या दोळ्यांत भरताली. आमी सगळे तिच्या फुड्यांत पावले. तिच्या प्रखर प्रकाशांत पावले. ती चूड, विज्ञानाची ज्योत कसल्याय काळखांत लेगीत उजवाड दिवपी, वाट दाखोवपी, नवी नदर दिवपी, लायट हावसा भाशेन मार्गदर्शन करपी अशें म्हाका दिसपाक लागलें.

❑❑❑

चल सो ऽ दी

बरीच फाटली गजाल. म्हज्या भुरगेपणांत शेजारचो जाण्टेलो म्हाका चाळयतालो. तो म्हण्टालो ''शेटी शेटी खंय वयता? म्हाड्डोळा?'' हांव हांसून वोगीच रावतालों. आमचे शेटकार खंय म्हाड्डोळचे जात्रेक मोठे उमेदीन वयताले. जात्रेक वयताना तांका विचारीत ''शेटी शेटी खंय वयता?'' तर ते उमेदीन जाप दिताले, ''म्हाड्डोळा.'' दुसरे दीस येतकूच तांका विचारीत, ''शेटी शेटी खंय गेल्लो?'' तर ते सांगताले ''मसणांत!'' जात्रेक वचून गडगड्यार बी सगळे पयशे व्हगडायल्या आसतले.

आमच्या वळवय गांवांत 'सुपायेदो चंद्रीम आनी दोण्यांनी पंचखाद्य' असो वाक्यप्रचार घोळत आसलो. तसोच ''शेटी शेटी खंय वयता? म्हाड्डोळा, शेटी शेटी खंय गेल्लो? मसणांत!'' होय वाक्यप्रचार घोळटालो. पूण शेटकार आनी गांवचे लोक म्हाड्डोळाचे जात्रेक दरवर्सा झेतान वयताले.

आमची कुळदेवी म्हाड्डोळची म्हाळसाय. आमी तिचे कुळावी. ल्हानपणांत हेच देवीचे तळयेकडें जानवळ काडलां. म्हाड्डोळ आनी आमचो गांव सादारण धा किलोमिटराच्या अंतरार. मदल्या वाटेतल्यान आनी कुळागरांतल्यान चलून गेल्यार देड वराची वाट. म्हणजे कुळदेवीच्या गांवासावन लागीच तर. इतली वर्सां जालीं तरी आमचे पूर्वज फकत देड वराचे चलते वाटे इतलेच पयस गेल्ले? आमी थंयचे खऱ्यानीच कुळावी? कांय आनी खंयचे? जिविताची वाट कितलीशीच लांब लांब आसपाक जाय न्हय? अशे प्रस्न म्हाका हाली हाली पडपाक लागल्यात.

एके राती हांव म्हज्या आवयबापाय वांगडा कार्रेरीत बसून म्हाड्डोळा विजयरथाक गेल्लों. मध्यानरातीर परत येतना कार्रेरीर चडूच गर्दी जाल्ली. सांजवेळा चलून विजयरथाक गेल्लेय लोक कार्रेरीतल्यान गांवघरा वचपाक येयल्ले. पुलीस गाडयेक आडावन तालांव दियत म्हूण कँडक्टरान कार्रेरीतल्यान सगल्या दादल्यांक देवपाक लायले. फकत बायलंकूच दवरलीं. म्हाकां देवचें पडत म्हूण हांव आवयच्या कुशीक कुंरगुंटी करून बसलों. म्हजो बाप्पा आनी व्हडलो भाव सकयल देवल्ले. गाडी जात्रेच्या थळासाकून पयस वचून आडवाटेक झाडांच्या आडसाक रावली. थंय सगले दादले येवन कारेरींत बसपाचे आसले. मागीर गाडी भरतकूच सुटली.

म्हजो बाप्पा आनी भाव परत येवन गाडयेत चडूं नासले. गाडयेतल्यान हांव देंवलां आसतलों म्हूण ते म्हाका सोदूं लागले. देवळांत, देवळाच्या भोंवतणी,

खाज्याच्या मांडांकडे, सगळे फेरयेत ताणी म्हाकां सोदलो. गाडी जंय येवन आडवाटेक रावल्ली थंय लेगीत येवन सोदू लागले. निमाणी दिवटी पेटोवन ते म्हाकां आशिकुशीक सोदू लागले. म्हाका उलो मारूं लागले. ''शशी रेऽ शशी रेऽ''मागीर तशेच म्हाकां उलो करीत दिवटी घेवन घराचे वाटेतल्यान येवपाक लागले. तांका आस आसली हांव म्हजे आवयवांगडा घरा गेला आसत.

झिळमिळ्या फांतोडेर ते घरा पावले. आवय जागीच आसली. तिणे दार उगडतकूच ताणी पळयलें... हांव आवयच्या हातरूणार सुस्त न्हिदलां....

हांव ते वेळार शेणूनासलो. पूण हांव शेणलो अशें समजून तांचेर आकांत आयल्लो. आनी ते म्हाकां सोदपाक लागलेले... बरीच वर्सां जावन गेली हे घडणुकेक. तेन्ना म्हाका सोदपीच आतां काळाच्या पड्ड्या आड शेणून गेल्यात.

केन्ना केन्ना मुजरत वेळ काडून हांव गांवघरा वयतां. घराचे दार उगडतकच घर उगतें जांवचें तशें थंय पावतकच फाटल्यो यादी म्हज्या दोळ्यासामखार नियाळटात. कानांनी फाटले आवाज घुमतात. आनी म्हजी मनशां जिवी आसलेल्याचो भास जाता.

अशीच एक याद. म्हजी मावशी आपले तीन वर्साचे चलयेक समजयताली. पूण ती चली रडपाची थांबच नासली. तिची रबराची बावली गाडयेतल्यान येतना शेणलेली. तीच बावली आपल्याक जाय म्हण तिणे हट्ट धरलेलो. निमाणी मावशेन सांगलें ''पळय बाय, वाटेर येतना जंय ती पडल्या न्हू थंय तिचें व्हडलें झाड जातलें. झाडाक खूब बावल्यो लागतल्यो. फुडल्या वर्सा त्यो बावल्यो आमी हाडूं या.'' झाडाक बावल्यो लागतल्यो हें आयकून तिका खरेंच दिसलें. ती रडपाची थांबली. फुडल्या वर्सा खूब बावल्यो गावतल्यो म्हूण तिच्या मुखामळार खोशी झळकूं लागली. ती हांसपाक लागली.

बावलेचें व्हड झाड जातलें आनी ताका बावल्योच बावल्यो लागतल्यो अशें सांगपी मावशीबाय आयज आमचे मदी ना. ती शेणून गेल्या कांय? तिचे झाड जालां कांय? तिचे झाड जाल्यार, ताच्या आंगाखांदयेर चडून बागडूंक गावतलें काय? सपनावरी अशे कल्पीत सृश्टीत ती म्हाका आजून गावल्ल्यावरी दिसता.

चवथीक हांव गांवांत गेल्लों. पयससावन बाजारांत म्हाका वळखी अनवळखीशे दोग जाण दिश्टी पडले. तांचे केस बरेच पिकलेले आनी तोंडार जाण्टेपणाची सया मारताली. हांव तांच्या लागीं गेलों. तर ते म्हजे आदले इश्ट. प्रभा आनी गजा. पस्तीस वर्सां पयलीं ते गांव सोडून मुंबय कामाक गेल्ले. ते

चारपांच वर्सांनी गांवांत येताले पूण म्हाकां मेळूं नासले. एका व्हडल्या कालखंडा उपरान्त आमी मेळटाले. मदी जिविताचो व्हडलो एक भाग आमच्या मदसून तुट्टून गेल्लो. हांव लागी पावतकूच ते म्हाका वळखले. आमी एकामेकांचे हात हातांत घेतले. तांच्या तोंडार भुरगेपणातली खोशी तिकतिकली. त्याच खिणाक आदले जिवीत आमचे मदीं जागलें.

आमी तिगांयनी एकामेकांची वासपूस केली. मुंबयच्यो, हांगा थंयच्यो खबरी मारल्यो. मागीर एका तरनाट्या भुरग्याकडे बोट करून प्रभान म्हटलें. ''हाका तूं वळखता?'' हांव त्या तरनाट्या चल्याक पळयतूच उल्लों. तो दोगां मदलो कोणाचो पूत कांय? हांव वोगीच रावलां तें पळोवन प्रभान म्हटलें, ''हाका तूं वळखना? हो आगुस्तीनाचो चेडो.'' आगुस्तीनाचो चेडो अशें परत म्हणत हांवें ताच्या दोनय भुजाक घट्ट धरलें. ताचो बापूय आगुस्तीन पांच वर्सां पयलीं न्हयेंत बुडून मेल्लो. तो खुबे काडपाक गेल्लो तो परत येयलोचना म्हूण बोबाळ जाल्लो. हांव आनी आगुस्तीन भुरग्यापणांतले जिवाभावाचे इश्ट. पयली ते चवथी मेरेन वांगडाच शिकलेले. वांगडा खेळटाले. न्हयचेर भोवपाक वांगडाच वय़ताले. ताचो चलो ताचेच भाशेन दिसतालो. आंगान लांबरूंद, गालाची हाडां वयर उठून दिसतालीं. पूण दोळ्यांच्यो अस्कड्यो चड काळ्यो. दोळे नवेनवेशे. हांवें ताका वेंग मारली. म्हजो इश्ट आगुस्तीन म्हाका नव्या रुपांत आनी नवेपणान मेळटालो.

हांव म्हजो गांव सोडून दुसऱ्या गांवांत रावपाक गेल्लो तरी म्हजो हो सोद चालूच आसलो. लिपचेल्यानी खेळटना कांजीण एका भुरग्याच्या दोळ्यार हात धरता आनी बाकीची भुरगीं लिपतात. जें व्हडले भुरगें कांजीण जाल्लें आसता तें म्हण्टा,

''आपालिपा साय लिपा
साळचो गोणो जिखून घे
हातीत किदें?
– मुदी
– चल भावाच्या सोदी.''

असो एक खेळ कसो हांव सोदतां...हांव कोणाक सोदता कांय? हांव म्हाकाच सोदता? कांय हांव म्हज्या कुळाक सोदतां? कांय म्हज्या नात्यांतल्या मनशांक, इश्टमित्राक सोदतां? कांय आनीक कोणाक? हांव लागीसावन इतलो पयस पयस वयतां तो किदें सोदपाक? तरी हांव चलत आसा. भूतकाळांतल्यान, वर्तमानकाळांतल्यान सोदीत आसा. म्हाका किदेंतरी मेळत आसा... भेटत आसा.

तें केन्ना आपल्या आंगातल्या मायेची हुनसाण लायता, केन्ना तें जिवूच लायता.

मनशाचें मन आनी शरीर हें एकामेकांत गुंथून आसता. जशें गोगलगायचें घर आनी तांतून जोडलेली मोव मोव गोगलगाय. मनीस हो ते मोव मोव गोगलगायेभशेन आनी भोवतणचो वाठार हें ताचें घर. भोवतणची भूंय वाठार ही ताची आवय. जंय तो शारीरीक आनी मानसीक थाकाय अणभवता.

गेल्या म्हयन्यांत उडपीचो मंजुनाथ पै म्हाका गोंयांत भेटलो. हाचे आदी ताची आनी म्हजी वळख मणिपालाक जाल्ली. ताका पळोवन हांवें विचारलें, ''पैमाम तुमी हांगा खंय?'' ताणे सट् करून जाप दिली. गोंयांत आमगेलो कूळदेव. आमी स-स म्हयन्यांनी म्हाइडोळ-मंगेशी येतात. थंय दोन दीस राबताय आनी परत उडूपी वेताय.'' पैमामाभशेन उडुपी, मंगळूर थावन खूब लोक गोंयांत येतकूच केन्ना हडकून वयता. गोंय तांचो मुळगांव. कुळदेवतेच्या निमतान मुळगांवांकडे नातें दवरपाक गोंयच्या परिसरांत दोन दीस रावन संतोष आनी समाधान भोगच्याक ते हांगा येतात.

कालपयरूच केरळांतल्या त्रिप्पुनिथुराचो सुब्रमण्यम पणजे मेळ्ळो. तुकाराम रिसर्च आनी अवरनेस सेंटराचे आनी कोंकणी स्टडीज मंडळाचे कांय वांगडी ताच्या सांगाताक आसले. ताणी धवी फुल्ल लुंगी न्हेसलेली. तेय म्हाका वळखताले. त्रिप्पुनिथुराक गेल्लो तेन्नाची वळख. म्हाकां भेटून ते हांसले. ते सगळे आपल्याक गोंयचे कुणबी लेखताले. ते काणकोणा वचून आयल्ले. गोंयांत तांचोय कूळदेव. ते बेताळाक भेटपाक दोनी-तीन वर्सांनी गोंयांत येताले. आपलो कुळदेव आनी कुळवाठाराक भेटतकूच... आपल्या पूर्वजांच्या गांवघरा पावतकूच, आपल्या आवयच्या मांडयेर तकली दवरलेल्याचें समाधान तांच्या तोंडार परजळटालें.

गोंयांभायर गेल्ले ख्रिस्तांव तर परत गोंयां येवपाची वाट तेळीत आसतात. आफ्रीकेक आसलेले ख्रिस्तांव भाव तर निमाणे दीस सारपाक आनी मरपाक गोंयांत येतात. गोंयांत मरचें अशी तांची निमाणी इत्सा आसता. आपले मातयेकडे एकरूप जावपाची तांची आसता खर उमळशीक.

फकत गोंयकाराकूच गोंयविशी ओड तर? तशेंच ना. गोंयाभायरसून आयिल्ले खूबशे जाण गोंयकार जावन रावल्यात. म्हजो इश्ट श्रीनिवास गोंयांत येवन रावलो. हांगच्या चलयेकडे लग्न जालो. आनी हांगंचो जावन रावलो. हांगाच्या परिसराचो जालो. मनशाक नातें जोडपाक मनीस जाय आसता, तसोच ताका परिसर- थळावी भूंय जाय आसता. तो मनीस हांगाच्या लोकांकडे आनी थळावे भूंयकडे नातें जोट्टकच तो थळावो जाता. वाठाराकडे आपली जल्माची नाळ

जोट्टकच तो त्या परिसराचो कूळ... कुळावी जाता.

म्हजो एक इश्ट म्हाका सदाच याद करून दितालो, ''जाणा मरे काळ्यापाणयाची ख्यास्त जाल्ले स्वातंत्र्यसैनीक, गुन्यावकारी, खुनी लेगीत अंदमानाचे भुंयेर जगताले.'' अंदमान एक व्हडलो जुंवो. ती एक व्हडली बंदखण. सभोवतणी दर्याचें काळसार खोल खोल उदक. ब्रिटीश काळ्यापाणयाची खास्त दिवन पयस अंदमानाक बोटीतल्यान धाडटाले. थंय गेल्ल्या भारतीयांक थंयच रावचें पडटालें. परतून येवपाक मेळनासलें. ते थंयच रावताले. थंयच्या मूळ लोकांकडे सोयरीक जुळयताले. लग्न करताले. मागीर भुरग्यांबाळासयत थंयच नंदताले.

मनीस खंयचोय...खंयच्याय सुवातीवयलो आसूं, खंयच्याय काळांतलो आसूं. तो मनशाकडे आनी भूंयेकडे नातें दवरून जगता. तांच्या बगर तो जगूंच शकना. हांव आनीक किदें वेगळें करतां तर? हांव हांगा ह्या नव्या गांवांतय तितल्याच उत्कटतायेन हांगाच्या मनशाकडे आनी भूंयेकडे नातें दवरून जियेत आसा. मागीर निमाणी जेन्ना म्हजी जिती कूड पार्थी जातली तेन्ना म्हजे कुडीक परत आंकरी हाडपाक हीच भूंय आपल्या व्हंटयेंत घेवन धोलयतली.

❑❑❑

साय सुऽऽ टली

सकाळी फुडें हांव स्कुटरीवयल्यान शारांत वयतालों. आयज अख्खो दीस थंय काम आसलें. रस्त्याकुशीक जाण्टेल्यांचो खुरीस लागलो. फाटल्या तीन वर्सां पयलीं ताका नवो केल्लो. धव्याच रंगान तो सोबतालो. पयलीं तो पोन्नो खुरीस असोच मोडल्यावरी आडखळींत पडल्यावरी आसलो. मोडक्या खुर्साक कोण चेंपें काडटा? पूण आतां ताचे भाग्य बदललेलें. त्या धव्या खुरसाक मेणवाती पेट्टाल्यो. तो फुलांच्या माळांनी भरतालो. ते भायर लायटीच्या दिव्यांनी ताका सरभोवतणी आरास केल्ली. कुशीक सिमेंटाचे चार बाक बसपाक दवरलेले. लागीच बस स्टॉप आसलेल्यान त्या वाठारांत लोक घोळटाले.

खुरसाकडे पावनाफुडें हांवें स्कुटरीचो वेग कमी केलो. सकाळीफुडें ताका कोणेतरी धुवन निवळ केल्लो. थंय लोकांची वा फुलां विकतल्यांची आजून खेट जावंक नासली. हरशी थंय जाण्टेल्या बायलांची गर्दी आसताच. कोण फुलां विकता तर कोण इजमोल मागता. खुरसाकडे जाण्टेलीं जोमो करून आसताच म्हूण लोक ताका हालीं हालीं जाण्टेल्यांचो खुरीस म्हण्टाले.

अचकीत म्हाका फाटली याद जाली. स म्हयन्यापयलीं ह्या खुरसाच्या फुडें शंबर मिटरांचेर सुमार, म्हजे स्कुटरीक अपघात जाल्लो. त्या उगडासान हांव कांचवेलो.

हांव शारांतल्यान घरा वयतालों. रातची आठ वरांची वेळ आसूंये. रस्त्यार गाडयांची चड येरादारी नासली. रातचो काळोख दाटलेलो. अचकीत रस्त्यार बायलमनीस आडवी धांवन आयली. हांव ब्रेक मारतां थंय आसा, म्हजी स्कुटर तिका लागली. फुडलो टायर तिच्या पांवलार. मागीर ती सकयल पडली.

खुरसाकडे बरेच लोक आसले. ताणी अपघात जालो म्हूण बोवाळ केलो आनी ते आमचे भोंवतणी जमले. ती जाण्टेली बायल त्या लोकांचे वळखीची. भियेवन तिणे आड्डपाक सुरवात केली. तिकां कितें जालां तें काळखांत कळनासलें. रोकडीच स्कुटरीच्या फाटल्या सिटार तिका बसोवपाक हांवें लोकांक सांगलें. तिका ताणी मदीं बसोवन तिच्या फाटल्यान एकट्यान बसून तिका धरली.

मेडिकल हॉस्पिटलांतल्या इमर्जन्सी रुमांत व्हरून तिका एका बाकाचेर बसयली. तिच्या एका पांयाच्या बोटाचे रगत येतालें. धोपराची कात गेल्ली. पांयाच्या हाडाक मार बसला कांय तें कळूं नासलें.

तिचे माथ्याचे केस सुके आनी सामके विस्कटलेले. ती काळी आनी बारीक. दोळे आनी गाल भितर ओडलेले. तिची पिराय साठ वर्सांवयर आसूंये. हांवें तिका सांगलें, ''पळय तुकां आक्सीनेत जाला म्हूण सांगू नाका. तूं पडला म्हूण सांग.'' ती वोगीच रावली, तिका परतून सांगलें, 'पळय आक्सीनेत जाला म्हूण सांगशीत जाल्यार हांव त्रासांत पडटलों'. ते जाण्टेलेक दुखतालें तरी हांव अशें सांगतां तें आयकून ती हांसली.

सिव्हील ड्रेसांतलो एक पुलीस आमचे पाळटेर आसलो. तो फुड्यांत आयलो आनी तो चवकशी करपाक लागलो. ताणे तिका विचारलें तशें तिणे म्हजेकडे पळयलें. परत खोदून विचारलें त्याबरोबर तिणे म्हाकाच विचार म्हूण सांगलें. म्हज्यान फट उलोवपाक जालेंना. हांवें सगळी गजाल सांगली. पुलिसान म्हजें नांव पत्तो आनी स्कुटरीचो नंबर नोंद करून घेतलो, तसो हांवय तातूंत घुस्पून पडलों.

दोतोरानी तिका तपासली आनी तिका वार्डांत ॲडमीट करपाक सांगलें. तिका स्ट्रॅचराचेर न्हिदोवन हांव आनी म्हजे वांगडचो तो मनीस तिका व्हरपाक लागले. तिची चवकशी करपाखातीर हांवें तिचें नांव विचारलें. तिणे आपलें नांव सांगलें लुसियान. ती सावशेची. ती त्या जाण्टेल्यांच्या खुरसालागीच रावताली. दोन वर्सां जाली ती थंयच आसताली आनी अशीच भोवताली.

वार्डांत हाडल्याबरोबर नर्सीन तिका वयरसून सकयल मेरेन बारीक पळोवन घेतली. तिचे जोटयो जाल्ले पिके-धवे केस. ती न्हाल्यार बरेच दीस जाल्ले. कपड्यांचे बारीक बारीक दशे तिच्या किरवंटीक आसले. तिच्या कमराक गुठलायल्ले आनी किरवंटीक खोयल्ले ते दशे नर्सीन सोडले. तांतल्या कांय दश्यांनी आठ आण्यांचीं, चार आण्यांचीं आनी एका रुपयाचीं नाणी एक एक अशीं बांदलेलीं. एक एक रुपयांचीं आनी कांय चिल्लर नाणी सोडून एकय नोट तिचेकडे नासली. धा पैश्याचीं नाणी जी चलनांत नासलीं तीं तिणे साडयेच्या पालवाक बांदलेली. तिचेकडे जी चिल्लर आसली तातूंत पंदरा रुपयाय जांवचे नासले. पूण कमराक खोयल्ले दशे मात रासभर जाल्ले. त्या राशीत कपड्याचो एक ल्हान बोटवो सांपडलो. तो फाफडून पळयत जाल्यार तातूंत ल्हान खुरीस आसलेली मण्यांची माळ आसली.

मागीर नर्सीन कातर हाडून तिचे जोटयो जाल्ले केस कापले तशी ती बोडकी आनी अशक्त दिसपाक लागली.

तिका हॉस्पिटलांतली मुस्तायकी न्हेसयता म्हणसर हांव भायर गेलों

आनी थंयसावन पिवपाक लिमका आनी खावपाक केळी हाडलीं. निवळ आनी धवी मुस्तायकी घालून ती न्हिदलेली. तिच्या पायांक, बोटांक तांबडे तितूर लायल्लें. पांयाक ल्हान बॅडेज गुठलायल्ली. तिका पिवपाक दिलें. ते तिणे घटघट करून पियेलें. एक केळेंय खाल्लें.

रातचो बरोच वगत जाल्लो. हांवें फोन करून घरा अपघाताची खबर कळयल्ली. घरचीं सगळीं काळजीत आसलीं. म्हाकाय घर गांठपाचें आसलें. जाण्टेलेच्या घरच्या मनशांक कळोवपाक जाय आसलें. हांवें तिका तिच्या घरच्या मनशांविशी विचारलें. तशें तें सांगपाक ती उदासीन दिसली. हांवें हट्ट केल्लो तेन्ना तिणे सांगलें.

तिका तीन चेडवां. तिगांय काजार जाल्लीं. व्हडलें आनी धाकटें गांवांतूच दिल्लीं. जाण्टेलेचो घोव मेल्यार बरींच वर्सां जाल्लीं. तिचें धाकटें चेडूं आनी ताचो घोव तिच्याच घरांत रावतालीं. तांच्या तीन भुरग्यांचें आनी तांचेच सारकें पोट भरनासलें, तांतूत ही. तिच्या धाकट्या चेडवाची आनी तिच्या जांवयाची झगडी जाताली. एक दीस जीव दिवपाक म्हूण ती भायर सरली. पूण तिणे जीव दिलोना. गांवची दोन जाण्टी बायलां खुरसाकडे रावता म्हूण तीय खुरसाकडें आयली. थंय येवन इजमोल मागपाक लागली. फुलां विकपाक लागली. हांगा थंय हेडटा म्हूण लोक तिका पिशी म्हणपाक लागले.

घरा वचपाक जाय म्हूण हांव वार्डाभायर येवन इमर्जन्सी रुमाकडें आयलों. व्हदळचो सिव्हील ड्रेसांतलो पुलीस स्कूटर थंयच दवर म्हूण सांगपाक लागलो. रात बरीच जाल्ली, घरा वचपाक स्कूटर सोडून आनीक कांयच नासलें. ताका विनंती केली. स्कूटरीक कांयच जांवना म्हूण सांगलें. फाल्या सकाळीफुडें येता अशें सांगलें. तरी ताणे आयकलेंना निमाणो उपाय म्हूण बोल्सांत उरलेले पन्नास रुपया ताच्या हातार दवरले. ते घेयत ताणे सांगलें, 'हांवें पुलीस स्टेशनार कळयलां. फाल्यां सकाळी तूं पुलीस स्टेशनार यो.'

जाण्टेलेच्या घरच्यांक कळोवपाक जाय आसलें. हांव घरा पावलों तसो सावशेच्या म्हज्या एका इश्टाचो फोन नंबर सोदून काडलो. ताका फोन केलो. ताणे सांगलें, 'हांव तांकां आतां नाजाल्यार फाल्यां कळयतां.' ताका हांवें परत विचारलें 'फाल्या हांव तेवटेनच्यान पुलीस स्टेशनार वयतलों. तेन्ना सकाळी हांवें तांकां सांगल्यार?' 'तूं आनीक सांगू नाका. ते बेश्टेच तुका मारीतबीन. हांगाचे लोक धड न्हय.' हांवें बेजारून शे ऽ म्हणलें' त्याबरोबर ताणे म्हाका खातरी दियत सांगलें, 'तूं काळजी करूं नाका. आतांच हांव तांकां रकाद धाडटां.

तिका हास्पिटलांत दवरला म्हूण सांगतां. ती जाण्टेली लुसियान मरे, तिका हांव वळखतां. ती तांकां जड जाल्ली म्हूण तांणी तिका झगडून भायर घातलेली.'

हें आयकून हांव अदीक चिंतेन पडलों. 'तिची एक तरी धूव तिचे खबरेक आयल्यार पुरो.' हांव देवाकडे मनांतल्यान मागपाक लागलों.

दुसरे दीस सकाळी पुलीस स्टेशनार वचपाक भंयसो दिसपाक लागलो. हांवें शेजारच्या इश्टाक वांगडा घेतलो. पुलीस स्टेशनार गेल्यार कळ्ळें, हवालदारान तिची सगळी खबर काडून हाडलेली. इन्स्पेक्टर ऑफीसांत आसलो. स्कूटर तपासून रिपोर्ट दिवपाक मॅकनीक जाय आसलो. गांवचो मॅकनीक आजून येवंक नासलो. हवालदार म्हाका इन्स्पेक्टाराकडे घेवन गेलो. घडलेलें सगळें सांगलें. हवालदारान म्हणलें, ''ती तकलेन सारकीना. ती गांवार भोंवता, ती पिशी...'' त्याबरोबर खात्री करपाक ताणे विचारलें, 'ती पिशी मरे?' हांव पयलीं वोगी रावलों मागीर सांगलें, 'म्हाका खबर ना.' तिका पिशी सांगून म्हाका म्हज्या गुन्यावांतल्यान सुटपाक पुटयेना जालें. मनांतल्या मनांत म्हणलें, ती गरीब जायत. पिशेपण म्हणू येता अशें कांय तिणे करूं नासलें. तिची दशा तशी. तिची परिस्थिती वांकडी. तिचे गरीब बाबडे दशेक हांव पिशेपणा म्हणूं?'

मॅकनीक येवपाक उशीर आसा म्हूण हांव आनी म्हजो इश्ट बसितल्यान हॉस्पिटलांत आयले. वार्डांत गेल्यार जाण्टेलीं लुसियान खाटीर न्हिदलेली. आतां थंय दुसरी नर्स आसली. हांवें हे नवे नर्सीक विचारलें, 'ती कशी आसा?'

म्हाकां एक गुन्यावकारी कसो लेखून तिणे म्हणलें, 'तुवें तिका आक्सीनेत केल्लो मरे! ती बरीना. तिच्या पांयाक फ्रॅक्चर आसा.''

हांव वोगीच. काल तर दोतारान असलें कांय एक सांगू नासलें. आयजूच फ्रॅक्चर कसो जालो? हांव अपमानीत आनी गुन्यावकारी कसो उबो रावलों. म्हज्या हातांत तिका हाडलेलें आडसर आनी आपोलां आसलीं. ती हांवें मागीर तिच्या खाटीकडे दवरलीं. जाण्टेलेन फुड्यांतल्या दोन काजारी तरनाट्या बायलांकडें बोट करून सांगलें, 'ही म्हुगेली दोगूय चेडवां.' तीं म्हाकां पळोवन हांसलीं. धाकट्या चेडवान सांगलें, 'तुजो रकाद रातीकोडेच मेवलो. ही खबर आमच्या गांवभर जाल्ली. आमी दोगूय जाणा तर व्हदळ हांगा पावल्यांत.'

तिच्यो धुवो आयल्यो देखून म्हाकां सू जालें. म्हाकां हाततुंतल्यान मात तरी आंग भायर काडपाक मेळटलें आसलें.

कांय वेळ थंय गणयल्या उपरान्त म्हज्या शेजारी इश्टान पुलिसेत गाडी हाडपाक वचपाक जाय हाची याद करून दिली. थंय गेल्यार मॅकनीक येवन रिपोर्ट

दिवन गेल्लो. हांव भियेल्लो, कोर्टांतबीन वच्चे पडत म्हूण. हांव इन्स्पेक्टराक भेटलों. रिपोर्ट ताच्या टेबलाचेरूच आसलो. स्कूटर सारकी आसली. इन्स्पेक्टान म्हाका बेश्टोच तापयलो आनी गाडयेचे ब्रेक सारके करून घे म्हूण सांगलें. हांवें ताका सांगलें, 'काळखांत ती मदी रस्त्यार आयली. म्हजो गुन्याव ना. म्हाका हातूंत घुस्पोव नाका. तो हांसलो. मागीर ताणे म्हाका चलन दिलें. ते प्रमाण आठशें रुपया दंड भरपाचो आसलो. त्या वेळार तितले पैशे म्हजेकडे नासले. पैशे भरल्याबगर स्कूटर व्हरपाक मेळनासली. ते दीस हांव तातूंतच घुंवत उरलों.

तिसरे दीस सकाळीं आठशें रुपया भरून आमी स्कूटर सोडयली. मागीर तसेच हॉस्पिटलांत खबरेक गेले तर कळ्ळें तिका सकाळचोच डिस्चार्ज दिला आनी तिका तिच्या दोनूय धुवांनी घरा व्हेल्या. ते आयकून म्हाकाय सुटल्या भाशेन दिसलें. मात म्हजो इश्ट म्हणपाक लागलो, 'लोकलज्जेखातीर तिका ताणी घरा व्हेल्या आसतली.' हांवें म्हणलें, 'कितेंय जांव, तिका घरा व्हेली बरें जालें. ती एके वायट दशेतल्यान सुटली.' मागीर वाटेत चितून येवपाक लागलें. ती त्या दशेतल्यान सुटली कांय ती परत आपल्या भुरग्यांबाळांच्या, नातरांच्या राटावळीत घुस्पली. हांवय मागीर विचारांच्या धाग्यांनी घुस्पत उरलों.

ते घटनेउपरान्त दोन दिसांनी हांव म्हज्या इश्ट पाद्रीकडे फोनावयल्यान उलयलों. खुरसाकडे जाल्ल्या अपघाताविशी आनी ते जाण्टेले बायलेविशी ताका खबर सांगली. फा. इनास म्हाका बरो वळखतालो. ताणे म्हाका पयलीं परबी दिली, आनी त्या अपघाततल्यान ती जाण्टेली बायल बऱ्याक पावली मरे अशें म्हणपाक लागलो. हांवें जाप दिली 'जायत' आनी फुडें सांगलें, 'त्या खुरसाकडे आनीक जाण्ट्यो बायलो आसतात. फुलां विकून तांचे पोट अर्दे लेगीत भरना. कांय जाणा भीक मागतात.''

''तशे जाल्यार ही बरी गजाल न्हूय. तांचे खातीर कितें तरी करूंक जाय.'' हांवें म्हणले, ''हय फादर, कितें तरी तांचेखातीर करपाक जाय.'' मागीर थंयच्या जाण्टेल्या बायल्यांचो जोमो म्हज्या दोळ्या मुखार येवपाक लागलो.

आयज सकाळी ते दनपार मेरेन शारांतल्या ऑफिसांत काम करताना फाटली ती याद म्हाका परत परत येत आसली. इतल्यान फोन . तो उलयतालो, ''हांव फादर इनास. आयज तिनसांजेर, जाण्टेलांच्या खुरसाकडे... त्या नवो केल्ल्या खुरसाकडे लादायीन आसा. तूं येता जाल्यार थंय यो. तुकां थंय भीक मागपी जाण्टेलीं दिसचीनात. आतां ती कोणूच भीक मागिनात.''

''आं ऽ फादर तुवें कितें जादू केलो तर?''

''जादू बिदू कांय करूंना. फाटले पांच म्हयने हांव ह्या तुमच्या वाठारांत काम करतां. त्या जाण्ट्या बायलांक हांवें सरकारचें पेन्शन मेळोवन दिलां. म्हयन्याक साडेसातशें रुपया. तातूंत सावशेच्यो त्यो इजमोल मागपी जाण्ट्यो बायलो आनी तुजी ती लुसियान आसा. ह्या वाठारांतल्या धा जाणट्यांक पेन्शन मेळटा. ते पयशे ती आपल्याखातीर आनी आपल्या भुरग्यांखातीर मोडटात. जाण्टेपणान अचकूल जाली तरी तांका अर्थीक बळ येयला. जाण्टीय आतां नेण्ट्यांक जायी दिसतात.''

''खरें सांगतां तूं हें फादर?''

''हय तर.''

''तशें जाल्यार परबी तुमकां फादर.''

फादरान तांका असो पैशांचो आदार मेळोवन दिवन ते दशेतल्यान तांका सोडयल्लीं. म्हाकां बरें दिसलें तरी हांव चितीत रावलों.

भुरग्यांबाळांक जाण्टी कित्याक लागून नाका जातात कांय? फकत ती जाण्टी–म्हातारी म्हूण. ती कमयना म्हूण? वा जाण्ट्यांक आपली भुरगीं कित्याक नाका जातात. तीय ताका कित्याक सोडतात. पयलींचे लोक संन्यास घेवन संवसाराचो त्याग करताले. तर कांय लोक भुरग्यांकडे पटना म्हूण प्राणत्याग लेगीत करताले. आतां तशी परिस्थिती उरूंना. तरी पूण कांय लोक घरदार भुरग्या बाळांनी भरलेले आसून लेगीत तें सोडतात आनी वृद्धाश्रमांत रावतात. मागीर अचकीत ते नाट्यकलाकार बायलेची... प्रेमलताची म्हाका याद जाली.

ती बायल साठ वर्सांची सुमार. ती आपले इश्टीणीक सांगताली. 'घरांत म्हजें आनी म्हजे सुनेचें पटना. तिका म्हज्यो कांय गजाली माननात. जनरेशन गॅप आसूं येता. तशें हांव नातरांचे बीन करतां. भविष्यांत म्हजे कडल्यान तांचे जातलें अशेंय ना. पासश्ट वर्सां जातकूच हांव सेवाश्रमांत रावपाक वतलें.''

तिचें हें उलोवप आयकून म्हाका तेन्ना धक्को बसलेलो. येदी व्हडली गिरेस्त आनी बिल्डराची बायल. रावपाक बंगले आसात तरी सेवाश्रमांत वचून रावतली म्हण्टाली, म्हूण म्हाका अजाप दिसतालें.

तिचेकडे पैशे आसा, घरदार आसा तरी तांचेकडे एकामेकांचो मोग करपाक वेळ ना जांवये, अशें म्हाकां दिसपाक लागलें. ती आनीक सांगताली, ''आमी जाण्टेलीं भुरग्याबाळांची काळजी घेतलींच पूण जंय भुरगींबाळांय जाण्टेल्यांची काळजी घेता तें घर भाग्याचें.''

म्हजी तर खातरीच पटली, ज्या घरांत नेण्ट्यांची आनी जाण्ट्यांचीय

तितलीच कॅर घेता तें घर भाग्याचें. त्या घराक म्हजें हट्स् ऑफ. त्या घरांतलीं सगलीं जाणा ह्या संवसाराच्या खेळांतल्यान आनंदान सुट्टलीं... सगलींच बरेतरेन सुट्टलीं... साय सुट्टलीं.

तिनसांजचो जाण्टेल्यांच्या खुरसाकडे वचूंक जाय म्हूण हांवें कांय कामां कुशीक दवरलीं. मुजरत वेळ काडून थंय वचपाचें येवजिलें. तरी स्कूटर चेक करून घेवपाक वेळ गेलोच.

खुरसाकडे पावता म्हणसर तिनसांज जावन गेल्ली. लादायिनाक गर्दी जाल्ली. भुरगींबाळां, बायलां, दादले, जाण्टेलीं थंय आसलीं. फादर इनास लादायीन सोपोवन प्रार्थना करतालो. प्रार्थनेची निमाणी उतरां म्हज्या कानांत पडलीं. ''...देवा धनया, आमच्या गांवाक, गांवच्या दर घराब्याक आनी चड करून जाण्ट्यांक बरे दीस दी !'' प्रार्थना आयकून म्हज्या आंगार कांटो फुल्लो.

लादायीन सोपतकूच थंयचे लोक कुशीक सरपाक लागले. ती जाण्टी बायल लुसियान म्हजे नदरेक पडली. तीच कांय ती? म्हाका प्रस्न. स म्हयन्याच्या काळांत ती मात्शी आंगान भरलेली. पयलीचो रापट काळो रंग वचून ती उजळ दिसताली. ती निळ्या कोराची साडी न्हेसलेली. तिच्यावांगडा तिच्यो त्यो धुवो आसल्यो आनी वांगडा नातरांय. हांव तिका हडकूंक सोदतालों. पूण ती आपल्या नातरांक घेवन लागीच्या पसऱ्यार गेली. थंय तिणे आपले पयशे दिवन चॉकलेटी घेतल्यो. नातरांक चॉकलेटी दितानाच तिणे तांची फकाणाय केली. तांकां चॉकलेटी वाट्टनाच एके चॉकलेटीची भांगराळी बेगड सोडोवन तिणे आपल्याय तोंडांत उडोवन ती चोखली. तिणे जिविताकडे फाट ना करतां जिविताकडे फुडो केला हें पळोवन हांवय भारावलों. इतल्यान भुरग्यांच्या बोबाळांत आसताना तिची नदर म्हजेर पडली. तिच्या रुंद तोंडार मनमेकळें हांशें ... तें पळोवन हांवय खोशेन हांसलों.... म्हाकाय मेकळें मेकळें दिसलें.

❑❑❑

पडबिम्ब

खरखर करून चलपी पोन्नी बस माशेलांत पावच नासली. वाटेर थांबोवन थांबोवन पॅसेंजर घेताले. माशेलांतल्या हॉस्पिटलांत म्हजी धाकटी भयण ॲडमीट आसली. कालच तिचे सिजेरियन ऑपरेशन केल्लें. तिका धूव जाल्ली. म्हाका भाची. सोबीत आनी मोठ्या गालांची. ऑपरेशन बरेच लांब आसलें. तें तिका बरेच दुखतालें. तिचे दुखीफुडें तिचे चलयेची अपूरबाय जांव नासली. जो तो येतालो आनी भयणीच्या ऑपरेशनाची खबर घेतालो. तिच्या तोंडार दुखीचे भाव उदेताले.

बसीत बसले कडे म्हाका दिसपाक लागलें– आमच्या कुटुंबातलें आनी भावाभयणीचें नातें सुखदुखाच्या धाग्यान विणलां. ताका सुखापरस दुखाची देग चड खर आसा. ह्या दुखांतल्यान आमच्या नात्याक चड लागसारपण आयलां. ते खातीर तें चड घट्ट आसा. हालींच्या भुरग्यांचे नात्याचे धागे घट्ट ना. आतांचीं भुरगीं दुखापरस सुखाक चड संवकलेली आसतात. तांचें पार्ट्यांकडे, डॉन्साकडे नदर. तांचे हॅलो हाय वयल्यावयलें. तांचे नातेसंबंद तात्पुरते आनी बेगडी. आताचे पिळगेक नात्याचें कांयच पडूं ना. तांच्या जिविताक मुळां नाच. सगळें वयल्यावयलें. हॉस्पिटलांत पावसर होच विचार म्हज्या मतीत घोळत उरलो.

हांव भयणीचे बेडीकडे वचपाक लागलों. तशें तिणे पळयलें आनी ती मंदशी हांसली. तिच्या मुखामळार आजुनय तकालसीची सया आसली. पूण फुड्यांतच आंगलें तोपरें घातलेलें भुरगें हातपांय हालयतालें. ताच्या मोवाळ गालाक बोट लायलें. पोतयेतलीं फळां स्टीलच्या मेजार दवरलीं. बावलेचे कशे ताचे दोळे. तोडांत आपलीं बोटां घालून तें चोखतालें. आयज चडश्या जाणांचे लक्ष भुरग्याचेर आसलें. इतल्यान भयणीन सांगलें. ‘आतांच बाबू येवन गेलो.’ ‘अशें!’ हांवें अजापून म्हणलें. बाबू म्हजो व्हडलो पूत. तरनाटो. ‘आयज म्हजे पयलीं तो येवन गेल्लो तर, आपल्या आकाचे खबरेक.’

घरा परतपाक हांव बसीत बसलों. ही डायरेक्ट बस मदीं थांबनासली. वेळ सांजचो. भायर मळबांत पळयल्यार वेगवेगळे रंग फाकारलेले. ते एकामेकांच्या रंगात मिसळ्ळेले. तांची वेगळीच झांक मारताली. म्हज्या मनांतय विचारांचे हारशे लागले. तातूंत हांव म्हजे बिम्ब आनी म्हज्या भुरग्यांचें पडबिम्ब पळोवपाक लागलों.

म्हजो पूत आपल्या आकाच्या खबरेक गेल्लो; हावें न सांगतां. म्हाकां बरें

दिसलें. तोय आपलें नातें सांबाळटालो. हांवें व्हदळ वोगीच नव्या भुरग्यांक दोश दिल्लो. तांका वयल्यावयले, बेगडी लेखलेले. म्हाकां दिसपाक लागलें आताचे भुरगेय तितल्याच खरपणान... तिव्रतायेन जगतात. वा म्हणूया चडूच खरपणान जगतात. तशेच चड डिटेलांत वा विस्तारान जगतात. हो सगलो नव्या काळाचो, शिक्षणाचो आनी प्रसारमाध्यमांचो परिणाम.

धाकटो चलो बर्थ डे पार्टेक वयता. आपल्या इश्टांची बर्थ डे पार्टी तो चुकयना. आमंत्रण येयल्ले खंयचेंय सिलेब्रेशन तो चुकयना. तो सणा परबांचोय शौकी. कॉलेजांतले वेगवेगळे इव्हेंट जांव ते Winter Creations, Summer Expressions वा आनीक किदेंय. आयचो जमानो हो अश्याच सिलेब्रेशनांचो. ताच्या पिरायेचे चडशे भुरगे तशे. आदल्या तेंपार म्हूण कमी उत्सव आसले? आनी तेय घरगुती. भुरग्याच्या सटी-बारश्यापासून तर ते सुरू जाताले. आमी नाटकां पळयताले, कथा-कादंबऱ्यो वाचताले. आतां तर नवे भुरगे पिक्चरां पळयतात, डान्साच्या कार्यावळीनी भाग घेतात. धाकटो चलो तर नवें बरें पिक्चर येत तर तें सोडीना. म्हज्या मतान एक बरें पिक्चर म्हणजे एक बरी कादंबरीच. तातूंत रटाळपणा आसना. ती आसता एक सोबीत कलाकृती,

धाकट्या चल्याक खूब इश्ट. गांवांतले, शाळेतले, कॉलेजचे, शारांतले. ताचे इश्टागतीचें जाळे व्हडलें. ताच्या इश्टागतीचें नातें तो आपले परीन निभायता.

गेल्याच वर्साची घडणूक. ताचो इश्ट सुनील. ताची आवय कॅन्सरान दुयेंत आसली. ती मरतकूच तो आनी ताचे कॉलेज इश्ट सुनीलाच्या आवयच्या मर्णाक गेले. तेंय बरेंच पयस एका खेडेगांवांत. तिचे मर्ण करून ते सगळे इश्ट परत आपापल्या घरा गेले. म्हाका ह्या भुरग्यांची उत्सुकताय. हांव म्हज्या चल्याकडे विचारता; पूण तो तशें व्हडलें सांगना. थंयसून येवन तो परत आपल्या कॉलेजीत- हॉस्टेलांत वयता. कांय दिसांनी तो एक कविता बरयता- आपल्या इश्टाच्या आवयचेर.... आनी तीय इंग्लीशीत. Impression ह्या ताच्या कॉलेज मॅगझीनांत ती कविता वाचून हांव भारावन वयता. ते कवितेतल्यान ताच्यो संवेदना आनी भावना उक्त्यो जाताल्यो. ताची कविता चड उत्स्फूर्त आनी प्रवाही. ताचे जिणेसारकी.

तो खोशेन आनी दुखांतय आपल्या इश्टा वांगडा भोवतालो, जगतालो. ते भायर तो तांच्या कुटुंबाकडे, आवयकडें नातें दवरतालो. तशें ताची आवय आनी ताच्या इश्टाची आवय हातूंत वेगळेचार ना, तर साम्यच आसता. म्हाका

फकत याद जाता म्हजी आवय म्हज्या ल्हानपणांत मेल्ल्याची. हांव व्हडल्या व्हडल्यान रडटा. तेंच याद. सविस्तर याद जायना. आनी तेन्नाची तिव्रताय ना. तर हाच्यो भावना वेगळ्या वेगळ्या रंगानी आनी तासातासांनी उक्त्यो जातात. एक तीव्र मनसंवेदना दिसता. हाचो अर्थ तो जगता तें चड तासातासांचे, रंगरंगयाळें, संवेदनशील आनी उत्स्फूर्त आसा.

दोन वर्सां पयली ताच्या इंजिनिअरींग कॉलेजांतल्या इश्टाक मोटरसायकलीन अपघात जालो. अपघातांत ताका मर्ण आयलें. तेन्ना सगळीं भुरगीं-चले चलयो ताच्या मर्णान हुंडकेतालीं. गेल्या दोन म्हयन्यांत ताच्या कॉलेजच्या इश्टाक अपघात जालो. ताचो पांय मोडलो. ताका ताणी रोकडेच जिएमसी हॉस्पिटलांत घातलो. दोन म्हयन्यांत तो आपल्या पांयार उबो रावलो आनी कॉलेजीत येवपाक लागलो.

एके राती अकरा वरांचेर धाकट्याक फोन आयलो. तो आपल्या भावाची मोटर सायकल घेवन वचपाक सोदूं लागलो. 'खंय वयता? कित्याक वयता येदे रातीर?' म्हज्या प्रस्नान तो पयली वोगीच रावलो. ताका हांव धाडीत वा ना धाडीत हो दुबावसो. मागीर ताणे सांगलें. इश्टाचो बापूय अपघातांत बेशुद्ध जाला. हास्पिटलांत ताचेर उपचार चलताले. पैशाचे गरजेखातीर ताच्या इश्टाक ताच्या पयशिल्ल्या गांवच्या घरा व्हरून परत हाडपाचो आसलें. हांवें ताका तापयलो आनी म्हणलें - 'तुकां कित्याक पडलां तें. तूं येदे राती वचूं नाका. इतले पयस.' परत ताणे म्हाकां सांगले, 'पळय पापा ताचो बापूय सिरीअस आसा. उपचाराखातीर बेगीन पयशे गरजेचे.' ताचो वचपाचो निश्चेव पळोवन हांव वोगीच रावलों. थोड्या दिसानी ताच्या इश्टाचो बापूय बरो जालो. घरा वयताना वाटेत आमच्या घरा येवन भेटूनय गेलो. जर म्हजो पूत दुसऱ्याच्या बापायखातीर आनी इश्टाखातीर इतलो तत्पर आनी रिस्क घेता, तर तो आमकां कितलो तत्पर आनी रिस्क घेवपी आसतलो. हांव खोशी जालोंच हें येवजून. ते भायर हांव, तो, ताचो इश्ट, इश्टाचो बापूय तांचे घरचे हांचेकडे आमचें सोयरेपण आसल्याचो अणभव येवपाक लागलो.

सतीश म्हज्या व्हडल्या पुताचो इश्ट. ताचो बापूय एक दीस म्हाका भेटलो. उलयतां उलयतां तो सांगपाक लागलो, '... तो घराकडे चडसो आसचना. तो बद्द रातचो धांक-अकरांक घराकडे येता.' ताचो सूर आपल्या पुताच्या विशीचो कागाळेचो नासलो. तर वयल्यान कवतूकाचो आनी थोडो काळजीचो. तरी बरें हांव जाणा आसलों तो एक बरो भुरगो. आपल्या कामांत आसपी. तो उसरां

घरा येता ही बापायची काळजी आसली. सतीश इंजनेर. सरकारी खात्यांत काम करून उरलेल्या वेळांत तो कांय कंपन्यांचे कंत्राट घेता. तो सांगतालो– आमच्या बुद्धीचो, शिक्षणाचो फावा तसो उपेग सरकारी खात्यांत जायना. टेकनॉलॉजीचो उपेग करून तो इलेक्ट्रीक गॅजेट आनी अश्योच वस्तू करतालो. आयज सतीशा-भाशेन खूब तरनाटे भुरगे आसात. तांच्या हांतांत तंत्रज्ञानाचें खास साधन आसा, जशे कांय ते पाशाकूंश आसलेले नवे गणपतीच वा विणे बदला कंप्युटराच्या मावसाचेर हात दवरलेलो नव्यो सरस्वतीच.

हांव चड येवजूपाक लागलों. म्हज्या जिवितांतली आनी मनांतली बिम्बां-पडबिम्बां जुळयत रावलों... नवी पिळगी बरी शाणी, चौकस आनी जैतिवंत आसता. नवे भुरगे नवी नवी मळां पादाक्रांत करतात जशी इलेक्ट्रानीक्स, आयटी, टेलेकम्युनिकेशन, नॅनो सायन्स आदी. नवी पिळगी ह्यां मळांचेर वावरून तंत्रज्ञानान फायदो घेता आनी तोय सगळ्या लोकांक. नवी पिळगी हे सदाच बरें सुधारीत version आसता. केन्ना केन्ना तांचे संवाद आयकल्यार म्हाका दिसता तांची समजपाची रीत न्यारी आनी हावेस भारी.

म्हाका पयली दिसतालें हे नवे तरनाटे जाणट्यांच्या खांदाचेर बसून फुडें पळयता. पूण रासवळ मळांचेर वावुरपी नवे तरनाटे भुरगे पळयतकच म्हाकां दिसता– ताणी जाणट्यांचो खांदो केन्नाच सोडला आनी ते वयर वयर उडणां मारतात. आपल्या साधनांचो, तंत्रज्ञानाचो उपेग करून कल्पनेचेर स्वार जातात. तांका क्षितिजा पलतडचें दिसता. कितलीशीच क्षितिजां तांचे मुखार उक्ती जातात. थंय ते नवे घडयतात आनी हें सगळें घडोवपाक तांका तांचे संवेदनशील मन आनी आव्हानात्मक स्वभाव बऱ्याक पडटा.

❑❑❑

जिवितांतली आपालिपा

सकाळी फुडें आपल्या दोनय भुरग्यांक घेवन वचपी सुफल वाटेतच भेटलें. ताचो धाकटो एका वर्साचो चलो ताचे हांडीर आसलो तर दुसरो पांच वर्सांचो व्हडलो चलो ताच्या हाताक धरून केजी शाळेत वयतालो. हांवें ताका हडकिलें तशें तें निर्विकार हांसलें. भुरग्याक उशीर जांवचो न्हय म्हूण तें राव नासताना शाळेवटेन चलपाक लागलें.

ताचे विशी म्हाका उत्सुकताय दिसताली. ताच्या जिवितांत तर सुखदुखांची आपालिपा चलताली. स वर्सां पयलीं ताच्या आवयबापायन रीण काडून ताचे लग्न केल्लें. लग्नाउपरान्त फक्त स म्हयन्यानी ताचो तरनाटो घोव अपघातांत मरून गेल्लो. ताच्या जिवितांत दूख आनी आक्रोश भरलो. तातूंतय तें दोन म्हयन्याचें गुरवार आसलें. तें आपल्या घोवाखातीर दीसरात रडटा, खायनाजेवना, जीव दिवपाचो यत्न करता म्हूण घोवाल्या घरच्यांनी ताका ताच्या आवयगेर हाडून सोडलें. आवयगेर तें मोने कशें घरांत बसून रावतालें.

ताका घोवाल्या घरच्यानी परत व्हेलेंना. ताची वासपूस लेगीत केलीना. घोवाचो तसो तांच्या घरच्यांचो सांगात नासलेल्यान एके कुमारीकेक दीस वचचे तशे ताका जाल्लें. णव म्हयने भरचे आदीच बाळंतपण येवन ताका एक सोबीत भुरगो जालो. उपरान्त चार म्हयन्याचो काळ वयतकूच तें आपल्या भुरग्याक घेवन वाटेवयल्यान येताना वयताना दिसतालें. अशें भुरग्याक घेवन वयताना पळोवन आमकां सूऽ जाल्ल्यावरी दिसलें.

आपल्या घोवाच्या मर्णान रडपी, जीव दिवपाक वचपी अशें कशें बदल्लें? ताचे फाटल्यान रहस्य आसलें ताचे माणकुलें भुरगें. ती आतां घोवाची बायल नासली तर ती आवय आसली दूदपित्या भुरग्याची. ती आवय म्हूण जगताली आवय म्हूण नवे जिवीत ताच्या मुखार आसलें.

ताच्या जिवितांतल्या घडणूकांचेर आनी बदलांचेर हांव म्हजे तरेन पळयतालों. ताचो घोव मरतकूच ताच्या जिणेन खर दूख आयलें. पूण तें खर दूख हळूहळू कमी जालें. त्या दुखाची तीव्रता उणी जाली. ती आदले इतली उरली ना. तें दूख मोव पडलें. तें दूख आनी फाटलें जिवीत एका यादीच्या रुपांत उरलें. म्हणून तें नव्या जिविताक वा जिवितांतल्या बदलाक सामकार गेलें.

चल्याक दोन वर्सां जाता थंय आसली; सुफलाक मुंबयची सोयरीक आयली. न्हवरो मुळांत गोंयांतलोच. ताची बायल मरून तीन वर्सां जाल्ली.

सुफलाच्या आवयबापायन मुंबय वचून सुफलाचें ताचे कडे लग्न करून दिलें. ताचो चलो पवनाकूय घेवन तें गेलें. घोवानय त्या भुरग्याचो पत्कर घेतलो.

म्हाकां दिसतालें तें ह्या काळांत मोठ्या मानसीक स्थित्यंतरांतल्यान गेलां आसतलें. पयलो घोव मेलो. मदी गुरवाचार. मागीर भुरगें. परत दुसरें लग्न आनी पयल्या घोवापासून जाल्ल्या आपल्या भुरग्यासयत दुसऱ्या घोवागेर वचप. कुवाडें सुटल्या भाशेन म्हाकां दिसपाक लागलें, मनशाक दूख जाताच, मानसीक त्रास जाताच पूण नवे जिवीत जगपाची इत्सा आसता. हेच इत्सेतल्यान हें घडटा.

हांव फुडें विचार करपाक लागलों. आमच्या समाजांत खूब जाणांचीं मनां तुट्टात; परत तीच मनां खंय ना खंय तरी जुळून घेता. आमच्या कॉलेजांतली एक चली आपल्या इश्टाकडे मोग करताली. कॉलेज सोपूनय ताचो हो मोग चालूच आसलो. पूण चलयेच्या बापायक तो चलो मानवलोना. ताणे तिचें लग्न तिच्या मनाविरूद्ध दुसऱ्या चल्याकडे केलें. ते चलयेक दुखलां आसतलेंच. ते चलयेच्या काळजाक घाय पडल्या आसतलेच. पूण संवसाराच्या राटावळींत तें दूख तिका कुशीक दवरचें पडलां आसतलें. अश्यो कितल्योश्योच चलयो अशे तरेन आपल्या संवसारांत रमलेल्यो पळयल्यात. तांच्या मनाआड जाल्लें लग्न बरें न्हयच. त्यो चलयो आपले दुखउमाळे यादीच्या रुपान दवरून आपली जीण जगतात आसतल्यो.

दर एकली चली आपल्या घोवाघरा वयताना आपल्या आवयबापायपासून, भावाभयणी पासून, आपल्या वाठारापासून पयस सासराक वयताना ताका दूख भोगताच. लागी लागी सगळ्या चलयांच्या वांट्याक हें दूख येता. त्यो हे मानसिकतेतल्यान गेल्याच आसताल्यो पूण ह्या दुखाक एक भांगराचो पदर आसता– नव्या संवसाराचो. नव्या संवसाराचें सुखसपन तांका दोळे मोडीत आसता. मागीर तर त्यो कुळारच्या लोकांक आनी सगळ्यांक विसरून आपल्या संवसारांत पुराय तल्लीन जातात.

म्हाका गेल्या सप्तकांत कोणेतरी सांगलें, दुसऱ्या गांवांत लग्न करून दिल्ली चली खंय घोवागेरसून परत परत कुळारा येताली. परत घोवागेर वचपाक तयार जाय नासली. चलयेची तशी लग्नाची पिराय जाल्ली. मागीर अशें कशें? घोवागेर व्हरून पायल्यार परत आवयगेर येताली. हें अशें कशें हाचें दोनयकडच्या लोकांक कुवाडें पडलेलें. कोण म्हणटालो ती थंय नंदपाक तयारच ना. म्हाकां दिसतालें ती कुळार विसरपाक तयार ना. कुळाराच्यो तिच्या इश्टीणीच्यो यादी तिका तिव्रतेन येत आसल्यो. तिका थंय रावूं नजो जातालें जायत म्हूण ती धांव मारून आवयगेर

येताली. पूण हो एक आडवादसो.

हालीचीच एक गजाल म्हाकां याद येता. एक चलो एक चलयेचो मोग करतालो. तो मोग एकतर्फी आसूं येता. चल्यान ते चलयेक मागणी घातली तेन्ना तिणे ताचेकडे लग्न जावपाक न्हयकार दिलो. उपरान्त ते चलयेचें लग्नय जालें. एक दीस त्या चल्यान तिचेर ॲसीड मारलें. ॲसिडान तिचें तोंड सगळें जळ्ळें. त्या चल्यान ती आपल्याक मेळ्ळी ना हो मनस्ताप घेवन बसलो आनी ताचो विपरीत परिणाम सुडांत जावन ताणे आपलेच मोगिकेचें जिवीत त्रासांत उडयलें. आनी आपलेय जिवीत संकटांत लोटलें.

म्हाका केन्ना केन्ना दिसता, मनशांमदी सोसपाचो आनी वायट गजाली विसरून वचपाचो गूण आसा. तो एक दैवी गूण अशें म्हाकां दिसता.

म्हजो गांवचो इश्ट. तांगेर भुरगें नासलें ते खातीर त्या घोवबायलेच्या संवसारांत आपलें भुरगें नासपाचें दूख आनी घरांत भुरग्याचें सूख ना म्हूण दूख अशे तरेची स्थिती आसली. हे घोवबायलेचें ह्याच कारणान मदीं मदीं झगडीं जातालीं. अशे तरेन झगड्याचेय अरिश्ट तांचेर उप्रासतालें.

पोसके भुरगें घेवपाचो सल्लो हांवें ताका दिलो. तो म्हणपाक लागलो, आपल्या घराण्यांतलें भुरगें मेळत जाल्यार हांव ताका पोसकें घेतलों. पूण तशें मेळना जालें. ताका हांवें परत सांगलें, भुरग्यांत आपपर अशें किदें आसा? भुरगें तें भुरगें. मागीर म्हजे सांगणेवयल्यान आनी आपले बायलेचे सम्मतीन ताणे अनाथालयांतली एक चली पोसकी हाडली. त्या दिमखुऱ्यो मारपी धा म्हयन्याचे चलयेक ताणी अपूरबायेन पाळण्यांत घातली. तिचें नांव दवरलें 'समजशी'. ताणी एकमेकांक समजून घेवन ते चलयेक हाडलेली म्हूण नांव 'समजशी'. तांच्या घरघोटेरांत भुरग्याचें सूख धोलपाक लागलें. आपल्याक भुरगें जावंकना ही ताची खंत हुबून गेली. समजशीन तांच्या घरघोटेरांत नवें जिवीत धोलयलें.

आयज वाटेत चलता चलताच नजमाचो बापूय भेटलो. नजमा आमच्या गांवचें सोबीत चली. वयार येवन लेगीत ताच्या तोंडार भुरगेपणाची सया दिसताली. तिची शादी करून दिल्यार वर्स जावन गेल्लें. तिच्या बापायकडें हांवें ताची वासपूस केली. तर तो दुखीकश्टी जावन सांगपाक लागलो. 'ताका घोवान तलाक दिला. आठ म्हयने जाले.' हें आयकून हांव हाल्लों. तों फुडें सांगपाक लागलो, 'आमी रावता तेंच घर आपल्या नांवार कर म्हण्टालो. तें करीना म्हूण ताणे तिका तलाक दिलो.' सांगता सांगता ताणे एक व्हड हुस्कार सोडलो. हांव आयकत उरलों. 'आतां खंय आसा ती' हांवें विचारलें. 'आमच्याच घरांत. तिका एक

सोयरीक येयल्या. हो ईद जावचें पयलीं तिची शादी करपाक जाय'. अशें सांगून तो वाटेवयल्यान चलपाक लागलो. हांवूय चितपांत पडलों. तलाक दिल्ल्या बायलेक वा घोवान सोडलेल्या बायलेक कितलें दूखदर्द जातलें. घोवाच्या मर्णापरसय चड अशें म्हाका दिसपाक लागलें. घरांतल्यान... संवसारांतल्यान मदीच भायर घालून दिल्ले बायलमनशेक किदें सोसचें पडटलें ? दूख, अपमान, संवसाराचो किळस, घृणा सगळें सगळें. अश्या घायांनी भरलेली बायल परत दुसरी शादी रचून घोवागेर वयता तेन्ना तिच्या मनाभितर कितलो गोंदोळ, आक्रोश जातलो. बायलमनशेचें मन खुबूच गुंतागुंतीचें. ती सगळें सोसता. तिचे मन खंयच्या दिव्य रेशमी धाग्यांनी विणलां जायत तें सांगपाक कठीण. ती आपल्या तरल मनाचो हारसो फुटपाक दिना. सोशीत सोशीत ती आपल्या मनाक विचारता... जंय तिका एक जाप मेळटा... जिवीत जगपाची. हे इत्सेन जिवितांतल्या आपालिपांत साळचो गोंडो जिखून घेवपाचो. साळचो तांदूळ सुवासीक आनी पोसवण दिवपी. आपलें नवें जिवीत जिखून घेवपाचें... जगपाचें आनी तेंय नव्या उत्सवाच्या उमेदीन.

केन्ना केन्ना नवे जिवीत जगपाक वचपी मनशाचे जिवीत सफळ जाताच अशें ना. ते खातीर आदली दुखां, गैरसमज, दुबाव पयस करचे पडटात. ताणी नवें जिणेत तकली वयर काडूं जायना. तशें जाल्यार ताचो परिणाम हालीच जाल्ले घडणूके भाशेन जायत म्हूण भिरांत दिसता.

शारांतल्या मार्केटांत नुस्तें विकपी तरनाटी चली सुदीता. सादी भोळी. ती मार्केटांतल्या एका तरनाट्याच्या मोगांत फारावता. तिका ताच्यापासून दीस वयता. पांच-स म्हयन्यानी गुरवारपणांतलें तिचे पोट कळटा. तो भिजूड चलो त्या शारांतल्यान पळून वयता. फुडें मात ते तरनाटे चलयेक सगलें सोसचें पडटा. आपल्या उदरनिर्वाहाखातीर ती चली तशेंच पोट घेवन ना लजतां नुस्तें विकता. लग्न न जाल्ली चली मार्केटांत अशेतरेन येवप म्हणल्यार लोकांचे निर्भत्सनेक आनी थोमण्याक तोंड दिवचें लागता. बाळंत जावन तीन म्हयन्यानी आपल्या चल्या भुरग्याक कोणाकडे दवरून ती बाजारांत येता. ती ताका वाडयता. अशे तरेन दोन वर्सां वयता. ती जोडटा आनी जुवान आसा म्हूण दुसरो तरनाटो तिच्या मोगांत पडटा. ती दोगांय लग्न जातात. तो भुरगोय वांगडा आसता. पूण थोड्याच दिसांनी नव्या घोवाक तो नाका दिसता. तो ताका दुसऱ्याचो म्हूण पळयता. मागीर घोवा बायलेची सदाच केस्तांवां जातात. एक दीस तो त्या चल्याक जितो मारता. ती भियेता. मेल्ले कुडीक दोगांय मेळून लिपयता. मागीर कांय दिसांनी तांचे कर्म उक्तें जाता. घोवाक आनी तिकाय पुलीस धरतात. दोंगांय तोंड

लिपोवपासारख्या त्रासांत सांपडटात.

अश्यो घडणूको खूबकडे घडटात. अशें घडपाक कारण किदें आसूं येता? तांच्या संवसारांत त्या भुरग्याची घोवाक जाल्ली नसाय कांय? ताणे ताका आपलो मानलोना. तशेंच तिच्या फाटल्या जिवितांत किदें जावन गेलां ताचो विसर घातलोना. वयल्यान भुरग्याच्या अस्तित्वान आनी फाटले यादीन ताचेर विपरीत परिणाम जालो. नसायेचे वृत्तीत ताच्यांत विकृती निर्माण जाली. निमाणी तर कसायाभाशेन ताणे ताचो जीव घेतलो. असो शेवट जावंक जायनासलो अशें हांव म्हणपाक लागलो.

दुसरे दिसाय सुफल आपल्या दोगूय भुरग्यांक घेवन शाळेत वयताना दिश्टी पडलें. कालच्या भाशेन धाकटो वर्साचो चलो ताच्या हांडीर आसलो आनी व्हडल्या भुरग्याच्या हातांत ताणे धरलेलें. पुस्तकांचें दप्तर फाटीक लावन तोय नेटान चलतालो. सुफलाच्या घोवाची बदली परत गोंयां जाल्ली आनी वाड्यावयल्या एका बिराडांत तीं रावतालीं. सुफलाची फाटली जीण म्हजे यादीतल्यान झगझगून गेली. ताचो घोव समंजस. तो म्हाकां हडकितालो तर केन्ना हांव ताची खबर घेतालों. तीं आपल्या दोगांय भुरग्यांक स्कूटरीर बसोवन भोवपाक वयताली आनी तांका पळोवन म्हाकां आनंद जातालो. म्हाका दिसतालें, सुफलान आनी ताच्या घोवान आपलें आदलें दूख आनी सूखय मनाचे कुरकुटांतले यादीत दवरलां. आपले यादीची मुळां ना करून उडोवना. त्या मुळासकट ती वाडटात... नवीय मुळां जमनीत वाडयता आनी ताणी आपल्या पानांचो शेंडो उजवाडावटेन व्हेला – तीं सगळीं मेळून नवी जीण जगता. जिणेतलें नवें कणस झेलता.

❑❑❑

उलो मारून घरांत यो...

घराच्या दाराकडची डिंगडाँग बेल वाजताली आनी सगळ्यांचें लक्ष त्या बेलीच्या आवाजाकडे वयतालें. ती लायल्यार सादारण तीन वर्सां जावन गेल्लीं. ती वाजली रे वाजली, भितरसून ऑर्डर. 'भायर कोण आयला पळय.' हांव दार उगडटालों आनी पळयतालों. पळयत जाल्यार हिची वळखीची शेजान्न. हांव घरांतले हिका सांगतालों, तुका मेळपाक कोण आयला पळय. मागीर ती येताली. हांव वोगीच म्हजें काम सोडून दारार येतालों. साडयेकार, वळार अशे कितलेशेंच सेल्समन येताले. दार उगडच्या पयलीं दारांत कोण आयला तें कळनासलें. सगळे बेलीच्या आवाजांत प्रगटताले.

आमगेर सोयऱ्यांपरस चड शेजारी येताले. बिराडकारांची भुरगींबाळां येतालीं. दार बंद आसल्यार बेलीचो बटण दाबपाक भुरग्यांक मजाच येताली. दार उगडून भायर कोण आयला तें पळयतकूच कोण आयलां तें कळटालें. घरांत रावन कोण आयला तें कळनासलें. पेपरवालो. दुदकार, हेल्थ वर्कर तशेच चवकशी करपी येताले. दाराक भींग लावंक नासलें, कोण आयला तें पळोवपाक. रातची केन्ना बेल वाजल्यार वोगीच भंय आनी दुबावसो.

एक दीस आमी थारायलें बेल डिस्कनेक्ट करपाची. आनी केलीय. आतां कोण घराकडे आयल्यार उलो करताले. कोण आयला ते वळखीचे आसल्यार कळटाले. शेजारी येताले आनी दबकून उलो मारताले वा 'ओऽ घरांत' म्हण्टाले. कांय जाण तर हात दारार मारताले. तर कांय जाण खिळी दारार मारून टक टक असो आवाज करताले. बेल डिस्कनेक्ट केल्ल्याचो व्हडलोसो फायदो जालोना. वयल्यान टकटक असो नाका जाल्लो आवाज सोसूं नजो जालो. दिसलें तांका सांगचें 'फाल्यां यो' ते खातीर कन्नडांत बरोवचें 'नाळे बा' आनी त्याच दिसांनी दारार हात मारपी तोंड आनी तकली नासलेल्या 'नाळेबा' ची ती अफवा गांवांत पसरलेली. कोणेय खटखट केल्यार वोगीच भिरांतशी.

मदी असो पांच-स म्हयन्याचो काळ गेलो. घरांत येवपी चड करून दारार मारताले वा खिळी दारार मारून खटखट करताले, कारण तांका बेल वाजोवन आवाज करपाची संवंय.

रातची णव वरां जाल्लीं. आमी टीवी पळयतालीं. भुरगे भायर खंयतरी गेल्ले. इतल्यान दारार कोणे तरी मारलें. हांवें कोण कांय म्हणलें. पूण ताणे जाप दिली

ना. हांवें दार उगडलें तर धाकटो पूत दारार. हांवें ताका विचारलें, 'तुकां उलो करपाक जायनासलें?'

'दारार मारलेले न्हय रे.'

'पूण दारार कोण आयला तें कशें कळटलें?'

ताची आवय मदी पडली. ती म्हणपाक लागली, 'हांव जाणा तो बाबू म्हण. ताच्या बुटांचो आवाज खटखट जाता आनी गेट उगडटना आवाज वेगळेच तरेन जाता. मात्सो व्हडल्यान जाता.'

'पूण तो आवाज हांवें खंय आयकला. तातूंत टिवीचो आवाज. तूं चड लक्ष दिता दिसता. गेटीचो अमूक आवाज जालो म्हणजे अमूक मनीस आयला. अमूक तरेन पावलां वाजलीं म्हणजे अमको. म्हाका खंय इतलें लक्ष दिवपाक जाता. ताणे उलो करचो. घरांत मनीस नात तर? ... हांव.

''तांकां बेल वाजोवन आवाज करपाची संवंय. तशेच ताणे दारार टक टक आवज केलो.' आवय पुतावटेन रावली. हांव वोगीच रावलों आनी टिवी पळोवपाक लागलों.

म्हजे मन शांत जालें ना. फाटी व्हडलो पूत असोच रातचो आयलो. ताणे टक टक करून दारार मारलें. हांवें दार उगडलें आनी टिवी पळोवपांत रंगलों. तोय वोगी रावन घरांत सरलो आनी आमच्या वांगडा बसून टिवी पळोवपाक लागलो. बरोच वगत गेलो. तो उलयलो ना. जेवणाक ताका आफयलो. तो उठलो ना. ताचो चेरो तांबडो जाल्लो. ताका किदें जालां ते पळोवपाक आवयन हात लायलो. तर ताका बरोच ताप. आंगाक हात लायला तेन्ना कळ्ळें तो बरोना म्हूण. पयली कळ्ळें ना. तो घरांत येवच्या येवन कळ्ळें तर रोकडेच उपचार जावपाचे. तो दीस बरोच बेजासावान गेल्लो. ती याद जावन हांवें म्हणलें, 'पळय तुमी सांगीना, उलयना. घरांत येतना भायसून उलो मारात. दारार टकटक करूं नाकात. उलो करचो म्हूण बेल काडून उडयल्या. तुमी घरांत येतना कशे आसा तें तरी कळटलें. तुमी उलो करात आईक, नाजाल्यार म्हाका बाबा म्हूण. तुमी दारार टक टक केल्यार आमी दार काडचेनात. उलो करून घरांत यो....'

घराकडे येतकूच ते आवयक उलो करपाक लागले. उलो करताना ते खंयच्या मुडांत आसात, ते उमेदीन आसात, निरशेल्यात कांय आनी कितें तें कळपाक लागलें. केन्नाय ते दारार मारताले पूण चूक कळटकूच रोकडेच उलो मारताले 'आईऽ' ते उलो मारतकच तांची आवय तांका दार उगडटाली. आवय तांका विचारताली, 'कसो आसा बाबा?' ते सांगताले 'बरो आसा'. केन्ना ते

आपल्याक बेगीन वाड, खावपाक दी वा उदक हाड अशें सांगताले. तातुंतल्यान येवच्या येवन तांची मनाची आनी शरीराची स्थिती आवयक कळपाक लागली.

घराकडे येवन आपले आवय उलो करपात वेगळेंच वातावरण तयार जातालें. भुरगे व्हडले जाले तरी तांका आवय जाय हें कळटालें.

'उलो मारून घरांत यो...' ह्या संकेतान आमच्या उलोवपांत आनी वागपांत एक स्पश्टपण येवपाक लागलें. आमचें मोनेपण, संदीग्धपण गेलें आमी चड उलोवपाक लागले. हरशीं फाटल्या दिसांनी भुरगे आपल्याच विश्वांत आसताले. आतां आमच्यांतल्यो बऱ्यो संवयी उजळ जावपाक लागल्यो. घरांत एकठांय बसून विनोद सांगपाक लागले. गितांक आनी अन्ताक्षरीक नेट आयलो. चर्चा जावपाक लागली. तशेंच एकठांय येवन मेकळेपणान निर्णय घेवपाक लागले.

शेजारी दारार मारीत जाल्यार आमी तांका 'उलो करप बरें' अशें सांगलें. तीं मागीर मुजरत उलो करपाक लागलीं. उलो करतलो जाल्यार कोण 'आरे तुरे' करतलो? ना. तांणी बरेभाशेन मानान आनी आपलेपणान उलो करचो पडलो. उलो करपांत एक बरें नातें वाडपाक लागलें. तातुंतल्यान फुडें मानसीक थाकाय आनी बळगें मेळपाक लागलें. घराकडे येवन कोण आई, तर कोण आजी, तर कोण मामी म्हूण उलो करपाक लागले. म्हाकां बाबा, भाई, मामा, म्हूण उलो करपाक लागले. तांच्या ह्या उलो करपांत कोण आयला तें आवाजावयल्यान वळखपाक येवंक लागलें. तशें तीं आपल्याक अमूक नांवान आनी नात्यान उलो करतात हे खातीर खोस जावपाक लागली. बरी उर्बा मेळपाक लागली.

वाड्यावयलीं सुमेरा इदा दिसा मिठाय घेवन उलो करताली 'चाचाऽ'. तर शेजारची माणकुली निता चणे मागपाक येताली, तेन्ना उलो करताली 'नाना'. तर केन्ना शाळेतली भुरगीं समारंभाचे आमंत्रण घेवन येतालीं आनी उलो करतालीं 'मामाऽ'.

केन्ना केन्ना नवोच मनीस येवन घरा भायर रावन उलो करतालो 'होऽ घरांत' मागीर ह्या उल्याक परतून ओऽ म्हूण जाप दिवपांत घराकूय एक जिवसाण येवपाक लागली.

आमची एक शेजान्न बरी हुशार. तिचो घोव केन्ना केन्ना सोरो पिवन येवन भायर रावन उलो मारता; तेन्ना ती सारकी वळखता आपलो घोव सोरो पियेला म्हूण. एक दीस तिणे सोरो पिवन उलो करपी आपल्या घोवाक दार उगडलेंना. बरोच वगत वतकूच दार उगडून ताका भितर घेतलो. तो मेरेन घोवाचो सोरो निवळ्ळो. केन्नाय रिणकारी येवन उलो केल्यार आपूण घरांत ना हें भुरग्यांकडल्यान

ती सांगपाक लायता. अशे तरेन उलो मारून येवपी मनीस तिका बऱ्याक पडटा.

हालीच घराकडे सोयरीं आयलीं. दार बंद आसलें म्हूण तिणे बेलीचें बटण दाबदाबलें. बटण दाबून आवाज येना म्हूण तिणे उलो मारलो, 'मामी'. उलो आयकून जाप दियत, 'कोण वनिता गो ! यो यो ! अशें म्हणून तिणे दार उगडलें.

'तुवें म्हाकां बरें वळखले मगे, घरांत आसताना.'

'हय तर. तुज्या आवाजावयल्यान वळखलें.'

'तुमची बेल चलना कांय लायट ना गे?'

'बेल मुद्दाम बंद केल्या.'

'मुद्दामशी. आमच्या फ्लॅटांतली तर आमी सारकी करून घेतल्या. आनी तुमी बंद करून दवरल्या.

'आगो, बेलीच्या आवाजान कोण आयलें तें कळना. सगळ्यांचें टींग टींग. वेगळेपण ना.

आयज पळय तुवें उलो मारल्याबराबर कोण आयला तें समजलें. बेली परस तोंडाचो उपेग करपाचो.

'बरें तुजें. आमच्या फ्लॅटांकडे कोण कोण येता, बेल वाजयतात, पूण कोण तें कळना. दाराच्या भिंगाक दोळो लावन पळोवचें पडटा. तुमची बरी आयडीया.'

सोयरी आमची आयली, बरी उलयली आनी 'उलो मारून घरांत यो' ह्या घोषवाक्यासयत आमची आयडीया घेवन गेली.

हांव गांवांत भोवपाक वयता तेन्ना म्हाका दिसता कोण ना तर कोण तरी एकामेकांक उलो मारलेलो. तारी देंवण्यार गेल्यार तारयाक कोण तरी पलतडसून उलो मारलेलो आयकूंक येता, तर कोण आलतडच्यान कुकारी मारता. बांदावयल्या शेतांतलीं गोरवां हांबेतात. सड्यावयली टिटाकोय टिटीऽट्यांव टिटीऽट्यांव करून आपल्या सखयांक साद घालता. तर कोगूळ लिपून रावन कूऽ करता. तर केन्ना दोंगरावटेन कवडो दुखी स्वर आळयता. तर केन्ना हुपयो वानर हूऽप हूऽप करून सांगात्यांची खेबाडां करता. तर एक शेवणे आमोरी वेळार निरव रानांत शूऽऽत शूऽऽत करून भेश्टायता. सैमांतच एकामेकांक साद घालपाची मूळ वृत्तीच आसता. मागीर मनशांत ती किद्याक येवचीना.

मनीस मनशांक उलो मारता आनी तो सैमांतल्या प्राण्यांकय उलो मारता. बिलूंक, काव्याक, भिशूक उलो मारून आवय आपल्या भुरग्याक भरयता, खेळयता आनी वेगळें संवेदनशील विश्व आपल्या जिविताक जोडटा... म्हाका दिसता, आदी मानव उलोवंक लागच्या पयली ताणे आपल्या लागच्याक

उलो केला आसतलो. आतां म्हूण आमी किदें करतात. इंग्लीशीत तर सुरवेकच उलयताना 'हॅलो' करून हडकितात.

मनीसजातीच्या जिवितांत तर कोंब्याचो साद म्हत्वाचो. घराकुशीकच्या घुडांतल्या कोब्याचो कोकोंचको साद तर मनशाक फात्यापारार जागयता. त्या सादान मनीस न्हिदेतल्यान उठून आपलो प्रतिसाद दिता. त्या सादांतल्यान मनशाक एक वेगळी चेतनाय मेळटा.

भुरगेपणात हांव इश्टावांगडा भोवपाक आनी खेळपाक वयतालों. जेवणाचो वगत वा उशीर बीन जाल्यार म्हजी आवय म्हाका उलो मारताली 'शशी रेऽ.' उलो कानार पडटकूच हांव आनी थंय रावनासलों. सरळ धांवत घरा परततालों. आजून ते आवयचे उले म्हज्या कानांत सादतात.

केन्ना केन्ना तर गांवांतली न्हंय, शेताभाटां, तशेच दोंगररानां म्हाका उलो मारल्यावरी दिसता. हो उलो मात भितरल्या खास मनकानानी आयकूचो पडटा. ह्या उल्यांचो आवाज खुबूच वेगळो. तो सादारण कानानी आयकूंक येना. हो उलो आयकतकूच मनाचें दार अचळय उगडटा. मात ज्याणी तुकां उलो मारला तांच्या पासून तू पयस आसल्यार तो उलो आयकून तुका तळमळचें पडटा.

जिवीत हें साद–प्रतिसादाचेर निंबून आसता. मनशाचें मनशाच्या साद–प्रतिसादाचेर. तशेच सृश्टीतले जीव एकामेकांक साद–प्रतिसाद घालतात. हो साद–प्रतिसाद म्हणजे संवाद. हातुंतल्यान फुडें वेगवेगळी नातीं वाडटात आनी तातूंत जिवीत जगप जाता.

हांव कमी उलोवपी. थोडोसो भितरल्या भितर विचार करपी. पूण भितरल्या गांठीचो न्हय. हांव मात्सो कुशीक रावपी, पूण 'मनीस घाणो' न्हय. हालीच हांवें म्हजी नदर बदलल्या. हे नवे नदरेन हांव फुडाकार घेता आनी दुसऱ्याक हडकितां, उलो करतां. तातुंतल्यान एकामेकांची वळख जाताच ते भायर एकामेकांचें मन कळटा.

म्हजो एक वाटेत भेटपी इश्ट. तो तसो म्हजो खास इश्ट न्हय. ताची आनी म्हजी इश्टागत अशी वाटेतच घडली. हांव भेटतकूच तो न चुकतां उलो करून हडकिता. 'शेटबाब कसो आसा?' हांवूय ताका जाप दितां. केन्ना आमी वाटेत उलयत उलयत चलता वा केन्ना एकीकडे थांबून खंयच्याय विशयाचेर गजाली मारतां. म्हजो एक इश्ट दिलखुलास उलोवपी, आपले अणभव वांटपी. ताका तर फोनावयल्यान म्हजी खबर घेवपाक आनी साहित्यीक गजाली मारपाक भोव मानवता. फोन केल्याबगर ताच्यान रावूं नज जाता. तो खंयूय आसूं, तो म्हाकाच न्हय तर खूब जाणाकडे फोनावयल्यान उलयत आपलें नातें वाडयता. हांवें तर ताका एकदीस, तूं आमचो संचार युगांतलो 'पी आर ओ'– 'जनसंपर्क अधिकारी'

अशें हांसत म्हणलें. –ही इश्टागत अशी वाटेत भेटून, एकामेकांक हडकून, फोनार उलोवन जाली. ती आजून चलता. म्हाकां दिसता अशें हडकूपाचो, फोनावयल्यान संवाद करपाचो वसो हांवें म्हज्या त्या इश्टांकडल्यान घेतला जातलो. आतां ही इश्टागत बरीच बळ्ळ्या, एकामेकांची सुखदुखां सांगपाइतली.

एकदां रातीकडे शारांतल्या भर रस्त्यार म्हजे स्कुटरीची चावी मोडली. ती नवी करपाक मेस्ताकडें गेलों. तो बिल्डींगेच्या वयल्या फ्लॅटार रावतालो. हांव थंय गेलों. दार उगतेच आसलें. आनी हांव दारार उबो. अनवळखी मनशाक दारार पळोवन मेस्ताची बायल गंभीर जाली. हांवें उलो करूं नासलों वा 'ओ ऽ घरांत' अशें कांय एक म्हणू नासलें. मेस्तान येवन म्हाका नवी चावी तयार करून दिली. हांवें ताका पैशे दिलेच ते भायर थँक्यू म्हणलें. तो खोशी जालो. मागीर ताचे बायलेकूय हांवें 'बरें बाय' म्हणलें त्या बराबर तिच्या तोडावेले गंभीरपण गेलें आनी ती हांसली. निमाण्या वेळावयल्या म्हज्या हडकुपांत लेगीत बरें वातावरण जालें.

तो आमच्या वाड्यावयलो. बरीच वर्सां हांव ताका वळखतां. थोडो गिरेस्त आनी गाडयांनी भोवपी. हांव ताका केन्ना केन्ना हडकितां. कसो आसा म्हूण वासपूस करतां. पूण तो वयल्या वयर जाप दिता. तो आपूण जावन म्हाका उलो करीना. मागीर म्हाका एकदीस राग आयलो आनी हांवें ताका हडकुपाचें सोडलें. तो वाटेवयल्यान वयतालो. ताका म्हजे कांय पडलेलें नासलें. पूण म्हजो जीव चिटिमिटी जातालो. हांव फुगासांव भोगतालों. अशे बरेच दीस गेले. मागीर हांवें थारायलें, म्हज्या सैमाक, म्हज्या स्वभावाक कित्याक बांद घाल. हांवूच मागीर ताका हडकूपाक लागलों. म्हाकाच म्हजे तकले वयले वजें ल्हव दिसलें.

दुसरो जाण्टेलो. तो म्हाका हात दाखोवन मुजरत हडकिता. हांवूय ताका हडकितां. तो खोशी जाता. ताचेकडे संवाद सादपाचें समाधान मेळटा.

एकदां हांवें वाचलेलें 'उलो मार, म्हणजे तो तुकां पावतलो.' देवाक उलो मारल्यार तो तुका पावतलो. तुवें फकत उलो मारपाचोच. आमी संकटांत आनी गरजे वखतार त्या सर्वेश्वराक उलो मारतात. फकत एक दिलासो कसो. पूण आजून तो म्हाका पावल्ल्याचो अणभव ना. मात् हांव घराभायर वाटेत भेटतल्याक उलो मारतां. ते म्हाकां जाप दितात. तांकां बरे आसा कांय म्हूण विचारतां. केन्ना सरळ सरळ सदीत्सा व्यक्त करतां, वीश करतां. तेय मागीर म्हाका वीश करतात. अशें उल्यावयल्यान आमचें उलोवप जाता. संवाद घडटा. म्हज्या उल्याक हे लोक जाप दितात. हें म्हाकां पुरो आसता... तेंच म्हाका पावता.

❑❑❑

भावालें घर

सांजवेळ जाल्ली. सात वर्सांचो म्हजो चलो आयज भावबीज म्हूण बोवाळटालो. तो आपल्या इश्टावांगडा खेळपाक लेगीत वचूं नासलो. विभादिदी येतली म्हूण तो उमेदीर आसलो. विभादिदी ही शेजारची चली. तिचे लग्न करून पलतडच्या पयशिल्ल्या गांवांत दिल्यार स वर्सां जाल्लीं. ती म्हाका भाव मानताली. भावबिजेक ती आपल्या सख्ख्या भावां वांगडा म्हज्या चल्याक ओवाळटाली.

दिदी आयल्या कांय म्हूण पळोवपाक म्हजो चलो शेजारच्या घरांत वचून आयलो. हांवें ताका विचाल्लें. ''सन्मीत्र, दिदी येयली रे?'' ''दिदी आजून येवना.'' ''येतली ती. तूं तयार राव.''

बरोच वगत जाल्लो तरी ती येवनासली. ती आयल्ली तर शेजारचें घर उमेदीन फुलपाचें. जनेलांतल्यान हांव भायर पळयतालो. तिनकातर जावन गेल्ली. काळोख वाडटालो, तशी फाटली याद जावपाक लागली.

आमच्या कुशीक विभालें धाकटुलें घर. मातयेच्या वण्टीचें. घराच्या फाटीफुडें फळझाडां. चिकूचीं, आंब्याचीं. विभाक दोन भाव आनी दोन भयणी. दोगांय भयणीची लग्नां बरेच पयलीं करून दिल्लीं. विभा धाकटें आसल्यान आवयबापायलें आनी भावांचें लाडकें. म्हयन्या दोन म्हयन्यांतल्यान कुळारा आयलें ना तर ताका चैन पडनासली. तें येवन आवयबापायक आनी भावाक मेळटालें. येताना वांगडा आपले आवय बापायक किदें जाय तें मुजरत हाडटालें. वयताना ताची आवय ताका लाडू, चकऱ्यो बीन करून दिताली. घरांत आवय बापूय आनी लग्न न केल्ले व्हडलेभाव.

हक्कान तें आवयची आलमार उगडून आवयक तें सांगतालें, 'आई गे, म्हज्यो साडयो व्हरता गे'. ती म्हण्टाली. 'व्हर गो बाय.' आवयच ताका ताच्या संवसाराक जाय अशीं कांय आयदणा दिताली. विभाक आपलें कुळारचें घर, आपली कुळारलीं मनशां आनी घराभोवतणचो वाठार जाय जाय दिसतालो– जंय तें भुरगेंपणांत वाकुळटालें.

एक दीस ताची आवय अकस्मात अंतरली. तें खूब खूब रडलें. ताका दिसपाक लागलें– आपली इश्ट कशी आवय ना जाली. तिच्या मर्णा उपरान्त विभा कुळारा परत आयलें. बापूय सोप्यार वोगीच बसलेलो. भाव आपल्या कामाक खंयतरी गेल्ले. घरांत भितर सरताच ताका आवयचें रितेपण जाणोवपाक लागलें.

आवय गेल्ल्यान त्या घरांतलें ताचे भुरगेपण आनी धाकटेपण नाजाल्यावरी जालें. ह्या घरा येतकूच, पाडकाच्या काननी वारे भरता तशें ताका जायना जालें.

ते दीस ताणे आपल्या बापायक रांदून वाडलें. पूण सांजचे घोवा घरा वयताना ताका दिसपाक लागलें. – आतां आपलें कुळार अर्दे शेणलें. मागीर ते खंती जालें.

विभाचो बापूय लेगीत आवय उपरान्त पांच म्हयन्यांत अंतरलो. ताच्या मर्णाचे दीस जाल्या उपरान्त ताच्या भावांनी आपल्या तीनय भयणीक एक रात रावपाक आफयलीं. तेन्ना विभा आमगेर आयलें. म्हजे बायलेकडें उलयतां उलयतां दोळ्यांत दुकां हाडून म्हणपाक लागलें. 'पापा आनीक थोडे तरी दीस उरूं जाय आसलो.' घरांतली मनशां ना जावन वयता. म्हाका भंय दिसता. 'आगो, ती जाण्टी जाल्लीं. आतां तुका तुजे सख्खे भाव आसात. तूं कित्याक भियेता... तशेच तुजो भाई आसाच.' तिणे म्हजेकडे पळोवन म्हणलें. हांव हांसलों आनी वोगीच रावलों. विभाच्या चेऱ्यार आपली आवय बापूय ना जावन गेल्ल्याची खंत मांडून आसली. तिका दिसतालें आपल्या कुळारचें घर आनी कुळारची मनशां पयलीभाशेन उरचीं.

मदी दोन वर्सां गेलीं. तिच्या दोगूय भावांचीं लग्नां स म्हयन्याच्या अंतरान जालीं. लग्नाच्या दिसांनी तीनय भयणी येवन वावर करून गेल्यो. पोरण्या घरांत दोन सुनो संवसार करताना आयदनाक आयदन आपटपाक लागलें. तशें दोगांय भावामदीं घर आनी प्रापर्टीचें वांटपूय करपाचें आसलें. व्हडल्यान पोरण्या घराकुशीक आपलो नवो बंगलो बांदलो. धाकटो पोरण्या घरांत रावपाक लागलो. तांच्यो तिनय भयणी तांगेर येताल्यो पूण त्यो हळू हळू तांच्या संवसारांत घुस्पून उरपाक लागल्यो.

एक दीस विभा आपल्या दोनय भावांगेरसून शेजारा आमगेर आयलें. तिणे हडकिलें, 'भाई कसो आसा?' हांव बरो आसा, तें सांगून हांवें ताची आनी ताचे चलयेची खबर घेतली. आयज ताची धूव ताच्या वांगडा आमगेर येवं नासली. ती आपल्या मामागेरच रावल्ली. हांवें शीण काडीत म्हणलें, 'विभा आयज आमगेर तुजे चलयेक कित्याक हाडलीना?' 'ना रे भाई, ती थंय भावाल्या भुरग्यांवांगडा खेळटा. ती येवपाक तयार ना!' फाटल्या दिसांनी तूं येयल्ले मगो तूं आपल्या भावांगेर आनी आमगेर हांगा शेजारा येवपाक तुकां जालें ना. तें मात्सें अपसेट जालें. तें मागीर सांगपाक लागलें. 'भाई फाटल्या दिसांनी दोनूय भावांची झगडीं जातालीं. तांका सांवरतासर नाकाजीव जातालो.' तशें कांय ना गो' हांवें म्हणलें,

'ते झगडटा तें आमी जाणात पूण आमी तांच्यांत पडना. भाव ते. फाल्यां एक जातले... आनी जावंचेच.'

'हय तर. पूण म्हज्यावांगडा म्हजो घोव येता. ताका ते वायट किदेंय म्हणत म्हूण काळीज कलकलता. ताका किदें म्हणत तर तो हांचेकडे वांकडो जातलो. हांगा येवचोना आनी म्हाकाय धाडचो ना. म्हाका म्हजे भावालें घर ना जातलें.' अशें म्हणनाफुडें म्हाका धक्को बसलो. मागीर हांव चितपाक लागलों आतां विभाचें कुळारचें घर आदलें उरूं नासलें. तें भावाचें घर जाल्लें. तेवूय दोन भावांची दोन घरां. त्या घरांत भावाच्या भयणीपरस भावाच्या मावोडेच्या लोकांनी भरतालें. तांचीच चड उठबस जाताली. भाव ताची बायल आनी बायलेची सगळीं सोयरीं अशी गांथन जाल्ली. तरीय ताचे भाव आपल्या तीनय भयणीक वायट करीनासले. भावजयेक ना सांगतां आपले धाकटे भयणीक किदें ना जाल्यार किदें पावयताले. विभाक भुरगेपणातली परत परत याद जाताली.... तें खूब बरें नासलें ते दीस जर ताच्या व्हडल्या भावान ताका हॉस्पिटलांत व्हरून ताचेर उपचार करूं नासले तर तें मरपाचेंच. धा दीस आनी धा राती तो ताच्या वांगडा हास्पिटलांत रावलो.... आपलें कॉलेज सोडून... दोनूय भावांक धाकट्या भयणीची अपुरबाय आसली. पूण दोगूय भावांच्या प्रॉपर्टीच्या झगड्यांक लागून भयणीक नाका जातालें. केन्ना केन्ना भावांचे नाका जाल्ले उलोवप आयकून घेवचे पडटालें विभा धाकटे आसल्यान दोगूय भाव ताका तापयताले. केन्ना मनाक लागासारकें उलयताले.

हांवें विभाक विचाल्लें,'फाटल्या दिसांनी दिनूदादा तुका कित्याक उलयतालो गो? तें वोगीच रावलें. हांवें हो प्रस्न विचाल्लो देखून म्हजी बायल मदीच उलयली. 'तुमी म्हूण ताका नाकाशिल्ले कित्याक विचारतात? भावाभयणीचें तोंडाक तोंड जातलेच न्हू?' हांव वोगीच पडलों. विभा म्हणपाक लागलें, 'भावाभयणीचें तशें कांय जांव ना गे. हांव धाकट्या भावागेर गेल्ले म्हूण व्हडलो दादा म्हाका तापयतालो. हांव म्हूण किदें करूं? अच्यूत भाईगेर वचूं नाका तर? तो म्हजो भाव न्हय तर? आनी तें म्हजे आवय बापायलें घर. तो म्हण्टा तांगेर वचूं नाका. कशें जातलें? अशें सांगता सांगता तें रडपाक पावलें. आमगेलेन ताका थातारलें. आनी म्हणलें, 'दोगूय भाव तुजे. सांबाळून बाये तूं.' मातशे रावन ताणे म्हणलें, 'जाणा मगे व्हनी, हांव तुमकां सांगपाक मुजरत आयज आयल्लें. तशे म्हजे भाव बरे गे. म्हज्या लग्नाक ताणी म्हाका भांगरशिंगर केलें ना तर? लग्नाच्या खर्चाक बापायक आदार केलो. आजूनय ते आमकां भयणीक बरे करतात. पूण ह्या दोनूय भावांची झगडीं.... भाव एकामेकांक कित्याक इतले वायट ते म्हाका

कुवाडें पडलां.' मागीर ताचो गळो भरून आयलो आनी म्हजे घरकान्नीक सांगपाक लागलें, 'जाणा मगे, गेल्या भावबिजेक, व्हडल्या दादान म्हाका आमगेर येवं नाका म्हुटलें. हांव नाकशिमरें म्हूण येतां...'

'आगो पूण कित्याक गो? म्हजो मदीच प्रस्न. 'भावबिजे दीस दिनूदादा घरा नासलो. म्हूण हांव अचूत भाईगेर वचून ताका पयली ओवाळलें. मागीर दिनूदादागेर आयलें. धाकल्याक ओवाळून आपल्याक व्हडल्याक ओंवाळपाक मागीर आयलां म्हूण तो बेजारलो. आनी, नाका नाका जाल्लें उलोवपाक लागलो. निमणे ताणें म्हणले, 'तूं आमगेर येंव नाका. चल तूं तुज्या घरा.' हांवें ते दीस आंवडो गिळ्ळो. मोन्यानी सोसलें. ही खबर हांवें म्हज्या घोवाक सांगूना. नाजाल्यार तो म्हाका दोनय भावांगेर धाडचो नासलो. तो आपलो आनी आपल्या बायलेचो अपमान समजपाचो....' तें मात्शे वोगीच रावलें आनी परत म्हणपाक लागलें, हांव नाकशिमरें. म्हाका लज ना. तरीय हांव येता... भावालें घर तुटत म्हूण.... आमकां आनी कोण आसा?...' अशे म्हणत ते हुंडकेवन रडपाक लागलें.

बरोच वगत जाल्लो. सन्मीत्रावांगडा हांवूय शेजारच्या घराकडे आतुरतेन पळयतालों. तरी त्या घरांत व्हडलीशी जाग नासली. विभा आजून येवं नासलें. हांव निरशेलों आनी फुलावरी बावपाक लागलों. म्हाका दिसपाक लागलें. तिणे आपल्या सख्ख्या भावांगेर येवचेच येवचें. आजय आतां भावबिजेकूय येवचें. तिणे तरी आपल्या भावालें घर तुटपाक दिवचें न्हय... समजून घेवचें. राखल्यार उरता- चड करून नातें. तें चड नाजूक आसता. ती आपल्या भावांगेर येवचीच तशी आमगेर शेजारच्या भावागेर येवची. भावागेर आयली ना तर आमगेरूय येवचिना. मानलेले कांय जांयना म्हाका भयणीचें घर तुटचें न्हय अशें हांव मनांतल्यान मंत्रावरी उच्चारपाक लागलों. '...एक नातें राखल्यार दुसरेंय नातें आपशीच तगता. म्हजेंय नातें तगचें... जिवें उरचें आनी फुडें वाडत रावचें....

हांव चित्ता आसतानाच सन्मीत्र धांवत घरांत आयलो आनी म्हणपाक लागलो, 'विभादिदी आनी भावोजी आयला. हांव भावबिजेक वयता.' अशें सांगून तो शेजारच्या घरा धांवत वचपाक लागलो. हांवेंय जनेलांतल्यान पळयलें- शेजारच्या घरांत उमेदीन आवाज येतालो. दिव्यांचो उजवाड लकलकलो. तोच उजवाड म्हज्याय घरांत येवन फांकारलो आनी तो म्हज्या घरांतल्या दिव्यावांगडा हांसपाक लागलो.

❑❑❑

पिसोळ्याच्या पाखा

हे शिगम्याचे दीस. धोलताशे वाजोवपाक हात फुरफुरतात. शिगम्यांतलीं गितां गावपाक उमेद येता. नव्यो कविता रचपाक कवीकय उर्बा येता. हांव तर शिगम्याच्या वातावरणांत घुस्पतां. अचळय ल्हानपणासाकूनची शिगम्यांतली गितां वंठार येतात. 'इल्लीशी पेटारी सामराची/ तितून बसल्या केळबाय भांगराची/ शबय शबय शबय...'

'आंब्या तुजो ताळो रे कोणी मोडियालो।
रामपुरसा देवा तुजो रथ घडियालो।।'

आनी ह्या गितावांगडा एक कविताय म्हाका याद येता... तिचे शब्दरूप म्हज्या मुखार उबे जाता.

पिसोळ्याच्या पाखा
उडों नाकां
उडों नाकां
दोळ्यांतुल्या दुका
झडों नाकां
झडों नाकां....

पिसोळ्याच्या पाखा
उडोन चल
उडोन चल
दोळ्यांतुल्या दुका
झडोन चल
झडोन चल....

ही कविताशी म्हाका भर शिगम्याच्या दिसांनी याद जाली. ही कविता तर म्हजी न्हय आनी हें शिगम्यांतलें गीतय न्हय. पूण ती याद जाली. ती याद जावपाक आनी यादीत उरपाक तशीच कारणा आसूं येता.

कवी रमेश वेळुस्कारांची ही कविता म्हाका आवडल्या आनी आवडटा. आनी आपल्याक आवडपी मनीस वा कृती याद उरता अशें म्हाका दिसता. आनी आवडप हें व्यक्ती सापेक्ष आसता.

ही कविता वाचतकूच वा आयकतकूच एक भावावस्था तयार जाता. ही

भावावस्था वाचप्याक झपाट्टा. हे भावावस्थेचो तातुंतल्या प्रसंगाचो हुळूवार तितलोच करूण पूण सखोल छाप मनाचेर उदेता. खरें म्हणल्यार हे भावावस्थेचोच परिणाम पुरो, ही कविता याद उरपाक. फुडें यादीच्या प्रक्रीयेतल्यान ही कविता आवडपाक लागता आनी परतें आवडपांतल्यान याद उरता. कविता ही चडशी आत्मनिश्ठ आसता. कवितेत प्रसंग, संदर्भ, विस्तार चडशे आसनात म्हूण ती वाचकांच्या पूर्व अणभवाचेर समजून घेवची पडटा

ही कविता आयकून बरेंच दीस वयता. एक दीस कवी रमेश ही कविता भुरग्यांमुखार सादर करता– पिसोळ्याच्या पाखा/ उडों नाका/ उडों नाका... ही कविता भुरग्यांक भावता. जादू जाल्लेवरी तांचेर प्रभाव पडटा. तेन्ना ही कविता भुरग्यांची कविता– बालकविता जाता. पिसोळ्याचें पाख भुरग्यांचे पाख जाता. भुरगीं ही कविता आपली कविता म्हूण इन्जॉय करतात. पिसोळ्याचे पाख उडून वचपाचे गमती वांगडा, दोळ्यांतुल्या दुखांनी प्रगट जाल्ले करूण भाव भुरगीं आपल्या सांगाता घेवन वयता, जे तांका फुडें मॅचुअर्ड जावपाक उपकारा पडूंये.

एक दीस कवीन हे कवितेच्या निर्मणे फाटली खबर सांगली. पोन्नी गजाल... तांची आजी खूब बरी नासली. आजी बरीच जाण्टी. ती दुयेतान हातुण्णार पडलेली. तिचेर उपचार चलताले. ती बेगीन बरी जावची ही सगल्यांची इत्सा आनी प्रार्थना. ती जाय जाय दिसताली. ती मरून वच्ची न्हय अशें दिसतालें. पूण खूब तेप ती बरी जाली ना. ती हातरूणार उरली. ती आयज मरता कांय फाल्यां मरता अशे मरणावस्थेत आसली. तशें मरण कोणाक चुकनासलें. हें सगळें तिचो नातू म्हणजे कवी स्वता हें दूख आनी दशा अणभवतालो. तिची ती अवस्था कवीक सोसू नजो जाताली. हे अवस्थेतल्यान तिणे 'सुटप' बरें अशें तांका दिसतालें. मागीर, ह्या एकूण अणभवांतल्यान ही कविता जल्माक आयली.

पयली आपली आजी वच्ची न्हय, हें पिसाळ्याचें ल्हवसार जाल्लें पाख उडून वच्चें न्हय आनी आपल्याक दूख जावंचे न्हय अशें ताका दिसतालें. पूण फुडें निसर्गीक स्थिती अशी येता, तांतुतल्यान मनशाक ह्या संवसारांतल्यान उडून वच्चेच पडटा. हे खातीर कवी म्हण्टा– पिसोळ्याच्या पाखा/ उडोन चल/ उडोन चल. दोळ्यांतुल्या दुका/ झडोन चल/ झडोन चल...दोळ्यांतले दूकय झडून वचप हेंय तितलेंच निसर्गीक जितलें मनशाच्या वांट्याक दूख येवप. जिवितांत ज्यो कांय अपरिहार्य वा नैसर्गीक गजाली घडपाच्यो आसतात त्यो रावनात. हें जिवितांतलें मर्म. आनी ताका येवकार दिवपाक कळपाक जाय हाचो साक्षात्कार हांगा घडटा.

निसर्गात जें घडटा ताका आडावप शक्य ना. तें घडपाचेंच. पिकलेलें फळ झडपाचेंच. पिसोळ्याच्या पाखाच्या प्रतिकांत हांगा उबी जाल्ली स्थिती उडून वचपाचीच आनी तितलेंच मरणा उपरान्त जाल्लें दूख व्हांवून वचपाचेंच. कवी निसर्गांतलें सत्य, तुमचें आमचे जिणेतलें निसर्गतत्व सांगता. आनी अजाप म्हणल्यार त्या निसर्गतत्वाक येवकारताय.

ही कविता पिसोळ्याच्या पाखाक आनी दोळ्यांतुल्या दुकाक उद्देशून आसा. पिसोळ्याचें पाख हें कवीची वा तुमची आमची आजी वा प्राणप्रीय मनीस. दोळ्यांतुलें दूक हें कवीचें तशेच तुमचें आमचें दूख. हांतुतलो अणभव आत्मनीश्ठ आसलो तरी तो वैश्वीक, सगळ्यांचो. हे कवितेत नातू आनी आजी हें नातें आसा तरी तें वेगवेगळ्या नात्यांतल्यानच येता. म्हाका दिसता कवीन ही नात्याचेर बरयल्ली सुरवातीची कविता. त्या उपरान्त ताणी मातये संबदाच्या नात्यान बरयल्ल्यो 'माती' ह्या कविता झेल्यातल्यो कविता. 'तनरजोती' 'हिरण्यगर्भ' ह्यो अश्योच आपलें नातें जोडून बरयल्यो जैतिवंत कविता. कवीक सगल्यांत मित्रत्वाचो वा म्हणूया नात्याचो साक्षात्कार जाता. आपले आज्जेच्या आपल्या आवडट्या मनशाच्या नात्यांतल्यान फुडें विकसीत जाल्ले हे नातेसंबंद.

'पिसोळ्याच्या पाखा' ही कविता म्हाका आवडटा. ती प्रभाव घालता. हाचे फाटलें कारण–ही कविता वाचतकूच जे भावावस्थेतल्यान हांव वयता ताचो पयली अणभव म्हाका आयला कांय? आतां ताची परत अनुभूती येतां काय? आनी म्हाकां याद जाता हे अवस्थेचो अणभव म्हाका पयली मेळ्ळा. म्हजो व्हडलो भाव अपघातांत बेसुद्ध जालो. तो कोमांत गेलो. तो हातपांय हालयतालो, धडपडटालो, तो जगपाखातीर कांय मरपाखातीर तें हांव नकळों. तो कोमांन बरेच दीस उरलो आनी हांव ताच्या फुड्यांत ताका सांबाळीत. ही कविता वाचून त्या प्रसंगाची याद येता आनी ती भावावस्था परत जागी जाता.

ही कविता म्हाका चड आवडटा कारण– हे कवितेच्या वाचपान म्हज्या आवडट्या मनशाची याद जाता आनी तांचे संबंदांचो भावात्मक अणभव. कवीकय ही कविता बरीच आवडटली. ती तर ताचे आवडते आज्जेचीच कविता आनी न विसरपी प्रसंग. तोय दूख दिवपी, शोकाचो प्रसंग. दुखाचे वो शोकाचे प्रसंग मनीस विसरना खंय. ते परत परत याद जातात. ते प्रखरतायेन आयल्ले आसतात. शोक, वा दूख भावना ही चड उत्कट आसता. तातुंतल्यान सर्रास दोळ्यांत दुकां येतात.

आवय दर मनशाक आवडटा. तिचेर बरयल्लें रोकडेच लोकांक भावता.

तशेच आपल्या नात्यातल्या मनशां विशी, भुरग्याविशी आसत तर चड लागता. जशें आवयक भुरगें. भुरग्याचीच आवयक चड याद येता. सांगपाचे जाल्यार– मनशाक आपल्या चडांच चड लागच्या मनशाचें लागता. जशें पयस पयसचो मनीस आसल्यार ताका त्या पयशिल्ल्या मनशाचें व्हडलेशें पडना. हो मनीस स्वभाव.

कवीन जें बरयलां तें जर आपल्या लागच्या मनशाक लागपी आसत तर तें वाचकाक भावता. 'आवयचे हात' ही म्हजी कविता वाचून एका कवीन म्हाका मुजरत ती कविता आवडलेल्ल्याचें सांगलें. जर तें दूख सारक्या तीव्र भावनेन बरयलां आसत तर तें अदीक भावता. हांव हेच उत्कृश्ट साहित्याचे निकश अशें म्हणना; पूण मनशाक साहित्य कृती आवडपाक आनी याद उरपाचे विशी सांगतां. आनी हे म्हजें व्यक्तिगत मत. दुखदर्द आसलेली ट्रेजेडी वा शोकांतिका चडश्यो कित्याक भावतात, याद उरतात हाचे कारण हातूंत सोदूं येता.

आवयक भुरग्याची याद येता वा खंयच्याय मनशाक आपल्या प्रीय मनशाची याद येता. ती फक्त ताच्या नांवान येना तर ती ताच्या रंगरूपान आनी भावनीक स्वरुपांत येता. तशें 'पिसोळ्याच्या पाखा' ही कविता याद येता तेन्ना तिच्यांत आसपी फिजिकल आनी अन्‌फिजिकल घटकासयत येता. तिच्या अर्थासकट आनी शब्दासकट वंठार येता आनी भावरुपान आमच्या मनांत पातळटा. हें सगळें घडटा तिच्या सुबक रचनेखातीरच. सुबक हातूंत ल्हानपण आसा, सोबीतपण आसा. दोन शब्दांची एक चिमुकली वळ. असल्या बारा सानुल्या वळींची ल्हान कविता. तातूंत वळीचेंच रिपीटेशन. ती मनांत गणयत रावता. वंठार येता. ध्वनीचीं वलयां वाडटा. तोंडांत घोळपी ओपारींचें, सुभाषितांचें ल्हानपण आनी तितलेच अर्थाचे ठाशीवपण हे कवितेत येता. 'सूर्यबींब बचके एवढे । तरी प्रकाशे त्रैल्योक्य थोकडें' अशे तरेन हांगा जाता. आशय आनी अभिव्यक्ती हांगा एक जाल्या. हांगा आसा कवितेची सुबक रचना आनी मनस्पर्शी आशय.

कवी रमेश वेळुस्काराचे कवितेक बरेचकडे लोकवेदाचो घाट आसता आनी तातूंत शब्दकळा तशीच येता. हे कवितेकय ताचो परिसस्पर्श जाला. तशेच ही कविता लयेत धोलता आनी तालान पदन्यास करता. ह्या सगळ्याक लागून ती चड भिडटा.

ही कविता फकत एक शब्द चित्र न्हय तर तें भावनीक चलचित्र. हातूंत एक ॲक्शन आसा; एकामेकांच्या विरूद्ध दिकेन वचपी तरी एकामेकांक संबंदीत. एक पिसोळ्याचें पाख उडपाची आनी दुसरी दोळ्यांतलें दूक झडपाची. पिसोळ्याचे

पाख–पिसोळें न्हय तर ते ल्हव, सुकें, हुबपासारके पाख. दोळ्यातुलें दूक वोले आनी जड. पूण दोनय सुटपाक पावल्यात. एक वयर हुबपाक आनी दुसरें जडावल्लें वोलें दूख सकयल पडपाक. तशेच पयलीं सांगल्याभाशेन ही आसा सैमीक क्रिया. कवितेत व्यक्त जाल्ल्या भावावस्थेत एक टॅन्शन आसा. हे टॅन्शन दोळ्यांतुल्या दुकां रुपान निस्तून वयता. हीय एक सैमीक प्रक्रिया.

कविते फाटली कविच्या आज्जेची काणी समजतकच तर कवितेचो प्रभाव अदीक गाड जाता. तशेंच हे कवितेत एक कथाय आसा हें कविता वाचतासताना समजता. ही कविता एक कवनकाणी जाता. कवनकाणी वा गावनकाणी हो एक आदीकाळापासून चलत आयिल्लो कवितेचो प्रकार. त्यो जनसामान्याचेर चड प्रभाव घालतात म्हूण तर गावनकाणयो आजून याद उरल्यात. अशी ही कवीता, तीय प्राणप्रीय मनशाच्या काणयेची फाटभूंय आसा देखून याद उरपासारकी.

१९७९ सालांत 'मोरपाखां' कविताझेल्यांत आयिल्ली 'पिसोळ्याच्या पाखा' ही कविता आयज २००९ सालांत लेगीत भावता. २७ वर्सांचो काळ जो एके पिळगेचो काळ उलगलो तरी ती वाचकांच्या मनांत जिवी आसा.

कवी रमेशाच्यो कलात्मक अश्या सौंदर्याच्यो कविता आनी ही कविता हातूंत म्हाकां फरक दिसता. निसर्गाचो देखाव वा चित्राकृती पळयतकूच कलात्मक सौंदर्याचो आनंद मेळटा. जसो तांच्या मोरपाखां कविता संग्रहांतल्या कवितानी मेळटा. 'मोरपाखा' हे कवितेत गूढ अर्थय गावता. पूण पिसोळ्याच्या पाखा हे कवितेत ते परस चड अशें मेळटा. हे कवितेत भावनीक सौंदर्य आनी जिविताचें सौदंर्य लाभता. ताचेच वांगडा जिवितांतले निसर्गतत्व होलमता– जे उडून झडून वचपाचेच आसता. चित्र पळोवन भूक भागचे परस प्रत्यक्ष भूके वखतार हुनहुनीत रोस–शिताच्यो उणयो जेवल्याचो आनंद ही कविता दिता. जेवणाच्या रसायनात तुमची कूड पोसता, रसरसता, तशेतरेन जिविताचे रसरशीत मर्म ही कविता भेटयता. ताचो आनंद चड खरो. हातुंतल्यान जिविताची जाणीव जाता. जिविताची समज वाडटा. 'आरे संवसार संवसार। जसा तवा चुल्हावर आधी हातले चटके। मग मिलते भाकर।' ह्या बहिणाबाईंच्या कवितेत सर्वसामान्याक येवपी जिविताचें दर्शन घडटा तर हातूंत थोड्याच भाग्यवंतांक जावपी जिविताची वेगळी अनुभूती आसा. म्हणून हांव परत कानामनांत सादयतां.

पिसोळ्याच्या पाखा
उडोंऽ नाकां
उडोंऽ नाकां

दोळ्यांतुल्या दुका
झडों नाका
झडों नाका....

पिसोळ्याच्या पाखा
उडोन चल
उडोन चल
दोळ्यांतुल्या दुका
झडोन चल
झडोन चल....

परत परत याद जावपी आनी लोकवेदाच्या पांवड्यार पावल्ली ही कविता आमच्या सगळ्यांच्या काळजांत रुजत रावंदी.

❑❑❑

पॅकांतली बेनूल्ल

पसऱ्याच्या नाबीकडें हांव उबो आसलों. म्हज्या हातांत भुसारी सामानाच्या बिलाची चोपडी. ''कलाचंद्र म्हाका सामान दी मरे. दोन कील साखर, एक कील मूग, दोन कील गंव, अर्द कील च्या पावडर...'' हांव मांडकाराक सांगतालों. मदीच म्हजें उलोवप तोडीत ताणे सांगलें, ''ह्या दोन गिरायकांक पयली आवियार करतां. तांचे थोडें सामान.'' हांव थंय उबो आसल्यार पंदरा मिण्टां वयर जावन गेल्लीं. पसऱ्यार गर्दी आसली, पूण ही दोन गिरायकां म्हजे उपरान्त आयल्लीं. म्हाका वोगीच दिसलें– ही गिरायकां रोख पयशे दिवन सामान व्हरतात न्हय, आनी हांव म्हयन्याच्या कोतार. पगार मेळतकूच बिलाच्या चोपडेर बरयल्ले सामानचे पयशे एके गांठींन फारीक करपाचों. ताणे म्हाका बरोच वगत दवरलो म्हूण म्हाका वायट दिसपाक लागलें.

म्हाका मांडकाराच्या बापायची याद जाली. सचीत म्हाका इतलो वगत दवरीनासलो. तो थोडो वगत लायतालो पूण म्हजेकडें उलयतां उलयतां, हांगा थंयच्यो खबरी सांगता सांगता साखर, पीठ, रवो, तांदूळ हांच्यो पुडयो बांदतालो. तशेच मदी एक ल्हान गिरायक आयल्यार ताका सामान दिवन धाडटालो. म्हाका सामान दितकच म्हजे चोपडेर आनी आपले चोपडेर बिलाचे पयशे तारीखवार बरयतालो. तो सामानाचे पांच पयशे कमी घेयनासलो वा चड. पांच पयशे लेगीत गिरायकान दिवपाचे उरल्यार तो मतीत घट्ट दवरतालो. तसो तो हिशोबी.

सचीत दुयेंत जाल्यार चार म्हयने जावन गेल्ले. ताका काळजाचो आताक येवन गेल्लो. तेन्नासावन तो मांडार येनासलो. ताचो वीस वर्साचो पूत कलाचंद्र मांड चलयतालो. हाली तर ताच्या चल्यान आपलो वेपार वाडयल्लो. वेगवेगळ्या कंपन्यांचें नवें नवें पॅकबंद सामान तो होलसेलांत हाडटालो. दुकानाच्या भायर दोन रॅक दवरून ताचेर प्लॅस्टिक वस्तू दिसपासारक्यो मांडलेल्यो.

'हॅलो काळचंद्र' म्हजे फाटसून कोणेतरी उलो केलो. हांवें वळून पळयलें पळयत तर तो विक्रीकर खात्यांतलो अधिकारी. ताणे ताका कलाचंद्राचो 'काळचंद्र' केल्लो. 'आरे तूं सीएक मेळ्ळो मरे?' 'हय सर. गेल्या म्हयन्यांत ताका मेळ्ळों. ताणे हिशेब सारको जाग्यार घातला. आतां सेल टॅक्स खूब कमी भरचें पडटा. पयलीं इतलें ना. विक्री जाल्या ताचो कांय भाग दाखवपाचो. बाकीचें नोंदच करप ना.' अशें सांगून तो भितल्ल्या भितर हांसलो. त्या विक्रीकर अधिकाऱ्यान तर ताका पयलीच तसो सल्लो दिल्लो.

हांव सचीताकडे फक्त भुसारी माल घेवपाकच वचनासलों. केन्ना खास

गजाली मारपाक वयतालो. एक दीस होच अधिकारी ताका असो सल्लो दिवन वयतकूच तो म्हाका सांगपाक लागलो, 'पळयलें, हेच अधिकारी टॅक्स कसो चुकोवपाचो तें सांगता. सरकाराक आनी लोकांक कशें फटोवपाचें तें बेस बरे शिकयतात. पूण हांव तातुंतलो न्हय. थारयल्लो टॅक्स भरलो कांय हांव मेकळों. हांव लोकांकडल्यान टॅक्स घेतां तो सरकाराक परत दितां. म्हाका हे फटवणूकेच्या राटावळीत पडपाचें ना ! हांव इतलो तेप सचीताक वळखतालों. जरी तो पसरकार आसलो तरी तो म्हजो इश्ट जाल्लो. हांवें ताका म्हणले, 'खरें तुजें' 'जाणा मरे, ह्या दिसांनी खूब म्हारगाय जाल्या. म्हारगायेक लागून कांय वस्तूंक गिरायक ना जालां. मात् म्हारगायेक लागून विकप्यांकडें चड पयशे घोळटात. तातूंत तांचो फायद्याचोय वांटो वाडटा.' अशें फायद्याचें सांगपी हो एकलोच पसरकार.

फाटल्या स म्हयन्या पयलीं एक डिलर तेलाच्यो पोतयो आनी बाटल्यो घेवन ताचेकडे आयल्लो. एक लिटर सूर्यफुलाच्या तेलाचें मोल आसलें ९९ रुपया. 'ह्या छापलेल्या मोलाचेर ५ रुपया सूट' अशें लायल्लें लेबल काडून उडय.' अशें डिलरान सांगलें. आमचो जाण्टो पसरकार फक्त हांसलो. ताणे तशें केलें ना. तें तेल ताणे कमी केल्ल्या मोलाकच विकलें आनी हांव तें तेल घेवपी ताचो एक गिरायक आनी गवाय. तेलाची विक्री चड जावंची म्हूण कंपनीन ५ रुपया सूट दिल्ली. ते पांच रुपया विकप्याक न्हय. आनी तशे ते गिरायकाक न्हय. ते फक्त एक हांयस. कंपनीक चडांत चड फायदो मेळोवपाचो.

सचीत तसो प्रमाणीक. ताणे कोणाक फटोवना वा आपल्याकूच फटोवन घेवना. ताणे एका दुकानाचेर दुसरें दुकान घेतलें ना. आपल्या भुरग्या बाळांक मात वयर काडलीं. पूण हालीच ताच्या रगतांत कॉलेस्ट्रॉल वाडलें. ताका काळजाचो आताक आयलो. तो तशें तेल तूप चड खातालो. खंयच्या तेलांतलें नाका जाल्लें आनी नाका तितलें कॉलेस्ट्रॉल ताच्या आंगांत गेल्लें तें मात कळ्ळेंना.

हॉस्पिटलांतल्यान घरा येतकूच ताचे खबरेक हांव गेलों. जिवाच्या धोक्यातल्यान तो वाटावलो तरी ताका भिरान्त आसली. आपूण साठ वर्सांचो जाण्टोय जालां अशे म्हणून ताणे पसऱ्यार येवपाचेच सोडून दिल्लें.

ह्या दिसांनी वेपार-धंद्याक, सगळ्याकच मंदी आसली. तातूंत म्हारगायेचो उजो. म्हाल खपोवपाक धंदेकार, कंपन्यो वेगवेगळ्यो आट्टिको करताल्यो. कोणे म्हालाचें मोल देवयलें तर कोण खंयच्या खंयच्या वस्तूचेर फ्री वस्त दिताले. तेलाच्या, तुपाच्या पोतयांचेर, बाटल्यांचेर, पाकीटांचेर अमके अमके पयशे सूट अशी लेबलां लायल्लीं म्हाल येतालो. सचीताच्या पुताचो पसरो आमच्या घरापासून चलून फक्त दोन मिण्टाचेर. थंय वचपाची म्हाका संवंय. थंय हांवें पळयलें हीं

लेबलां काडून उडोवन पयलीच्या म्हारगायेच्या मोलान तीं ताचो पूत विकतालो. तशेच खंयच्याय सामानाचेर फ्री आसलेल्या वस्तू तो काडून दवरतालो. म्हाका हें बरेंच खटकलें. हांवें एकदां ताका विचारलें लेगीत. 'हो म्हाल पयलीचो' अशे म्हूण ताणे फट लेगीत मारली.

ह्या तेपार वेपारी कंपन्यो अर्द किल च्या पावडरीचें मोल तेच दवरताल्यो पूण अर्दकील पॅकांतली च्या पावडर ५० ग्रॅम कमी करून ४५० ग्रॅमाची पॅक दिताल्यो. तरी बरें ४२० ची पॅक दिनासल्यो. व्हड व्हड कंपनीनी फटींगपणा चलयल्यात आनी ती पसरकारांमेरेन पावयल्यांत. कांय जाणांचे 'असत्यम' उजवाडाकय आयलां.

गिरायकांक फटोवप, सरकाराक फटोवप, म्हालांत भेसळ करप, निकृष्ट म्हाल दिवप अशे तरेन फटोवपाचे प्रकार सगळीकडे चालू जाल्यात. मनशांच्या प्रवृत्तीतय वायट बदल जावपाक लागल्यात. मनशाच्या स्वभावांतच खोट आयल्या अशे म्हाकां परत परत दिसपाक लागलां. वायट गजाली मनशांच्या जिविताचो भाग जाला. सचीतासारकी खंयचीय एक व्यक्ती बरी आसली. आतां तर ताच्याच चल्यान वायट गजाली आपणायल्या. ह्यो वायट गजाली तो आपल्या पुराय जिवितभर करतलो. जिविताकच अशें लाशें लागलां.

हांव केन्ना केन्ना सचीताच्या चल्याच्या पसऱ्यार वयतालों. तेन्ना तेन्ना म्हाका मनस्ताप जावपाक लागलो. एके रातीकडे म्हाका चितून आयलें, ताच्या बापायक मेळचें आनी मांडावयल्या भानगडीविशी सांगचें. तशेच थोडे दीस तरी मांडार येवपाक लावन ताच्या हातासकयल पुताक काम करपाक लावचें. ताच्या हातासकयल काम केल्ल्यान बापायची परंपरा आनी बरे गूण ताच्यांत येंवये. तशेच पुताचेर ताची पारखी नदर उरतली. फाटले गिरायक तरी तिगून उरतले.

दुसरेच दीस सकाळी तोंड धुतालों. हातांतलो टूथब्रश पळोवन म्हाका फाटली याद जाली. हो ब्रश म्हाका टूथपेस्टीचेर मेळ्ळेलो. टूथ पेस्टीचो प्रायस वाडोवन त्या पेस्टीचेर कंपनीन हो ब्रश दिल्लो. हो ब्रश तेन्ना प्रामाणीकपणान आमच्या पसरकारान म्हजेकडे पावयल्लो. जेन्ना पेस्ट घेतलेली तेन्ना नाबीर बरेच गिरायक आसले. सचीतान पेस्ट दिली पूण ताचेर फुकट आसलेलो पूण वेगळो आसलेलो ब्रश तो दिवपाक विसरलो. हांवूय नकळों. पूण रातीकडे पसरो धांपून सायकलीन तो म्हज्या घराकडे आयलो आनी तुज्या पेस्टीवयलो ब्रश म्हूण ताणे तो दिलो. तो आनी हांवय हांसलो. हांव त्या ब्रशान आनी अचकीत भेटीन खोशी जालों. ताच्या प्रामाणीकपणान आनी म्हज्या घराकडे हाडून दिवपान हांव चड प्रभावीत जालों.

सकाळीच फुडें च्याबीन घेवन हांव सचीतागेर गेलों. ताणे म्हाका आपले कुडीत व्हेलो आनी आजून आपल्याक दुयेताचो भंय दिसता अशें उलोवन दाखयलें. तशें मुद्द्याचें रोकडेंच उलोवपाक म्हाकाच बरें दिसलें ना. तरी खबरी करतां करतां ताच्या पसऱ्याचो विशय काडलो आनी म्हणलें, आतां तुजो मांड आदलो उरूं ना. तुजो पुतूय तुजेभशेन ना. डिलर सांगता, सेल टॅक्स अधिकारी सांगता, आनी ताच्या मनाक दिसता तशें तुजो चलो करता.' फावा तो संदर्भ कळून एकाच धपक्यान ताका समजलें. ताचे दोळे बारीक जाले. तो खंती दिसलो. हांवें फुडें मांडले, 'ताणे तुज्या मार्गदर्शनान मांड चलयल्लो तर बरें जावपाचें. तूं थोडे दीस तरी मांडार यो. नाजाल्यार आदलें म्हजे सारकें गिरायक...' इतले उलोवन हांव वोगीच रावलों. आपणे केल्ल्यो नात असल्यो वायट गजाली आतां आपलो पूत करता तें कळून ताका लजशी जाली. दुःखान तो तिरमिरलो. मागीर तो मोनो कसो वोगी रावलो. तो किदें सांगता ते आयकूपाखातीर हांव उमळशिकेन ताच्या तोंडाकडे पळोवपाक लागलों. ताणे थरथरत सांगलें, 'हें पळय, हांव आतां जाण्टो जालां. तातूंत म्हाका ही काळजाची पीडा. आतां हांव मांडार वचपाक शकना. म्हजी पीडा बळत.' हें आयकून हांव वोगीच पडलों. ताच्या दुयेंताक लागून हांवेंय नेट लायलो ना. दुयेंत जिवितांत घर करता तश्यो वायट गजालीय जिवितांत वास करतात.

हांव घरा पावलो तसो परत चितपाच्या भोवऱ्यांत घुस्पलों. सगळ्याक अशें घडत आसताना तें सारकें करपाक हांव खंय खंय नाचतलों. फटींगपणा, वायट गजाली फाटल्या काळासाकून चलत आयल्यात. इतिहास काळांत राजांची बळीश्ट हुकूमशाय तर आयज मंत्र्याचो भ्रश्टाचार. बळीश्ट आसता तो चडसो दुर्बळाक सदाकाळ पिडटा.

म्हज्या स्वभावाप्रमाण म्हाका हें सोसना जालें. म्हाका दिसपाक लागलें– आंब्याच्या झाडाचेर बेनूल्ल वाडटा तशें सगल्याक जालां. बेनूल्ल वाडटा तशी तशी तिची मुळां आंब्याच्या रुखाच्या आंगार वाडत वयतात आनी आंगातय रिगतात. मुळां पसरत वता थंय थंय मुळांकच कोंब येवन आनीक बेनूल्ल मातता. तिका रंगीत निळी, जांबळी, गुलाबी फुलां फुलतात. ती रुखाक बादीकार जाता. ताच्या जिवाचेर ती नुस्त्यावयली लुचक कशी पोसता. आनी ताच्या जिवाचेर हावळ हाडटा. आतां तर ह्या पसऱ्यावयल्या पॅकांतय बेनूल्ल पावल्या. अशें जावंक फावना. ती बेनूल्ल काडपाक जाय, खोल खोल गेल्ल्या मुळां सयत. नाजाल्यार ती परत वाडटली. कॅन्सर सारक्या वा हेर पिडांचेर ऑपरेशन करून कुडीचोय खराब भाग काडून भायर उडयतात तेन्नाच त्या मनशाक बरें जिवीत जगपाक

मेळटा. पूण मनशाचे प्रकृतीत वायट वृत्तींची गेल्ली पाळांमुळां कसो काडटलो?

येवजितां येवजितां हो पसरो सोडचो अशें चित्तां आनी ह्याच विचारान हांव बदलतां. आयज रातीकडे ताचे सगळें बील फारीक करपाचें. सहकारी सोसायटीचें दुकान चलून अर्द वराचे वाटेर. जांव चलचें. थंय कडधान्य आनी हेर सामान सवायूय आसतलें. सोसायटीच्या मांडावयल्यान चडशें सामान हाडचें अशें थारायतां. म्हजे पुरतो तरी दुखण्याचेर उपाय केल्ल्याचो हुस्कार हांव सोडटां. बरें बाकीच्यांचे किदें? मात्सो वेळ वचत, पूण आपूण फटवतां हें कळून तेय शाणे जातले.

❑❑❑

मान आनी धन....

घराफाटल्यान बोवाळसो. थंय वचून पळयत तर दोन लमाणी बायलां उबीं आसलीं. जाण्टेलेच्या आंगार तांचो पारंपारीक आनी नक्शेचो घागरो आनी पोलको. तांचेर लिकलिकपी बारीक बारीक हारशे. दुसरे तरनाटे बायलेच्या आंगार सादो घागरो पोलको आनी खांदार ओडणी. तीं पोन्न्यो वस्तू आनी मोडकें फुटकें प्लॉस्टीक सामान व्हरपाक आयल्ली. म्हजी घरकान्न तांका पोन्न्यो वस्तू, प्लॉस्टीक बीन दाखयताली. तिणे त्यो सगल्यो एकठांय करून दवरलेल्यो.

म्हाकां पळोवन जाण्टे बायलेन 'पात्रांव' म्हण उलो केलो. ती बरेच फावट प्लॉस्टीक वस्तू व्हरपाक येताली. हांव तांका त्यो वस्तू फुकट व्हर म्हूण दितालों. विचार असो– ती व्हरता, निवळ जाता. प्लॉस्टीक एकीकडे पावता. रिसायकल जाता. नाजाल्यार त्या वस्तूंचो घरा कुशीक कोयर जावपाचो. ती गांवांतल्या घरांघरांतलें तशेंच व्हान्यार उडयल्लें प्लास्टीक आनी हेर सामान पुंजायता आनी वाठार निवळ राखता म्हूण हांव तांका मान दितालों. तें सोडूच, 'तुज्यो भयणी येयल्यात' अशें सांगून हांवें म्हजे घरकान्नीचीं फकाणाय केल्यांत. तीय फालां मारून म्हण्टाली, 'तुज्या मेवण्यांचें तुकां बरेंऽ पडलां.

उदकाच्यो बाटल्यो, भरण्यो, डबे, खुर्ची, पेनां, हुंदरानी मदी मदी खाल्लेली वायर, तिख्याचो कलमेल्लो कोयतो अशें सामान. हें सगळें एकठांय करून दवरलां म्हूण म्हाका म्हजे घरकान्नीचें कवतूक. हे खेपे ती त्या सामानाचें मोल करताली. हांवें तें फुकट दियत म्हूण तिणे म्हाकां म्हणलें, 'आमच्या मदी तूं पडूं नाका आंऽ. हांव वोगीच रावलों. तिणे तें सामान वीस रुपयांक दिलें. हांव जाल्यार तें सामान आयजूय फुकट दिवपाचों. तीं बायलां हें सामान स्क्रॅपवाल्याक विकून चार पयशे जोडपाचीं. हें मोडकें– फुटकें एकठांय करून दवरपी म्हजे घरकान्नीक दोन पयशे मेळ्ळयार कितें जालें? तिणे एकठांय करून कोयर जावंक दिलो ना. तिणेय हे प्रक्रियेक हातभार लायलो ना? तिणे पालव दिलोच तशेंच एकठांय केल्ल्या सामानाक थोडो तरी वालोर मेळोवन दिलो.

फाटल्या दिसांनी कळंगूटे वेळेर अशीच एक तरनाटी लमाणी बायल दिसली. तिच्या आंगार सादो घागरो–पोलको. पूण तिच्या हातांत बारीक बारीक नक्शी केल्लो तांबड्या कोराचो पोलको आनी घागरो आसलो. एका परदेशी जोडप्याक ती नक्शेची मुस्तायकी दाखयताली. परदेशी गोरी बायल तिका बरीच भुलून गेल्ली. तांचे उलोवप चलतालें. मागीर ते परदेशी बायलेन तिचेकडलो

घागरो-पोलको बऱ्याच मोलान विकत घेतलो. तांच्या वेवारांत ती लमाणी बायल आनी परदेशी बायल खोशी जाल्ली हांवें पळयलीं.

पर्यटकांनी हांगा थंय उडयल्ल्यो प्लॉस्टीक बाटल्यो वेळेर पातळलेल्यो. त्यो पळोवन म्हाका राग येता थंय आसा एक लमाणी भुरगो त्या उखलून आपल्या फाटीवयल्या साकांत भरतालो तें हांवें पळयलें. ह्यो बाटल्यो तो स्क्रॅपवाल्याक दिवपाचो. हो भुरगो आठ-धा वर्सांचो. किरकोळसो. ताका बाटलेफाटल्यान पन्नास पयशे मेळत आसले. पूण तो ते परसय चड मोलादीक काम करतालो. आमची भांगराळी वेळ निवळ दवरपाचें.

पणजे मांडवी पुलाकडे प्लॉस्टीक बाटल्यांचो यार्ड पळोवन म्हाका सदाच बरी देख मेळल्याचो अणभव येता. पणजेतल्यो उदकाच्यो रित्यो बाटल्यो हांगा एकठांय करतात. तेंय पणजेच्या प्रवेशदारालागीच. 'प्लॉस्टीक बाटल्यो एकठांय दवरात, हांगा थंय उडोवंक नाकात.' अशीच सगळ्यांक शिटकावणी मेळटा तातुंतल्यान. व्हल्यू ॲड जावपाक तशेच धोरण आंखलेल्यांचें म्हाका कवतूक दिसता. रित्यो बाटल्यो व्हरून दिल्यार त्यो एकठांय करपी मनशाक बाटलेफाटल्यान सादारण पन्नास पयशे मेळटात. ते पयशे पयलीच कारखानदाराकडल्यान आनी गिरायकांकडल्यान घेवप आनी मागीर दिवप. अशे बरे येवजणेतल्यान त्यो बाटल्यो जमयतात. खरें म्हणल्यार त्या रित्या बाटल्यांक तसो कांय वालोर ना. पूण पन्नास पयशे दिवन त्यो परत विकत घेतात. तातुंतल्यान कोयर जायना. त्यो परत रिसायकल करता. रिसायकल करून परत तेच वस्तूक मोल हाडपाचें हें एक बरें काम. अशें बरे येवजणेतल्यान आनी प्रक्रियेतल्यान मोल वाडटा. हें समाजाक बरें आनी परिसराकय.

भांगराक, पेट्रोलाक घेऽ म्हूण मोल. पूण आमचो जीव जगोवपी शेतकाऱ्यान पिकयलेल्या म्हालाक मोल मेळना. आयज वयल्या पांवड्यावयल्या उत्पादनाक दुपटेनी तिपेटीन मोल आसा पूण मुळाव्या उत्पादनाक ना. चड करून शेतपिकांक. खरें तर हो मनशांचो जगपाचो आनी उदरगतीचो मूळ आदार. तरी बरें कांय शेतपिकांक सरकार आधारभूत मोल दिता वा अनुदान दिता आनी शेतमालाचें मोलच न्हय लजय राखता. मोल मेळलेल्यान उत्पन्न वाडोवपाक उमेद मेळटा.

म्हाका दिसपाक लागलें- कामाक जशें मोल मेळूंक जाय तशेच दर एकल्याच्या कामांतल्यान खंयचेय गजालीक वा कामांक मोल येवंक जाय. तुज्या कामांतल्यान मोल वाडल्यार तुकाय किंमत येतली. शेतकाऱ्याच्या भाताक मोल आसाच पूण तें भात गिरणीर कांडून हाडटकूच तें रांदपाक योग्य अशें जावन ताचे

मोल वाडटा. हांगा गिरणीकारान आपल्या कामांतल्यान भाताचें मोल वाडयलें . भाताचे रांदून जेवपासारके तांदूळ केले. हे तांदूळ शिजयतकूच ताचे अन्न जाता, जिवाचें भरण पोशण करपी.

हालीच हांवें पोस्ट कचेरीकडे पळयल्लें. एक बायल परदेशी लोकांच्या सामानक कपड्यांनी बरें रेवडावन आनी शिंवून ताचें 'पार्सल' करताली. तें पार्सल पोस्टांतल्यान परदेशी धाडपाक फावा अशें आसतालें. अश्या नव्या कामाचे तिका पयशे मेळटाले. मोचेकार कोणाचें जोतें तुटल्यार लावन दितालो. तशेंच ताणे तयार केल्ली जोती अभिमानान विकतालो. त्या जोत्यांचो तो मोबदलो घेतालोच पूण वापरपी मनशाच्या पायांची राखण करता करताच ताच्या पांयांपोदां उंचाय दितालो– अजाणतां त्या मनशाक अपलिफ्ट करतालो.

म्हजो शिंपी तसो सादो. पूण ताचो ॲटीट्यूड वेगळोच. कोणाचेय कपडे शिंवून दितना ताच्या आंगाक कशे सोबतले ते तो पयलीं पळयतालो. ते प्रमाण तो शिंवतालो. हांगा आपले कळाशीचो मोबदलो तो घेतालोच पूण ताचे कपडे शिवपाचे नदरेचो आनी ताचे वृत्तीचो लोकांक फायदोच जातालो. ताका पयश्यावांगडा रेस्पेदय मेळटालो.

म्हजी नदर तर सदाच अशी:– कामांतल्यान धन आनी मानूय मेळपाक जाय. म्हाकाय आनी दुसऱ्यांकूय. हेच खातीर हांव बारीक लोकांकडे चड करून मानायांकडे लेगीत वागताना उणाकपणान वागना. तांकां हांव फावा तो मान दिताच आनी तांच्या दिसवड्या भायर च्यावेक म्हूण पयशेय दितां. आनी खरें म्हणल्यार तेय म्हजें काम बरेंच करता.

दोतोर, सिनेकलाकार, नाट्यकलाकार हांकां हांव भाग्यवंत लेखतां. तांका धनावांगडा मानूय मेळटा. दोतोर मनशांचे पिडेचेर उपाय करून बरो करता. पिडेन न्हिदून पडलेल्या मनशाक उठयता आनी उबो करता. कलाकार तर आपले कलेन लोकांची मनरिजवण करतां करतां कलात्मक आनंद भेटयता. साहित्यीक तर नवनिर्मणेचो कलात्मक अणभव दिता दितां जिणेचें दर्शन घडयता आनी केन्ना केन्ना जिविताविशी तत्वज्ञान सांगता. हें सगळें समाजाक उभारी दिवपी. तांचे कृतीचो समाजाचेर बरोच प्रभाव पडटा. तातुंतल्यान तांका धना वांगडा भौमान मेळटा. अशें धना वांगडा मान वा माना वांगडा धन मेळप चड खोशेचें आनी संपन्नतायेचें. मान आनी धन एकाच नाण्याच्यो दोन वटो जावन येता तेन्ना तें नाणे उमेदीन बोल्सांत उडोवपाची कळाशी आसची पडटा.

मनशांक कोण मान दिता? मनशांच. धन कोण दिता? मनशांच. मान

दिवपी आनी धन दिवपी मनशां आसतात. मागीर मनशां जोडूंक कळ्ळ्यार हें सगळें आपशीच जोडून येतलें न्हय?

एक दीस हांवें मानायाक आफयलो. घराभोवतणचें पावसांत वाडलेलें तण काडपाचें आसलें. तण काडटां काडटां पातीची दोन ल्हान झाडां हुमटून ताणे उडयलीं. त्या सुवासीक पातीच्या झाडांक तो वळखूं नासलो. म्हजे घरकान्नीन ताका तापयलो. ताका तें लागलें. आपलो अपमानसो दिसलो. सांजवेळ मेरेन बरेच काम जालें. दुसरे दीस काम उरलेलें, दिसवड्याचे पयशे दितना ताका १६० रुपया दिले आनी उरलेले ५० रुपया दुसरे दीस दिता म्हूण सांगलें–, तो दुसरे दीस कामाक येवचो म्हूण. दुसरे दीस सकाळी आमी ताची वाट पळयली. बरोच वगत जालो तरी तो आयलो ना. आमचें काम तशेंच उरलें. ताका तापोवन ताचो अपमान जाल्ल्यान तो येवंक नासलो. ताचे ५० रुपयाय आमचेकडे कडू याद कशे उरले.

म्हजेयविशीं एकदां अशेंच घडलें. हांव एके व्हडले संस्थेचो ल्हान पदाधिकारी आसलों. ते संस्थेत रावन म्हाका कसल्याच मानाची अपेक्षा नासली. पूण ते स्वयंसेवी संस्थेतले जापसालदार व्यक्तीन म्हजो अपमान केलो. तशेच म्हजे नवे विचार मातूय आयकले नात. मागीर हांवें ते संस्थेतल्यान हळूहळू आंग काडलें. ते संस्थेक एक सांगाती नाजालो आनी म्हाकाय ते संस्थेतल्या कांय बऱ्या मागप्यांचो सांगात.

मान–अपमान हें एकामेकांचेर निबून आसता. एकमेकांक समजून घेत तर अशें जावंक शकना. आं, मात सेवाभावी संस्थेत आमी काम करताना मान मेळटलो हाची अपेक्षा करप समा जावंचे ना. मात् अपमान जावंक जायना. तातुंतल्यान मनशां एकामेकांपासून तुटतात.

हांवें ते संस्थेकडे कमी संबंद दवरले तरी ते संस्थेतल्या मनशांकडे संबंद मात तशेच दवरल्यात. गुपीत धन सांबाळचे तशे हे संबंद सांबाळल्यात... मनशां जोडून दवरल्यांत.

दुदाचें धंय जाता. धंयाचें लोणी जाता. लोण्याचे तूप जाता तशें खंयचेय गजालीचें जांवचें. दूद फुटून भंगून वच्चें न्हय. ताचेर बऱ्यो प्रक्रिया जावन ताचेर एकार एक मोलादीक बदल जायत रावचे. बऱ्यो प्रक्रिया जाल्यार ताचे परिणाम बरे जातलेच. हांव ह्या बऱ्या प्रक्रियांक आनी मनशांवयल्या तांच्या परिणामांक म्हत्वाचें मोल दितां.

म्हजे जिवितांतले फाटले एके घडणूकेची याद जाता. ती एक म्हाका

स्फूर्त देणी. हांव तेन्ना नवो तरनाटो. आकाशवाणीच्या युवावाणी कार्यावळींत हांव कविता सादर करतां. त्या कार्यावळीचे म्हाकां २२ रुपया ५० पयशे मानधन मेळटा. पणजेतसून घरा येतना हांव म्हजे आवयक (मावशीबायक) णव वारी कापड हाडटां. ती तें स-सात म्हयने न्हेसता. मागीर, ती आपले आनीक एक कापड घालून गोजडी मांडटा. ती शिंवपाक तिका सात-आठ दीस लागता. मोव गोजडेक सगळ्या आंगाक बुटेकशी लांब-वांटकुळी वांटकुळी शिंवण सुयेसुतान केल्ली आसता. ती गोजडी शिंयाच्या दिसांनी म्हाका दिता. ती कांबरून हांव गुठली मारून न्हिदतां.... गोजडी ऊब दिता... मायेची ऊब. ही मायेची ऊब म्हज्या जिविताचें मोल आजुनय वाडयत आसा.

❑❑❑

फरासीक दुर्गाकुशीक...

घराभायर आंगणांत पांच-स भुरगीं खेळटालीं. सुटयेचे दीस म्हणटकूच दीसभर खेळ बोबाळ चालूच आसतालो. भुरगीं खेळटां खेळटां झगडपाक लागलीं. रोकडीच एकामेकांक तिवल्यो बावल्यो करपाक लागलीं. एकलो दुसऱ्या दावखुऱ्या भुरग्याक चाळोवंक लागलो, 'दावखुऱ्याचें गिरगिरें पणजेचें खाजें!' दुसरो ताका पडलेल्या नांवावयल्यान 'सोरोप सोरोप' म्हूण चाळोवंक लागलो. तांचे अशें एकामेकांक चाळोवप, खेळप चालू आसलें. हांव जरी घरांत बसलेलों तरी म्हजे लक्ष तांचेकडे आसलें. तांचे उलोवप आनी हेर आवाज म्हज्या कानांनी पडटाले. खोल खोल बांयतल्या उदकांत गुणो पडचो आनी ताचेर वांटकुळी ल्हारां येवची तशीं म्हज्या मनाचेर ल्हारां येतालीं, आनी म्हज्या भुरगेपणांतल्यो यादी झरीकश्यो उमाळून येवंक लागल्यो.

वडाच्या पोदां आमी खेळटाले. कोण रडी खेळ्ळे वा झगडले जाल्यार आमी एकामेकांक चाळयताले. 'मोन्या मोन्या पाव, शिल्ली भाजून खाव । एक शिल्ली करपाली, मोन्याची बायल चिरपाली!' अशें हांव शेजारच्या मनूक म्हणीत जाल्यार तो म्हाका मारपाक म्हज्या फाटल्यान लागतालो. तोय मागीर म्हाका किदेंतरी म्हणून चाळयतालो. तशेच कोणाकोणाक लंबूशेणी, दोमळो, कासव, बुरांटो, भाणकचो अशी नांवां पडलेली आसतालीं. चाळोवपाक भुरगीं त्याच नांवाचो उदोउदो करतालीं.

एक दीस आमकां एक नवो मनीस चाळोवपाक मेळ्ळो. तोवूय बरोच जाण्टो. पंचेचाळीस-पन्नास वर्सांचो. उंच पूण आंगात शिडशिडीत. आमी भुरगीं रस्त्यार लोपयांनी खेळटालीं. रस्तो तांबडो. डांबरी जावंक नासलो. इतल्यान एक लांबसो काळो मनीस रस्त्यावयल्यान धांवत आयलो. वयल्या वाड्यावयल्यान सकयल्या वाड्यावयल्या देवळाकडे. थंय तो रस्त्यार उबो रावलो. आनी किदें सांगल्यावरी हात हालोवन कुरू करपाक लागलो. मात्सो रावन, ताणे देवळाकडल्यान वयल्या वाड्यावशीन फुज्र्यो काडल्यो. तो असोच सदाच धांवतालो, अजाण भुरग्यावरी.

तो धांवत येवन देवळाकडच्या दुर्गाकुशीक उबो रावतालो. तो केन्ना बसलेलो आमी पळयलो ना. ताच्या आंगार निळीशी पँट आनी निळोसो शर्ट, गॅरेजीत काम करपी घालतात तसोसो. ताच्या शर्टाक बुतांव नासले. ताचो गळो ते पोट मेरेन उक्तें. गळ्यांत चौकोनी बेंतीन काळ्या दोऱ्याक हुमकळटालो; ताका लागून वायट देवचारापासून राखण जातली खंय. दाव्या पांयावयली पँट धोपरामेरेन दोडलेली.

पॅंटीचो एक पांय सकयल आनी दुसरो पांय वयर ह्या भेसांत तो आमकां मजेशीर दिसतालो.

चार पांच दिसानीच आमकां कळ्ळें ताचे नांव फरासीक म्हूण. ताचे खरें नांव आसलें फ्रांसीस. वयल्या वाड्यावयल्या जेरॉनागेर तो येयल्लो. तो जेरॉनाचो मामा. तो आपल्या घरा आवटेपणा करता म्हूण जेरॉनाच्या आवयन ताका आपल्यागेर हाडलेलो. तो शिरवडें गांवचो. जेरॉनाचे मांयपरस तो व्हडलो. ताच्या घरा आनीक कोण नासले. तो एकटोच. तातूंतच ताका जाण्टेपणांत पिशेपण येयल्लें. तो सदाच आबूज पाडूक कसो धांवतालो. आपले मदीच उलयतालो आनी मुरगट्टालो. आमी भुरग्यांनी ताका असो सात–आठ दीस पळयलो. मागीर एक दीस आमच्या भुरावळीतल्या एका भुरग्यान ताका म्हणलें, ''फरासीक दुर्गाकुशीक'' एकल्यान म्हणल्या बरोबर दुसऱ्या, तिसऱ्यान अशेंच म्हणलें. मागीर सगळे मेळून ताका चाळोवंक लागले, ''फराशीक दुर्गाकुशीक, फराशीक दुर्गाकुशीक'' भुरग्यांनी चाळयलो तरी तो वोगीच रावतालो. मात् भुरग्यांचे कोलेकुयेचो आवाज वाडलो तसो तो परत उक्त्या पांयान धांव मारतालो.

तो धांवत येतकच आमी ताका चाळोवप. मागीर तो धांवत परत वचप, अशी सदचीच गजाल जाल्ली. सकाळच्या वखतार तो आमचे शाळेकडे येतालो. वयल्या वाड्यावयल्या मंडपांत आमची शाळा भरताली. जेरॉनय म्हजे वांगडा तिसरेंत शिकतालो. तो म्हजे कुशीक शिमिटाचे जमनीर बसतालो. म्हजे परस तो पिरायेन व्हडलो. आसतलो बारा वर्सांचो. तो भावूक आनी गंभीर स्वभावाचो.

मदले सुटयेत भुरगे खेळटाले. इतल्यान फरासीक धांवत येवन थंय उबो रावलो मागीर मोन्यानी हातानी कुरवो करपाक लागलो. तेन्ना सगळे भुरगे ताच्या भोवतणी जमले. जेरॉनय आमच्या वांगडा आसलो. मोटेल्या एकनाथान फरासीकाक चाळोवपाक सुरवात केली. तशी शाळेतली सगळीं भुरगीं ताका चाळोवपाक लागलीं. ''फरासीक दुर्गाकुशीक, फराशीक दुर्गाकुशीक'' कोणेतरी आनीक वळ जोडली, ''... वाग लागला तुजे फाटीक.'' बरो वगत चाळोवप चलतालें. उपरान्त ताणे धांव मारली बद्द घरामेरेन. जेरॉन हें पळयतालो. आपल्या मामाक चाळयता म्हूण ताका तिडक माल्ली. मोटेल्या एकनाथाच्या आंगार तो घुरघुरोन गेलो आनी ताका मारपाक लागलो. मागीर दोगांचीय बरीच लुंडामुंड्डी जाली.

दुसरे दीस मदले सुटयेत फरासीक येयलो तेन्ना मोटेल्या एकनाथान जाका आमी मोटेलो म्हण्टाले ताणे ताका चाळोवपाक सुरू केलें. वांगडा बाकीच्यानीय साथ दिली. आदले दिसाची गजाल जाणा जावन हांव पयस रावलों. म्हयनोभर तांचो

चाळोवपाचो शिगमो चलतालो.

एका म्हयन्या उपरान्त जेरॉन सात–आठ दीस शाळेत येयलोच ना. म्हजे कुशीक बसतालो म्हूण गुरुजीन म्हाका विचाल्लें, 'जेरॉन कित्याक येंवना? तो दुयेंत आसा?' कोणे तरी एकल्यान सांगलें 'तो बरो आसा' म्हूण. ते बरोबर ताका घराकडल्यान शाळेंत हाडपाक गुरुजीन दोन गड्यांक धाडले. हांव एक आनी दुसरो मोटेलो एकनाथ. ते वेळार शाळेत येयनासताना रावता तांका धरून घेवन येवपाक अशे गडे धाडटाले. हांव आनी मोटेलो तांगेर गेले. जेरॉन आमकां पळोवन घरांत वचून लिपून बसलो. आमकां पळोवन ताची मांय दारांत येयली. ''जेरॉनाक शाळेत व्हरपाक येयला.'' आमी वोर्रान सांगलें. ते बरोबर ती म्हणपाक लागली, ''तुमी शाळेतली सगलीं भुरगीं तेच्या मामाक चाळयता मरे? तुमी चाळयता म्हूण तो शाळेत वचना''. हें आयकून आमकां दोगांय जाणाक शेळो घाम सुटलो. आमी रित्या हातान आनी मोन्यानी शाळेची वाट धरली. वर्गांत भितर सरतांच गुरुजीन विचारलें, ''जेरॉन खंय आसा रे?'' आमी वोगींच भूत लागलेल्या भशेन. परत जेन्ना गुरुजीन विचारले आनी आमच्या उक्त्या पायांच्या पोंवठार बडयो पडल्यो तेन्ना आमी कळवळ्ळे. मोटेलो वोगीच रावलो. पूण हांवें सांगलें, ''आमी भुरगीं जेरॉनाच्या मामाक चाळयता देखून तो शाळेत येयना?''

''कोणाक रे ? त्या फ्रांसिसाक रे?''

''हय फरासीकाक''

''सगळीं भुरगीं. चेडवां लेगीत''

''कोण कोण तें नांव सांग.''

हांवें मोटेल्या एकनाथासयत चारपांच चेड्यांच्या तशेच दोन चेडवांच्या नांवांची फुगेट लायली; तीय भियेभियेत. गुरुजीन वर्गांतल्या सगळ्या भुरग्यांक उबीं केलीं. हात फुडे करपाक लावन सगळ्यांच्या हातांचेर सटासट बडयो मारल्यो. मागीर तो मोटेल्याच्या फुड्यांत गेलो. दोनय हातांनी कान धरून एका पांयान उबो रावपाची शिक्षा ताका दिली.

मोटेलो एका पायान उबो रावलो. वर्गांत चूप्प शांतताय. गुरुजीन बाकीच्या भुरग्यांक पुस्तक वाचपाक लायलें. कोणाचें लक्ष वाचपांत नासलें. तें आसलें मोटेल्याकडें. बरोच वगत उबो रावला थंय मोटेल्याचें कलसांव सुटलें आनी धोपरामेरेन पावलें. तशी सगळी भुरगीं हांसपाक लागलीं. गुरुजीय हांस हांस हांसलो. मोटेल्यान लजेन मान सकयल घातली. मागीर गुरुजीन ताका आपल्या जाग्यार बसपाक सांगलें. मस्तेपणा केल्यार गुरुजी खूब मारतालो. भुरगीं मागीर आठ आठ दीस शाळेत

पांय दवरिनासलीं. शाळा सकाळसांज भरताली. ते दीस दनपारां शाळा भरतकूच गुरुजीन दोन काणयो सांगल्यो. काणयो आयकून माराची दूख आमी विसरले. मागीर गुरुजीन मोटेल्याक माकडाची, हत्तीची नक्कल करपाक मुद्दाम सांगलें. हूप्प हूप्प आवाज करून उडयो मारीत माकडाची नक्कल करताना आपलो कुलो माकडाभशेन खरपूपाक तो विसरलोना. माकड जावन चाळोवपाक तर तो फिशाल. दाव्या हातान उजव्या कानाक धरून उजव्या हातान हत्तीची सोंड करताना 'आडांग्याचें मडें पादत वयता' तशें ताणे सोंडयेन दोग भुरग्यांचे कान वोडपाचें सोडलेंना. भुरगीं हांसलीं. वातावरण बदल्लें. मात जेरॉन दनपारचोय शाळेत येवं नासलो. दुसरो दीस, तिसरो दीस अशे बरेच दीस गेले. जेरॉन शाळेत आयलोना. म्हजे कुशीकची ताची बसपाची सुवात खूब दीस तशीच रितीच उल्ली.

तीन म्हयन्यांनी फरासीक रस्त्यार दिसलो ना, तेन्ना कळ्ळें जेरॉनाची मांय फरासीकाक आनी जेरॉनाक घेवन तिच्या कुळारा शिरवड्यां गेल्या. आयकून म्हाकां वायट दिसलें. आमी भुरग्यांनी फरासीकाक चाळयलो म्हूण जेरॉनाचें मन दुखावलें. ताणें शाळा सोडली आनी आतां गांवघर सोडलें. हें चित्तना म्हाकां भितरल्या भितर खावपाक लागलें.

घराभायर आंगणांत भुरग्यांचे चाळोवप, किर्रवप चालूच आसलें. नांवावयल्यान चाळोवप जावन कोण तरी गांवाचेर पावल्लो. आपल्याक आपल्या गांवावयल्यान चाळयता म्हूण कोणतरी सोयरो भुरगो रडपाक लागलो. भुरग्यांचे म्हूण चड जाल्लें. भायर येवन हांवें त्या भुरग्यांचेर मास्तर कसो धेकणो घातलो. ते बराबर चाळोवपीय वोगी रावले आनी रडपीय.

हांव चित्तां. कितलीशीच वर्सां गेलीं तरी भुरग्यांचो स्वभाव तसोच उरला. आदल्या भुरग्यांचो स्वभाव आनी आतांच्या भुरग्यांचो स्वभाव बदलूना. मात परिस्थिती बदल्ल्या.

म्हाका फरासीकाची आनी जेरॉनाची याद येत रावता. फरासीक तसो मानसीक नदरेन सीक पूण कोणाक त्रास दिनासलो. पूण आमी भुरगे चाळयताले. चाळोवपांत दुसऱ्याक त्रास जातालो आनी आमी मात आनंद घेताले. मजा लुट्टाले... आनी आतां म्हूण ही वृत्ती जाण्ट्यांमदी चलत येवंना तर ? ही वृत्ती... स्वभाव भुरग्यांमदीं आनी जाण्ट्यां मदीय आसा. मागीर आपूण बरे म्हणपी दुसऱ्यांक चाळोवन खोस मनोवपी आमी मनीस सीक न्हय तर?

भुरग्यां मदलो चाळवपाचो गूण फुडें बळावता कांय? जावं येता. ताचे रूप बदलून माकड चेष्टा करपाचेर तो पावूं येता. कॉलेजी येत्या पावसांत सुरू जातल्यो.

थंय नव्या भुरग्यांक सिनियर भुरगे हे ना ते तरेन रॅगींग करचेनात तर? सिनियर भुरगे म्हणतात- नव्या भुरग्यांक आमची वळख जावंची म्हूण आमी हें करतात. तातूंत कांय ना. आमी नव्यांक माकडाची नक्कल करपाक लायतात. तांच्यो वस्तू लिपोवन तांकाच सोदपाक लायतात. चलयांची मुस्तायकी घालपाक लायतात. एक प्रकारचो खेळ तो ! अशे म्हणपी केन्ना केन्ना आपल्या नव्या सांगात्यांच्या मनाचो विचार करीनात. तांकां हॉस्टेलांतले संडास धुवपाक लायतात. तर केन्ना हॉस्टेला भायर न्हिदपाक लायतात. जमनात त्यो नकलो करपाक लायतात. हातुंतल्यान तांची मानसीक आनी शारिरीक सतवणूक जाता. रॅगिंगांत चलयोय फाटी रावनात.

फाटी देशाचे राजधानयेत एकल्यान रॅगिंगाच्या प्रकरणांत आत्महत्या केली. तेन्ना सगळे जागे जाले. रॅगिंगा आड कायदो करपाक जाय अशी चर्चा जाली. रॅगिंगाची व्याख्या थारना जाली. तरी कायदो जालो. तो चालीक लागता ना लागता तसलो. मनीस स्वभावाचेर कायद्यान नियंत्रण येंव येता?

हालीं अखील भारतीय नाचाचे टिवी माळेंत लोक नाच पळयताले. वेगवेगळे नाच. मनाक थरार करपी नाच. पूण तेच माळेत एका निवेदकाक कासव जावपाक लायलो. तो माचयेर न्हिदून कासव जाता. तो कासव कसो हात ल्हान करता आनी हातपांय हालयता. आनी आमी सगले टिवी पळोवपी लोक व्हडल्यान हांसतात. हें जें चाळोवपाचें... टिजींग करपाचो स्वभाव आमच्यात खंय तरी भितर आसा आनी तो दुसऱ्याक चिमटो काडून सुखावता. सर्कशितले जोकर तर आपूण लागमाडी मारून पडून घेवन, दुखापत करून दुसऱ्याक हांसयता. दुसऱ्याच्या पडपाचेर, दुसऱ्याच्या दुखपाचेर, दुसऱ्याच्या दुःखाचेर आमी हांसतात. दुसऱ्याच्या दुर्बळकायेचेर, कमीपणाचेर आमी हांसतात. सूख अणभवतात. हो तर मनशाचो स्वभाव खूब पयलीसावन चलत आयला. आमकां फरासीक मेंटल सीक दिसता. आमी आमकां मानसीक नदरेन सीक दिसनात. केन्ना केन्ना ह्या आदीम स्वभावान मनीस दुसऱ्या मनशाच्या दोळ्यांत दुकां हाडटा तर केन्ना आपूण आपल्याक हांसयता.

❑❑❑

प्युवर म्हौंव आनी गुरुजी

कॅन्टीनांत हांव खुर्चेर बसलों. च्यावेची ऑर्डर दिली आनी वाट पळोवंक लागलों. कॅन्टीन बाजार समितीच्या कचेरीकडे आनी बाजारालागीच. आयज शुक्रार. बाजाराचो दीस आसलेल्यान बाजार करपाचो लोकांचो मूड.

एक जाण्टो मनीस कॅन्टीनांत आयलो. आसतलो पासस्ट–सासस्ट वर्सांचो. काळसर रंगाचो. आंगार पोन्नें धवसार शर्ट आनी काफयेकोराची पॅन्ट. जाण्टेपणांत ताचो पांय मात्सो वोडटालो. ताणे आपल्या दशांच्या पोतयेतल्यान दोन ल्हान बाटल्यो काडल्यो. मागीर म्हौंव जाय कांय म्हण ताणे म्हाका विचारलें. विदेशी सोऱ्याच्या पोन्न्या बाटल्यांत तें म्हौंव आसलें. हांवें पळयलें ना पळयलेंशें केलें. तो फुडें गेलो. दोन तीन टेबलांकडल्या लोकांक ताणे विचारले. एका वोर्राद मनशान त्यो बाटल्यो हातांत घेतल्यो. बाटल्यांच्यो गुड्ड्यो उगडून ताणे तांचो वास घेतलो. ते बराबर म्हौंवकारान सांगलें, ''सायब, प्युवर म्हौंव. कोनग्या म्हौंवामुसांचें. बरें वखदी. झाडाचे धोलीत करता तें. पोळ्याचें न्हय. पोळ्याचेंय म्हौंव आसा... व्हडले बाटलेंत. सातोळें.... व्हडल्या व्हडल्या पोळ्याचें म्हौंव. रानांतल्या रुखांवयल्या खांदयांचेर व्हडलीं व्हडलीं म्हौंवा पोळ्यांची मालीं आसतात... हें लोड्यांसाकून हाडलां.''

तो वोर्राद मनीस म्हौंवाच्या गोड वासान खोशी जाल्लो दिसलो. ताणे तें आरते परतें केलें. पूण ताणे कांय ना सांगतां परत दिलें. आनीक दोगांनी तें म्हौंव पळयल्यासारके केलें पूण कोणेंच घेतलें ना. तें गोडाची दाट काकय आनी इल्लें खरें म्हौंव हांचे मिस्तूर आसूंये असोसो तांका दुबाव.

तो थंयच फेरी मारून म्हजेकडे परत आयलो. मदी म्हजी च्याव घेवन जाल्ली. म्हाका ताणें म्हणलें, ''हें बरें म्हौंव. वखदी. भुरग्यांक बरें. प्युवर म्हौंव.'' ताका हांवें आनीक नियाळ्ळो. ताणें कांय रानांतल्यान हें म्हौंव हाडूं नासलें. तो विकतालो. ताचेकडली ल्हान बाटली घेतली आनी म्हौंव पारखूपाक लागलों. म्हौंवांत फेस आयलो आनी थोडी म्हेळय. तशें तें फिल्टर म्हौंव नासलें. बाटलेची गुड्डी उगडून पयलीं हुंगलें. मागीर लांब वास घेतलो... म्होवाचो परमळ आनी म्होवाचीच रूच. तातूंन हांव सुखावलों. पूण रोकडीच म्हाका फाटली याद जाली... फाटी हांवें बाजारांत म्हौंव घेतलें... ते मिस्तूर आसलें. तातूंत गोडाची काकय चड. तें हांवें तशेंच भायर वोतयल्लें.

हांव चित्तां हे पळोवन ताणें फुडें सांगलें, ''हांव गुरुजी, हांव पर्येचों. भुरगीं

म्हाका वचू नाका सांगता... तरीय हांव विकपाक येतां. वळखीचे लोक घेतात. हांव लोणचेंय हाडटां.''

म्होंव प्युवर हें खातरेन कळपाक जाय म्हूण ताणें आपूण 'गुरुजी' म्हूण सांगलें. गुरुजी एक आदर्श. बरो मनीस. प्रमाणीक मनीस. तो केन्ना फट उलयना. तो विद्यार्थ्यांक घडयता. संस्कार दिता. लोकमानसांत ताची बरी प्रतिमा आसा. अशे लोक खूब कमी जाल्यात. पूण हां, अशे मनीस वा खरेपण तुमच्या सामखार येता तेन्ना एक साक्षात्कार जाल्ल्याची खोशी जाता. खऱ्या म्होंवाचेर गुरुजीन आपली 'म्होर' मारलेली. म्होंवच आतां अदीक म्होवाळ-मधूर जावन ताचो खास परमळ नाकांत भरतालो.

हांवें कोनगें आनी सातोळें अशें दोनय तरांचें म्होंव घेतलें. म्होंव ल्हान भुरग्यांक थंडेक बरें आनी पुश्टीक. म्होवां मूस तरातरांच्या फुलांगळ्यांतल्यान म्होंवाचे कण पुंजावन हाडटात आनी जाळयेजाळेच्या पोळ्यांत राखून दवरतात. म्होंवांमूस म्होंव चिवून घेतात आनी फुलांक परागीकरणान सुफलीत करतात, परत रसभरीत करपाक. म्हाका भुरगेपणांतली याद... शेतांत पांचव्या तुमयाची ल्हान ल्हान झाडां. तांचेर बारीक बारीक धवी फुलां. तांचेर इल्ले इल्ले काळे म्होंवांमूस भोंवतात. आनी भुरगीं तीं धवीं तुमयाफुलां हळूच काडून तांच्या देठांतलें जाय जायशें म्होंव चोखतात... म्होंव चड खाल्ल्यार लागता. मांडे लागता.

हांव म्होंवाचे गुंगितल्यान भायर सरलो. म्होंवाचे पयशे दिले. हांव म्होंव घेतां तें पळोवन दोग जाण आमच्या फुड्यांत आयले. 'भुरग्यांक बरें' म्हण ताणी एक एक बाटली घेतली. ताणी तें भुरग्यांखातीर घेतलां कांय म्होंवाच्या रुचीन आनी वासान? रोकडेच कचेरीतले ताचे वळखीचे गिरायक आयले आनी ताचें तें म्होंव रोकडेच खपलें.

तशें तें म्होंव म्हाका सवाय पडू नासलें. आनी खरी बरी वस्तू सवाय घेवपाची अपेक्षा बाळगप उजू न्हय. बरी वस्तू योग्य मोलाकच घेवंची लागता.

मागीर म्हज्या मतीत ती गजाल परत झगझगली. गांवगिऱ्या जाण्ट्या म्होंवकारान आपूण 'गुरुजी' म्हूण सांगलें. तसो ताचो म्हाल बरो खपूं लागलो. ताणे 'गुरुजी' ह्या नांवाचो उपेग केलो. तोय मार्केटींगांत. हें समजतकूच म्हाका अजापाचो धक्को बसलो. ताणे तर 'गुरुजी' ह्या नांवाचे ब्रँड केल्लो. कंपनी वा वेपारी आपल्या गिरायकाक म्हालाची खातरी दिवपाक म्हाल दर्जेदार आसा हें सांगपाक कंपनीच्या सिम्बोलाचो वा ब्रँडाचो उपेग करतात. तर कोण ISI मार्काचो. तसो ह्या गांवगिऱ्या मनशान 'गुरुजी' ह्या नांवाचो ब्रँड कसो उपेग केल्लो. आनी तोय सहज. 'हांव गुरुजी.

हांव फटोवपी न्हय. तें म्होंव प्युवर...शुद्ध,' हें सांगपाक.

रिटायर्ड जातकच जाण्टेपणांत बेकार बसचें पडटा. वा पेन्शनांत व्हड कुटुंबाचो खर्च भागना. हे खातीर बरेच शिक्षक वेपार धंदो करतात. कोण खिसमीस विकतात, कोण स्टॉलार पेपर, पुस्तकां विकतात. आनीक कोण आनीक किदें. अशे तरेन बारीक मोठो वेपार करतात. बरें तें. ते कामांत उरतात, चार पयशे हातांत घोळटात. आरोग्य बरें उरता आनी चड दीस बरें जगपाक मेळटा.

हें जालें त्या गुरुजीचें जे सादेसरळ आनी आदर्श शिक्षक आसले. पूण ह्या तेपावयले कांय शिक्षक जांका आमी सर म्हणतात ते तशे आसात व्हय? खूब जाण आसातय. पूण कांय शिक्षक नोकरी करतानाच चड पयसो करपाक मार्केटींग आनी वेगवेगळ्या धंद्यांत घुस्पल्यात. मार्केटींगांत आपलो म्हाल उणाक दर्जाचो आसलो तरी तो बरो म्हूण दुसऱ्याच्या तकलेर मारतात वा तांकां तो मारचो पडटा. जेन्ना शिक्षकाचें आनी मार्केटींगाचे अशीं दोनय कामां परस्पर विरोधी आसत आनी ती दोनय कामां एक मनीस करता, तेन्ना शिक्षकी पेशाचें अवमूल्यन जांव येता. पूण आतां समाज आनी मनीस खुबच गुंतागुंतीचो जावपाक लागला. हां, मात् त्या रिटायर्ड गुरुजीन सांगलें 'हांव गुरुजी' म्हूण, तेन्ना ताच्या नांवाक वजन आसलें आनी कामाकय मोल.

हाली तर संवसारभर मोठे गुरू उदयाक आयल्यात. हे गुरू कंपन्यांचे मालक. फाटल्या दिसांनी हांवें हैदराबादेत 'गुरू' पिक्चर पळयलें. तें धीरुभाई अंबानीच्या जिणेचेर आसलें खंय. त्या गुरूक आपली कंपनी व्हड करपाक, पयशे जोडपाक खुबूच लचाणां करचीं पडटा, फटींगय जावचो पडटा. झगडचोय पडटा. नांवय वयर काडचें पडटा.

आयच्यो कंपन्यो ह्यो व्हडले गुरू. ह्यो कंपन्यो देशी तशेच परदेशीय. त्यो वेगवेगळ्या ब्रँडाचो म्हाल तयार करतात. त्या म्हालाची जायरात करतात. त्या म्हालाचें नांव लोकमानसांत रुजयता. लोकांच्याय तोंडार त्या त्या कंपन्याचें आनी तांच्या म्हालाचें नांव घोळटा. जशें कोलगेट पामोलीवची 'कोलगेट' टूथपेस्ट, हिन्दुस्थान युनिलिव्हरचो 'रीन' साबण आदी. अश्यो कंपन्यो आपल्या उत्पादीत म्हालाचो दर्जो बरो राखतात. लोकांचो विस्वास जोडटात आनी गिरायकांच्या बोल्साक नाका तितली कातर लायतात. आपल्या म्हालाचो दर वाडयत रावतात. तांका जनसामान्यांचें पडना.

ह्यो कंपन्यो व्हडल्या प्रमाणांत म्हाल तयार करतात तशेच व्हडल्याप्रमाणांत मार्केटींग करतात. तें करताना त्यो

बऱ्यावायट सगल्यांचो जुगार खेळटात. 'गडगडे' आपल्या वटेन उडोवन घेतात. ताका लागून ल्हान उत्पादकांक आपले उत्पादन आनी धंदो बंद करचो पडटा. साबणाच्या व्हडल्या कंपन्याक लागून गोंयांत तयार जावपी 'मारांव' हो विमान छाप साबण बंद जालो.

आयज सगळ्याच मळांनी व्हडल्यो कंपन्यो आपलो हात घालतात. गाडयो, फ्रीज, मोबायल, टीवी हांच्या उत्पादनाचें समजू येता. पूण व्हडल्यो कंपन्यो भाजीपालो, फळफळावळ, दूद मार्केटींग करपाक लागल्यात. असल्या बारीक बारीक गजालीनीय ह्यो कंपन्यो पडल्यार आपूण स्वता काम करपी मनशाक संद मेळचीना. पापड, म्हौंव हांचेय मार्केटींग ह्या कंपन्याकडल्यान व्हड प्रमाणांत जालें तर आयज म्हौंव विकपी गांवगिरो मनीस वा जाण्टो बेकार गुरुजी सारको मनीस कुशीक पडटलो. इत्सा आसून लोकांक काम करपाक मेळचेंना काय? हो प्रस्न सतायता.

भारत देश ब्रिटीशांच्या गुलामगिरीत आसताना ब्रिटिशांनी मँचेस्टराक कपड्यांच्यो फॅक्टऱ्यो घातल्यो. थंय व्हड प्रमाणांत तयार जाल्लें कापड भारतांत हाडून विकलें. तेन्ना हांगा हातमागाचेर चलपी कापड धंद्याक खूब मार बसलो. तशेच तरेन आतां ह्या नव्या कंपन्यांच्या ड्रेडमार्क वा ब्रँड जाल्ल्या म्हालाक लागून थळाव्या उत्पादनाक आनी घरगुती धंद्याक मार बसत आसा. थळावे ल्हान ल्हान धंदे बंद पडटात. तांतुंतले लोक बेकार जातात. तांच्या पोटापाणयाचो प्रस्न वाडत आसा. ह्या कंपन्यांच्या उत्पादनाफुडें आनी मार्केटींगाफुडें थळाव्या मनशांचो निभाव लागना जाला. अशे लोक लाखांनी, कोट्यांनी आसात. तांचेकडे स्वताचे मार्केटींग नेटवर्क ना वा असे लोक संघटीतय जाल्ले नात.

वेपार-धंद्याक सदाच म्हत्व. फाटी आसलें आनी आतां तर चड वाडलां. उपभोग्य वस्तूकडे लोक चड आकर्शीत जायत आसात. ब्रिटीशांनी एका हातांत तागडी आनी दुसऱ्या हातांत तलवार घेवन येद्या व्हडल्या आनी कोट्यांनी लोकांच्या देशाचेर राज्य केलें. आनी तिसरी शक्त वा अस्त्र तांचेकडे आसले, तें तांचे कर्तुब. आजुनय वेपारधंदेकारांच्या, कंपन्यांच्या पांगेंत सत्ताधीश आसात आनी त्यो आपल्याक जाय तें राजकारण्याकडल्यान करून घेतात. 'तागडी' सदाच वजनदार जाल्या. जो कोण वेपारधंद्याक उणाक लेखता तो गुलामगिरीत पडटा वा नोकर म्हूण जगता. वेपार-उद्दीम करून गोंयकारानी फुडें सरूंक जाय अशें शणैगोंयबाबान शाणपण दिल्लें. तशेंच गोंय राज्य संपन्न जातलें जाल्यार उत्पन्न आनी वेपाराक म्हत्व दिवंक जाय, अशें ताणी पयलीच सांगलां.

हय, आयचे दीस वेपार-उद्देगाचे. व्हडल्यो व्हडल्यो कंपनी येतल्यो आनी

आयल्याय. येव तांका. पूण दर व्यक्तीन आपल्याक जाय तो वेपार करचो. उत्पादन करचें. उत्पादन बरें गुणवत्तेचें करचें. वेपार चोख करचो. कंपनीचें कशें नांव आसता. तांचो कसो ब्रँड आसता– तशें व्यक्तिनय आपल्या म्हालाचें नांव आपल्या वाठारांत, आपल्या गांवांत करूं येता. तुमच्या नांवाची, तुमच्या म्हालाची वळख बाजारांत लोकांमदी जातकच, लोक सोदीत येतात. त्या नांवाचो म्हाल विकत घेतात. नांवाची वळख वोगीच जायना. मदी बरो आनी सेगीत वेपार करपाक जाय. त्या प्युवर म्होंवकार गुरुजीक मार्केटींग बरें जमता. हो गुरुजी सांगता– 'वळखीचे लोक घेतात.' ही वळख जातकच गिरायकाकडे नातें जुळटा आनी तगता.

वेपारांत लाबलुकसान आसता, तशे बरे वायट मनीसय आसतात. एकदां म्हजो इश्ट म्हाका सांगतालो– ''जाणा मरे, हांवें म्हजे भयणीक भांगराची सरपळी घेतली. ती तिणे देड म्हयनो गळ्यांत घातली. रोकडीच ती तांबशी तांब्याची कशी दिसपाक लागली. त्या भांगरांत तांब्याची चड भेसळ केल्ली हे आनीक सांगपाचें उल्लेना. हांवें ती परत व्हरून दिली. तरी बरें शोपकारान भांगराची नवी सरपळी तितल्याच वजनाची दिली म्हूण. आतां भांगरांत लेगीत खोट. मागीर हांवें त्या शोपार पांय लेगीत दवल्लोना.'' अशे तरेन फटीच्या धंद्यांत गिरायक तुट्टा आनी धंदोय बसता.

आयज म्हज्या घरच्या कत्रेलांत प्युवर म्होंव आसा आनी वेगळे बाटलेंत काकय आसा. म्हाका म्होंव म्होंव म्हूण आवडटा आनी काकय काकय म्हूण आवडटा. काकयची नवी बाटली हांवेंच विकती हाडल्या. ती बरी सीलबंद आनी पॅक केल्ली. तिचेर सारकें बरयलां 'Sugar cane syrup'. तेंय म्हाका उपेगी पडटा. म्होंव काकय म्हूण कोण विकचोना आनी आपल्याक लुकसाणांत घालचोना. पूण 'काकय' काकय म्हूण विकपाचें. म्होंव म्हूण ती कितले दीस खपतली? एकदां खपली म्हण ती सदाच खपचीना. काकयचेर फायदो मेळयतलो जाल्यार ती बरें पॅकींग करून तिचे फायदे सांगून ती काकय म्हणूच विकची. तिचेर चार पयशे जोडूं येतात... न्हय लोक जोडटातय.

त्या गुरुजीन कशी आपली वळख दाखोवन दिली, कंपन्यांनी कशें नांव मेळोवन आपली वळख लोकांमदी केली, म्होंवाचीय कशी वळख जाता, काकयचीय कशी वळख आसता, म्हालाचीय कशी वळख घडटा तशी दर एकल्याची वळख आसता. आनी जो मनीस आपल्या कर्तुबान आपलें नांव सिद्ध करता.... आपली बरी वळख लोकांक दाखयता तो मनीस खऱ्यांत खरो.

❑❑❑

दुखिचें बोट

हॅल्मेट घालात रे म्हूण भुरग्यांक सांगचें पडटालें. केन्ना घालताले केन्ना ना. 'हांगाच गांवांत वयतां' अशें सांगून केन्ना हॅल्मेट घालीनासताना ते मोटरसायकलीर स्वार जाताले. घराकडें आमकां वोगीच हुस्कोसो. मात हेराभाशेन पुलीसापुरतें घालताले. दंडाचो भंय आसतालो. एक रीत म्हूण हॅल्मेट घालप जावंक जायना. तर नव्या जमान्यांत, वेगाच्या युगांत सुरक्षिततायेचो पोशाख तो. सदचे मुस्तायकेभाशेनच होय पोशाख.

ते दीस सकाळी फुडेंच ती खबर कळ्ळी. आमच्या वाड्यावयल्या सुमंताक अपघात जाला. ताका हॉस्पिटलांत व्हेला. म्हजें काळीज खपखप जावंक लागलें. रोकडीच खबर कळ्ळी तो गेलो म्हूण. म्हजी तकली सुन्न जाली. आरे, काल सांजचो तो आमच्या घराकडचे उक्ते जागेंत क्रिकेट खेळटालो मरे ! आनी आयज सकाळीं सकाळीं ही खबर ! खूब लोक धांवले हॉस्पिटलांत.

आपले भयणीक स्कूलांत पावोवपाक तो आपले स्कूटरीवयल्यान वयतालो. तेन्ना स्कूटर निसरून पडली. ताची उक्ती तकली रस्त्यार आपटली. तकलेक मार बसलो आनी तातुंतच ताका मर्ण आयलें. ताचे हातपांय आनी पुराय आंग बरें आसलें. फक्त तकलेक मात्शी कोंक जाल्ली. रगत लेगीत चड वचूं नासलें. हॅल्मेट घातलेलें तर हो तरनाटो पोर वांचतलो आसलो; ताका कांयच जांवचें नासलें. अशें म्हजे मन म्हाका परत परत शिटकायतालें.

काल क्रिकेट खेळटनाय ताणे आपल्या पांयाक पॅड बांदू नासलें. असोच खेळटालो. बॉल घट्ट आसलो ताची पर्वा ताका नासली. बऱ्यो संवयो आसच्यो पडटात. नाजाल्यार केन्ना घात जायत तें सांगू नजो.

तो म्हज्या भुरग्यांचो इश्ट. मदीमदी आमगेर येतालोच. भुरग्याचो इश्ट म्हणटकच म्हजोय इश्ट कसो जाल्लो. आनी आयज हांव ताचो पालक कसो व्याकूळ जाल्लों. म्हज्याय काळजाक घाय जाल्ले.

भर दनपारा ताचें मडें ताच्या घरा हाडलें. गांवचो अख्खो लोक ताच्या घराकडे लोटलो. ताच्या तरनाट्या इश्टानी ताच्या पार्थिव कुडी भोवतणी कंवडाळें केल्लें. तांच्यामदी हांवय आसलों. म्हजे दोनूय पूत सुमंताच्या एका इश्टाक घेवन येताले. ताकाय पंदरा दिसा पयली अपघात जावन दोनूय पांयाक मार बसलेलो. ताचे पांय प्लास्टरांत बांदलेले आनी दोनूय हात ताच्या इश्टाच्या खांदार. ताका पळोवन म्हाका दिसपाक लागलें– अपघातांनी मनशाचें जिवीत काबार केलां

आनी कांय जाण तर थोटे–पांगळे जाल्यात.

ताचो विलो करून घरा येता म्हणसर तीन वरां जावन गेल्लीं. भुरगेय न्हावन घरांत आयले. पोटांत भुकेन जाळ पडलेले. घरकान्नीन शीत शिजयल्लें. कालचे नुस्त्याचे कडयेन ती वाडटली आसली. इतल्यान हांवें तिका सांगलें, 'म्हाका पेजूच वाड आनी भुरग्यांकय. तिणे शितांत नीस वोतून आमकां वाडले. हांव पेज जेवलों आनी भुरगेय.

म्हज्या वागपान हांव विचारांत पडलों. आमकां पेज जेवपाची कांय संवंय ना. हांव पेज जेवलों हें समजूं येतालें. आपल्या पुतासारको वाड्यावयलो भुरगो गेलो आसताना शितकडी कशी जेवतलों? पूण हांवें स्वता जावन पुतांकय पेज वाडपाक कित्याक सांगलें? मर्णाचें दूख, खरसाण तांका कळपाक कांय? जे तरेन तांचो इश्ट मेलो तें कळपाक कांय? आयचे तरनाटे हॅल्मेट वापरीनात; वेगान गाडयो चलयतात, येरादारी नेम सारके पाळीनात हाचे विशी तांका कळचे म्हूण जावंये. तांची संवेदना अपघाती मर्णाविशी वाडची म्हूण जांवये. हांवें तेच खातीर अशे तरेन कृती केल्ली. म्हाका केन्ना कसलो विचार येता तेन्ना त्या विचारान हांव रोकडोच कृती करतां. नाजाल्यार अशें करूं नाका, अशें करचें सांगतां.

म्हज्या भुरगेपणांतली याद जाली. आमी भुरगीं खुबच खेळटालीं, नाचताली, धांवताली. तेन्ना चड करून म्हज्या उजव्या पांयाचें आखाण्याचें बोट आपटतालें. केन्ना बोट आपटून घावो जातालो. रगत येतालें. तर केन्ना तें बोट सुजतालें. त्या बोटाक किदें ना किदें जाल्लें आसतालें. आनी अशें किदें जालें कांय ना ते बेगीन म्हूण बरें जायनासलें. तेंच बोट परत परत आपटतालें आनी कळो सोसूं नजो जाताल्यो. ह्या दुखिच्या बोटाक आमी कुड्डें बोट म्हणटाले. आनी हें कुड्डें बोट आपटप ही सदचीच गजाल जाताली.

मागीर हांवें किदें करचें? त्या बोटाक वखद लावन कापडाची अशीर फाळी बांदची. तशेच पावलाक वयर तसलीच फाळी तटतट्टून बांदची– जशें न पेखपी घायाक मोरपांख. तांतुतल्यान त्या कुड्ड्या बोटाची याद उरताली. मागीर तें आपट नासलें आनी तें पेखतालेंय

अशें कुड्डें बोट आजुनय खूब जाणांक आसा. एकदां दुखलें कांय तेंच परत परत आपट्टा आनी दुखता हें जशें कुड्डें–दुखिचें बोट तशेंच पुराय मनीसय कुड्डो जाता, बधीर जाता. असंवेदनशील जाता. हाका लागून खुबूच वेदनेच्यो आनी दुखाच्यो गजाली प्रत्यक्ष घडत आसात अशें म्हाका दिसता.

राजाची काणी अशीच आयकल्ली. राजाक सांजवेळा आपल्या रथांतल्यान

भोवपाची संवय. एकदां भोवपाक वयतना भर वस्तीतल्या वाटेतच ताका एक मोठो फातर दिश्टी पडलो. तो बैलागाडयेतल्यान पडला जावंये अशे चितून तो वोगी रावलो. चार दिसांनी थंयसून वयताना तो फातर थंयच आसलेलो राजान पळयलो. वस्तीतल्या रस्त्यावयलो लोकांक आडखळ जावपी हो फातर कोणेच कुशीक काडलोना हे खातीर ताका तिडक मारली. फातराक लागून वाहनाक अपघातय जावं येतालो. शासनांतले अधिकारी आनी राज्यांतले लोक हांकां कोणाकूच लागणूक ना म्हूण तो खंती जालो. तो फातर कुशीक काडून दवरपाक ताणे हुकूम दिल्यार पुरो आसलो पूण ताणें तशे केलें ना.

तेच राती ताणे कोणाक ना कळटां भांगरांच्या म्होरांचो ल्हान बोटवो त्या फातरापोदां दवरपाक लायलो. दुसरे दीस ढोलकें वाजोवन राजधानयेत पेरगांव घातलें. 'आयका होऽ आयका. ह्या पांच दिसांत जो कोण लोकांक उपेगी अशें बरें काम करतलो ताका राजाकडल्यान इनाम मेळटले हो ऽऽ मेळटलें.' पांच दीस जाले तरी कोणेच तो फातर कुशीक काडलो ना. मुदत सोपतकूच राजान त्या मार्गार जमात आफयली. लोकां हुजीर स्वता राजान तो फातर कुशीक काडलो. बोटवो उगडून तातुंतल्यो म्होरो लोकांक दाखयल्यो. लोक अजापीत जाले. राजान सांगले, 'जर तुमी रस्त्यावयलो फातर कुशीक काडलेलो तर ह्यो भांगराच्यो म्होरो तुमकां मेळपाच्यो. तुमकां रस्त्यावयल्या फातराचें... रस्त्यावयल्या आडखळीचें तुमका पडलें ना म्हूण म्हाका वायट दिसता.'

आयच्या काळांत तरी लोकांक खंय पडलां? सगळे भटो भटो आपले वाटो. आं, मात् गोंयांत हें एकल्याक चड लागता. गोंयच्या रस्त्यार अपघातांत मरपी, वेदनेन तळमळपी सगळ्यांचे तांका पडलां. तरनाटेपणातच मरपी युवकांचे तर तांका चड लागता. तांचे काळीज आवयचें. गुरुनाथबाब केळेकार आपल्या सांगात्या वांगडा मार्ग अभियान चलयत आसात. बरीच वर्सां जालीं तांच्या वांगडा जाण्टे आसात तशेच विद्यार्थीय आसता. मिशन कसो हो वावर. मार्गाविशी चळवळ गोंय सोडून आनीक खंयच्या वाठारांत चलता जाल्यार खबर ना. आनी हें मिशन गोंयांत चालूच उरपाक जाय. रस्त्यावयली येरादारी कांय बंद जावची ना. ती तर वाडत आसा. गाडयांची संख्याय वाडटा. गोंयांत असो घराबो आसचोना जांगेर रस्त्यावयल्या अपघातांत कोण मरूंना, हातपांय मोडूंना वा घायांच्या वेदनेन तळमळूंना.

मार्ग अभियान तशी मार्ग शिक्षणाची चळवळ. मार्गार आपली वागणूक कशी आसूंक जाय ताचेर तांचो भर. मार्गाविशी आनी मार्गार घडटा ते विशी ते

लोकांमदी जागृताय करतात. आपल्या घराब्यांतल्याक जर अपघात जालो तरच तो लागता. नाजाल्यार 'पडलां कोणाक' अशे तरेची उदासीन वृत्ती. रस्त्यार अपघातांत हजारांनी लोक मरतात तांचेविशी कांय ना. पूण आतंकवाद्यांनी धा लोकांक मारले जाल्यार ताचो उजो आमकां चड लागता. आयज युद्धांत लोक चड मरनात पूण रस्त्यावयल्या अपघातांत हजारांनी लोकांक सुण्यापास्ट मर्ण येता. आनी खूब जाणांचे हाल जातात. रस्त्यावयलो हो आतंक चड व्हड. घरांघरांतल्या लोकांनी आप्तेश्टांच्या मरणाच्या दुखान मारलेली कराणाय आमच्या काळजामेरेन पावना. योग्य उपाय घेतल्यार अपघातांत आळाबंद येवचो ना तर?

लोकांची संवेदना जागोवपाचो वावर गुरुनाथबाब करतात. ताणी आपल्या जिवितांत अशे प्रयोग खूब्ब केल्यात. मारुती मासीक काडप, नवें गोंय कोंकणी दिसाळें चलोवप, मार्ग अभियान आदी. कृतीशिलता मनशाक केन्ना येता जेन्ना ताका तें चड लागता. तेन्ना तो उट्टा. आनी कार्याक लागता. ताणी पळयल्या अपघातांत मेल्ले कितलेशेच तरनाटे आनी तांच्या मर्णान हुंडकेत हुंडकेत जीव सोडपी रोजालीन मांय. ही रोजालीन मांय तांच्या काळजांत बसल्या. तिचो स्पर्श म्हाकाय एकदां जालो आनी तिका आर्गां ओपपाक हांवें बरयलें–

....

....

म्हजे रोजालीन मांय
तूं वसता समेस्त
मनीसजातीच्या काळजांत
आनी सगलें सगलें
मायामोग धरून वसता
तुज्या काळजांत

तुज्या दोळ्यांचो
तुज्या हुस्क्यांचो
काळीज दिवो
ह्या मार्गार पेटोवन
तुका आनी
रस्त्यार मेलेंल्यांक
आर्गां ओपतां

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No : 002919

आनी तुज्या
उजवाडाच्या दिव्यान
सगळ्यांक
बरो मार्ग मेळूं
म्हूण मागतां

मनशाच्यो संवेदना कमी जाल्यात. ताचे मन भेरेलां, कुड्डें जालां. ताका जागृती हाडपाक ताका एका उतराची, कवितेची, एका भाशणाची तशेच एके कृतिची आनी प्रयोगाचीय जोड जाय. महात्मा गांधिनीय स्वातंत्र्याची चळवळ अश्याच सत्याच्या प्रयोगानी केली. मनाक चेतना दिवपी नवे नवे प्रयोग... 'चरखा चला चलाके हम लेंगे स्वराज.' अशे म्हणत ताणी फुडें मिठाचो सत्याग्रह, चले जाव चळवळ अशे प्रयोग करीत येद्या व्हडल्या भारत देशाक गुलामगिरीतल्यान मुक्त केलो. नवे विज्ञानीक किदें करतात तर– आपल्या प्रयोगांतल्यान गरीबीचेर, उणावपणाचेर, अज्ञानाचेर, दुखाचेर जैत मेळयत आसात... अर्थीक, तंत्रीक स्वातंत्र्य मेळोवन दितात... हॅल्मेटाचो सोद होय तसोच दूख, दुखिचेर आनी जीवन रक्षणाचेर एक उपाय.

हांव हें चित्ता थंयच आसलों. इतल्यान म्हजो धाकटो चलो घरांत आयलो. आनी उलो मारुन सांगपाक लागलो. 'डॅडी हें पळय तुजे हॅल्मेट हाडलां.' देड म्हयन्यापयली तें हॅल्मेट घालून तो हॉस्टेलार गेल्लो. थंय तें ताणे आपल्या इश्टाक दिल्लें. हांवें चवकशी केल्ली पूण तें शेणलां जांवये म्हूण हांव वोगीच रावल्लों. तें हॅल्मेट हांवें घेवन बारीक पळयलें. ताच्या माथ्यावयल्या भागाक हातोडीचो घाव कशें चेप पडलेलें. तें चेप पळोवन हांव समजपाचों तें समजलों. ताच्या इश्टाक मोटरसायकलीन घरा वयताना अपघात जाल्लो. तो दोन दीस हॉस्पिटलांत उरलो. पूण माथ्यावयल्या हॅल्मेटान ताका मर्णातल्यान वांचयल्लो. हें सांगताना म्हज्या पुताचे दोळे लिकलिकताले. म्हज्या हॅल्मेटान कोणाचो तरी जीव वाटयल्लो. म्हाका खोशी जाल्ली. ही खोशी आमी सिलेब्रेट करची अशें म्हाका दिसलें. हांवें म्हज्या बोल्सांत हात घालून पैशे काडले आनी स्लायस आयस्क्रीम हाडपाक सांगली.

आयस्क्रीम खाताना म्हज्या मनांत आजुनय आसलेल्या दुखिच्या बोटाची याद जाली. जें परत परत आपटून दुखतालें. हांवें मनांतल्या मनांत म्हज्या हातान त्या दुखिच्या बोटाक पोशेलें. हांव थंड गोड आयस्क्रीम खाताना त्या दुखिच्या बोटाक ती किरांव थंडसाण लागताली. ❑❑❑

जिवितांतली सोबितकाय

धाकटें प्रियांका धांवतालें. ताची आवय प्रतिभा ताका धरपाक. मस्तेपणां करता म्हूण मारपाक. प्रियांका आपले आवयक फटोवन वांकडें तिकडें धांवतालें. तें तिच्या हाताक लागनासलें. ताचे चपळपण, भुरगेपणातल्यो लकबी पळोवन म्हाका खोशी जाली. हांवें म्हणलें 'प्रतिभा तुमी धरचेल्यांनी खेळटात गो?' तें आयकून प्रतिभा आनी प्रियांक हांसपाक लागलीं. हांवय हांसपाक लागलों. म्हाका तांच्या धांवपांत फन-मजा दिसली आनी हांवें तांका धरचेल्यानी खेळटात गो म्हूण विचारलेलें. तांकाय मजा दिसली. विरोधाभास आनी फन हातुंतल्यान आमी हांसत उरलीं. तेन्ना म्हजे तकलेत उजवाड पडलो- जिवितांतलें फन सोदपांत वा मेळोवपांत सोबितकाय आसा.

हांव भुरग्यांमदी बरोच तेप आसां. म्हाका भुरगीं आवडटात. भुरग्यांचे ल्हानपण, तांचे कोमलपण, तांच्या मुखामळावयले भाव, तांचे सरळ सादेपण (simplicity) म्हाका आनंद दिता.

'उनात आनी पावस। माकडांचें लगीन। उनात आनी पावस। माकडाचें लगीन' अशीं बालगितां माणकुली भुरगीं गायतना- गितांव्या सुरान आनी भावान तांचे खोशेन भरलेले लिकलिकीत दोळे पळोवन हांव भारावन गेल्ल्याचो... तद्रूप जाल्ल्याचो अणभव म्हाका आयला. असो खंयच्याय अणभवाकडे तद्रूप जावपाचो स्वभाव म्हाका जिवितांतल्या सोबितकायेची नवीं नवीं दारां उक्तीं करीत आसता.

हालीच हांवें 'The honey dripper' हें आफ्रीकन फिल्म पळयलें. ताच्या कथानकाच्या एका धाग्यांत सात-आठ वर्सांचे दोन निग्रो भुरगे. ते हांगा थंय भोवतात- पळयतात आनी खोशी मेळयतात. ते एका रेस्टारँटांत वयतात. थंय ते नाच पळयतात, संगीत आयकतात. त्या भुरग्यांक थंयचो मालक धांवडायता. तरी ते मागीर परत परत येवन भायर कुशीक रावन व्हायोलीन, ड्रम हांचें वाजप पळयतात, आयकतात. घरा वयतकूच फळयेक दोरयो ताणून बांदून व्हायोलीन करतात. पत्र्याचे डबे घेवन ड्रम करतात आनी जाणट्याभाशेन उमेदीन वाजयतात. तांचे ते उत्फूर्त वाजप पळोवन निखळ आनंदाचो अणभव आगांत थरथरता.

ह्या अणभवाच्या यादींच्या आपालिपांतल्यान शिगम्या वेळावयले आमचे ल्हानपणांतले दीस उदेता. मांडार शिगम्याचे नमन जातकूच धोलताश्यांचें 'कटरघूम' चालू जातालें. जाणट्या वांगडा आमकां भुरग्यांक धोलताशे वाजोवपाची

संद कमीच मेळटाली. मागीर आमी डब्यांचे धोलताशे आनी बारीक मानींच्यो 'तोणयो–बडयो करून वाजयत रावताले आनी गितां गायताले. 'इल्लीशी पेटारी सामराची। तितून बसल्या केळबाय भांगराची। शबय शबय शबऽय...' अशें गायत डबे–पत्रे वाजयत तोंडांतल्यानय म्हण्टाले, 'घुमचे कटर घूम... घुमचे कटर घूम...' शिगमो सोपलो तरी आमचें वाजोवप चालूच आसतालें.

आयज फाटल्यान वळून तें पळयताना भुरगेपणांतल्या जिविताचें– आमच्या संसल्या जिविताच्या एका भागाचें दर्शन घडटा. भुरग्यांचें तांचे तरेन अनुकरण, जिवितांतलें सातत्य हातूंत सोबितकाय दिसता. जिविताच्या सतत व्हांवपांत continuation of life हातूंत हांव सोबितकाय भोगीत आसतां. जल्मल्ल्या बाळकाखातीर आल्लयो रचपांत लेगीत हांव मजा घेतां.

अंदूच्या इफ्फतीतलें (२००८) निमाणे फिल्म– 'The song of sparrows' हें इराणी फिल्म. बापूय भुरग्यांक कश्टाचें काम करपाक दिना. उदकाची बांय निवळ करपाक वा गुलाब विकपाकय. शहामृगाच्या फार्मांतल्या नोकरे वयल्यान बापायक काडटा. पोटाखातीर तो वेगवेगळीं कामां करता. ताचे कडल्यान कांयकडें फटींगपणाय जातात. एक दीस अपघातांत ताचे पांय मोड़टात. ताका न्हिदून रावचें पडटा. मागीर ताचीं भुरगीं शेतांत कामां करतात. तेन्ना भुरग्यांच्या मोव, नाजूक हातांक घट्ट खिणां पडतात. तीं तो पळयता. ताच्या जिवाक लागता. हो देखाव पळयताना हेर प्रेक्षका वांगडा म्हाकाय जिवितांतल्या सौंदर्यपूर्ण जिविताचें दर्शन जालें. जिवितांतली ब्युव्टी ही जिवीत जगपांत आसा. जिवीत जिते रसरसीत जगताना असली जिवितांतली सोबितकाय हांगा थंय मेळूं येता.

फुडें त्याच फिल्मांत भायर पळून गेल्लो शहामृग परत फार्मांत येता, जाका ताणे हांगा थंय खूब सोदलेलो आसता. शहामृग परत येतकच ताका परत फार्मांत नोकरेक आफयता. तो नोकरेक येता तेन्ना सगळे शहामृग ताचेवटेन उमेदीन धांवत येतात. आनी तो पळून गेल्लो शहामृग तर नाचून ताचे स्वागत करता. ताचेखातीर... शहामृगाचे नाचप इतलें सोबीत... पळयताना कोणाचेंय हार्ट फेल जावं येता.

म्हाका तर जनावरांच्या वागपांतलो आनी नाचपांतलो सोबितकायेचो सोद त्याच खिणाक लागलो. मनशांच्याच वागपांत, नाचपांत एक सोबितकाय आसता हें जाणा आसलों. शहामृगाचो नाच पळोवन तोय मनशाखातीर केल्लो नाच पळोवन हांव धादोसलों. म्हजी नदर अदीक विशाल जाली. ते पयलीं

गायेच्या पाडकाखातीर हांबेवपांत, कोबयांचें पिलांखातीर कोकारपांत, कवड्याचें सांगातिणीखातीर आळवपांत म्हाकां सोबितकाय जाणवताली.

शेजारचें पांच वर्सांचें प्रियांका आपले दोनय पांय एकठांय करून नाजूक तरेन उडयो मारीत आमच्या घरांत येता, तेन्ना असोच कोण तरी आमच्या घरांत नाचल्याचो भास म्हाका जाता.

शहामृगाच्या उत्फूर्त नाचपांत एक वेगळेपण आसा. हें हेर जिवसृष्टीतलें, तशेच दुसऱ्या प्रदेशांतल्या मनशां संबंदांतलें. प्रादेशीक आनी आपल्याच मनशांपुरते आशिल्ले आमच्या दोळ्यांवयले पड्डे निखळून म्हाका सर्वस्पर्शी जिविताचो साक्षात्कार घडलो.

धाकल्या पुतान गणपतीचें मातयेचें मोवाळें हाडलें. कुंभारान केल्ल्या त्या मोवाळ्याक तांबडी काव काडिल्ली. विचार करून ताणे तें मेकळ्या वण्टीचेर मदी लायलें. तें लायल्याबरोबर उक्ते उक्ते वण्टीक बरी सोब आयली. मुळांत तें सोबीत दिसतालें. तें सालांत लायल्ल्यान सालूच सोबलें. कुंभाराच्या कामांत तशेच तें म्होवाळें सालांत लावपान सोबितकाय आसली. अशे तरेन दर एका हाताच्या कामान अर्थ भरत रावता.

फातोडेर उठून हांव पोरसांत गेलों. फुलझाडांकडे पळयत तर पानांत लिपून बोंग्यो कळ्यो तकली दाखयता. ह्योच बोंग्यो कळयो आदल्या दिसा मोन्यो कळयो आसल्यो. सकाळ जाता म्हणसर त्यो इल्ल्यो इल्ल्यो फुलत पुराय फुल्ल्यो. कळयेंत कवळून आसलेलो सोबीत कंवळो आकार इल्लो इल्लो करून फुला रूपांत फांकारलो. अशें हें नाजूक फुलपांत आनी फुलपाक जो वेळ लागता तांतूतय म्हाका अर्थ दिसपाक लागलो. कळी पुराय फुलमेरेनचो वेळ हांव भारावन वचपाक लागलों. फुलावांगडा त्या फुलपाच्या काळाचो परिणाम म्हज्या मनार जालो.

एकदां एक कळी कशी पूर्ण रूपांत फुलता. तें टिव्हीचेर सात-आठ सेकंदांत दाखयल्लें. कळयेंत कशे बदल जातात, एक एक पाकळी कशी उगडटा, वाडटा आनी फूल पूर्ण आकाराक येता तें सगळें दोन वराच्या परस चड व्हिडियो रिकार्डींग करून, तें फक्त कांय सेकंदांत दाखयल्लें. लजेचे झाड हात लायल्यार कशें हालचाल करता तशें तें फूल हळू फुलताना दिसपाक लागलें. तशें चित्रिकरण दाखयल्लें म्हूण तें कळ्ळें. तशेंच आमी गरजेचो वेळ दिवन पळयत तर सैमांत कशें सृजन घडटा तें आमकां चलचित्रासारकें उलगडत वयतलें. आवयच्या कुसव्यांत बाळकाचो जल्म जाता आनी तें णव म्हयनेमेरेन वाडत रावता. आनी ह्या वाडपाची

जाणीव आवयक पुराय काळ मेरेन जायत रावता. ही जाणीव भूतकाळ, वर्तमान काळ आनी भुरग्याचो फुडार अशे तरेन त्रिकालीक जायत रावता. हे जाणिवेच्या सोबितकायेक काळाच्या प्रवाहाचो सांगात मेळत रावन आवय खोशेन जगता.

फाटल्या १४ आगस्टाच्या भर मध्यान्नेर आमी दोग इश्ट दूदसागर रेल्वे स्टेशनार पावले. फांतोड जावपाक बरोच वगत आसलो. स्टेशना पुरतो उजवाड. भायर सगळ्या वाठारांत काळोख. मदी शिरवाण म्हयन्यांतलो पावस शिडडिडून गेल्लो, तितलोच आवाज. मागीर सगळी शांतताय. स्टेशनाचेरय एकलोच स्टेशन मास्तर. हांव आनी इश्ट थंय बसून दीस उदेवपाची वाट पळयताले. झिळमिळ फांतोड जावपाक सादारण अर्दवर आसलें. इतल्यान एका शेवण्याचो आवाज आयकलो. रोकडोच दुसरे कडसून शेवण्याचो तसोच आवाज येपवाक लागलो. कोणे तरी एकामेकांक साद मारचेशे तांचो आवाज. मागीर एकामेकांक प्रतिसाद दिवचे तशे शेवण्यांचे आवाज जायत रावले. मागीर सवकास कमी जावन तो थांबलो. मागीर झिळमिळे फांतोडेर बारीक शेवण्यांचो बारीक आवाज वयर सरपाक लागलो. आनी वाडत रावलो. कांय वेळान वेगळ्याच शेवण्यांचो गितगायनाचो आवाज. वेगवेगळ्या शेवण्यांचो वेगवेगळो आवाज. शेवण्यांच्या किलकिलाटांत वाठार भरलो. त्या दोंगरी रानाच्या वाठारांत तांबश्या उजवाडांत शेवण्यांचो कल्लोळ जालो. ल्हार एक एक येवचें तशी वेगवेगळ्या शेवण्यांचो वेगळी सूरधून. गायनाचें हें संगीत परत परत कानांत ल्हारेवंक लागलें. आनी अंतरमनांत घुंवपाक लागलें, घुसळपाक लागलें. बरेंच उजवाडल्या बरोबर शिरवाण पावसाची दडक आयली आनी बारीक बारीक शेनत रावली.

सकाळी चलत चलत आमी दूदसागराकडे पावले. घोघो नेटान पडटालो. ताचो आवाज पयससून कानांत पावल्यो घालतालो. दूदसागराचें उदक वयरसून रकत आसलें. सहस्त्रदोडी उदक कोण तरी रकयता आनी तेंय सेगीत. तें पडपांत एक ताल आनी उर्मी. पडट्या पावसाचें उदक भेटून दूदसागराक नेट भरतालो. तो आपल्याच नेटान दूद कसो फसफसून घालून घेतालो. ताचे सतत पडप, न थांबता पडप. तें पळयत आमच्या काळजांत धडधड वाडली. दूदसागराची फुडें न्हंय जावन व्हांवत रावताली. ताका फुडे कितलेशेच वझरे, व्हाळ मेळटाले. तशी ती अदीक सलीली जावन व्हांवत रावताली. जशी सोबीत जिवीत कशी. तीच न्हय परत जिविताक पांचवेपण भेटयताली.

सैमांतूय एक रिदम आसा, संगीत आसा. आनी रूप आसा. सैमाची सोबितकाय तोखेवपाक म्हाका हजार नदरांची ताकत मेळूं अशें म्हणत हांव

मनांतल्यान सैमाकच होरावंक लागलों.

मनीस आपल्या कल्पनेन जिविताक रंगीत रंग भरता. कल्पनेन सोबितकाय अदीक खुलता. भुरग्यांक कुपांनी सोसो, हत्ती अशीं जनावरां दिसतात. कल्पना खंयचेय निर्मितीक आकार दिता आनी रंग भरता. कल्पनाविलास (fantacy)हो भुरग्यांचो तशेच कलावंताचो कल्पनाविष्कार. हांवय कल्पनेच्या सांगातान निर्मितीच्या आनंदात रमतां.

कल्पनेवांगडा भावात्मकता म्हत्वाची. कल्पनेन मनशाक संवेदना जाता. ती भावात्मकता वाडयता. कल्पना आनी संवेदना मनशाक जिवीताची सोबितकाय दाखयता. दोनय ना तर जिवितांत सोबितकाय खंय? कवीक, लेखकांक, चित्रकारांक जिवितांतल्या सोबितकायेचें दर्शन घडटा. कल्पना आनी संवेदना हेंच तांचे दोळे– सोबितकाय पळोवपाचे.

हांव भोवपाक भायर सरतां. शेतांत, मळार. तेन्ना म्हज्या माथ्यावयलें मळब आनी क्षितिजाक तेकलेले दोंगर हांव तोखेतां. तांच्या गोलाकारपणांत सोबितकाय जाणवता. केन्ना मळबांत बळारी उडत वयतना दिसतात. दर्यांत नुस्त्यांची भिरी पेयतात. तेन्ना अनेकत्व भावता. रानांतल्या रुखावळीतलें अनेकत्व आनी बहुविविधताय म्हाका घुस्पावन उडयता. हो संवसार अनेकत्वान शेंच बहुविविधतायेन भरला तरी तो एकामेकांक जोडला. संवसारांतली गुंतागूंत (complexity) कळून म्हाका गूढ सौंदर्य दिसता. दोंगरांची, दर्याची, मळबाची– तांच्या विस्ताराची जादू म्हजेर जाता. तांच्या भव्यतेचें अजाप म्हाका जाता. उंच हिमालयार जो कोण भोवला ताका तर तो भव्यदिव्य दिसला. तो ताका स्फुर्तीचें स्थान जाला. ताका थंयच्या कैलास शिखरार शिवाची वस्ती दिसल्या. ब्रह्मांड सगळ्याक आस्पावलां. ताचे अनंतत्व म्हाका जाणवता. तें म्हाका दिव्य दिसता. ताची दिव्यताय म्हज्या मनांत उचंबळाय हाडटा, जें म्हजें मन कितल्याश्याच संस्कृतायांनी आनी काळाच्या व्हांवतेन संस्कारीत जालां.

❑❑❑

निबंद म्हणचो तर निबंद न्हय, कथा म्हणची तर कथाय न्हय आनी वैचारीक स्वरूपाचे लेख म्हणचो तर तशेंय न्हय; पूण ह्या सगल्याचें मिश्रण जातूंत आसा अशें हें कलात्मक ललीत लेखन. ह्या लेखांनी तुकारामबाबांतलो कवी दिश्टी पडटा; कथाकारय झळकता आनी विशेश म्हळ्यार वैचारीक तांकीचो जिवनाचो भाष्यकारय आपणालें दर्शन घडयता. तुकारामबाबान ह्या लेखसंग्रहाक 'मनमोतयां' अशें अर्थभरीत नांव दिलां. मोतयां सागराच्या गोपांत पसवतात. हीं मोतयां लेखकाच्या मनसागराचे खोलायेतल्यान प्राणवंत जावन आयल्यांत. ह्या मोतयांतलें तेज फकत नदरेनच पारखुपाचें न्हय. तें अंतरमनांतलें संवेदनेनय अणभवपाचें. कारण हातूंत तुकारामबाबान आपणाल्या मनकप्यांत सांबाळून दवरिल्ल्यो कंवळ्यो-भुरग्यो तश्योच तरण्यो आनी कांय जाणट्यो यादी आनी घडणुकोय आसात. सैमसंगीताचें घुंगराळे पावलटीचो सादय तातूंत निनादत आसा. रूखावळ, शेतवडी, दोंगर-दोंगुल्ल्यो, वझरे, व्हाळ, न्हंय हांची दाट सयाय तातूंत आसा. शारी जिविताचो धगय आसा. बदलत्या समाजमनाचे हुस्कार आनी सुस्कारय आसात. भुतकाळाच्या खांद्यार बसून, वर्तमानाचो शिंवोर आंगार झेलयत भविष्याचो वेध घेवपाचीय तांक तांच्यांत आसा. तुकारामबाबाकडल्यान जे तांकीन कविता आयली, जे कुशळतायेन कथा बरोवन जाली, तितल्याच समर्थपणान हीं मनमोतयांय आकाराक आयल्यांत. कथा, काव्य, अणभवाची सोबिताय, नियाळणेतली बारीकसाण आनी वाचप्यांकडेन आत्मसंवाद सादपाची कळाशी लाभिल्ली सुंदर, सादी कथनशैली हांचो एक रसपूर्ण आनी तितल्याच उत्कट जाणविकायांचो संगम म्हळ्यार हीं मनमोतयां. कोंकणी सरस्पतीच्या गळ्यांत हो एक अप्रूप असो मोतयांचो हार - तिचे साहित्यीक समृद्धतायेक नव्या नव्या तासांनी परजळावपी.

- नागेश करमली

कोंकण टायम्स पब्लीकेशन

बेती, बार्देश, गोंय - 403101